Price ₹ 20/- (₹ 25/- Outside Goa)

गोंय मुक्तीच्या सुवर्ण महोत्सवी वर्साक सलाम!
(१९ डिसेंबर २०१०- १९ डिसेंबर २०११)

मासिक
बिम्ब
कोंकणी समाजाचें पडबिंब

जुलय २०११

भुरग्यांकूय तांचें स्वातंत्र्य आसता जल्माक घालतल्यांक तांचें भान नासता

जी प्रवृत्ती स्वातंत्र्यसंग्रामांत
आशिल्ली तीच तुमी
तुमचे मदीं बाणायात
- क्रांतिवीर मोहन रानडे

Shopping in Goa now has a name.

CACULO Mall™

Enjoy Everyday

Anchor stores

... and many more

A Caculo Venture

CACULO MALL : Caculo Enclave, St. Inez, Panjim, Goa. Tel: 0832 2233333 Email: info@caculomall.in Website: www.caculomall.in

BROADWAY.CM.012011

कोंकणी मासिक
बिम्ब
१० वें वर्स

वर्स : १० अंक ७

जुलय २०११

मोल २० रुपया

मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार

मुद्रक आनी प्रकाशक
दिलीप बोरकार

छापणावळ
इम्प्रेशन्स, बेळगांव.

व्यवस्थापक
कामिनी किणी

अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ
श्वेता नाईक

वर्गणीचे दर
वर्सुकी २५० रु. / तीन वर्सां ६०० रु.

खंयच्याय म्हयन्या सावन वर्गणीदार जांव येता. वर्गणीचो चेक 'बिम्ब' ह्या नांवान धाडचो

संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो
'धर्म-लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशी - गोंय ४०३ २०४
दूरध्वनी : (०८३२) २४३८३५५
E-mail : bimbkonkani@yahoo.co.in

ह्या अंकांत उकावल्ले विचार त्या त्या बरोव्याचे आसात. संपादक मंडळ तांचेकडेन सहमत आसतच असें ना.

५

भुरग्यांकूय तांचें स्वातंत्र्य आसता जल्माक घालतल्यांक ताचें भान नासता

– दिलीप बोरकार

संपादकीय /३
प्रतिबिम्ब /४
आत्मवाद – रवीन्द्र केळेकार/१३
सतीचे वाण – मोहन रानडे/१७
वोवळां – रमेश वेळुस्कार/२१
पयलो विद्रोही – महेंद्र कुमार मीश्र /उदय देशप्रभू/२५
सदगती– मुन्सी प्रेमचंद/नं. ध. बोरकार/३१
वालोर – एस्. डी. तेंडुलकार/३१
गोंयची भोंवडी – प्रा. प्रजल साखरदांडे/३९
दिका – विन्सी क्वाद्रूस /५५
पोसो – काश्मिरी पावसकार /५८
तेफळां – रुपा कोसंबे/५९
इंद्रधोणू – आशा शानभाग/६१
कथा – ब्रॅन्डा मिनेझीस /६४
पडवेर – कुसुम अग्रवाल/६८
उतरकुवाडें – संतोष शिवराम हळर्णकार/७०
आयलें तशें गायलें – दिलीप बोरकार/७१
संवाद – क्रांतिवीर मोहन रानडे
अॅड. सतिश सोनक/७३
भलायकी – राज वैद्य /७८

६६ मतसंवेदता

- रमेश भगवंत वेळुस्कार
- अशोक रं. शिलकार
- सुविना पालकार
- मेहंदी अनय नायक देसाय
- सुनिता शाह

४३ भुरग्यांचें आंगण

- शीला कोळंबकार
- शुभांगी नगर्सेकार
- दिलीप बोरकार
- डॉ. भिकाजी घाणेकार
- डॉ. संगिता बर्वे

रेखाचित्रां

गिरिश नंदा बोरकार

गोंय मुक्तीच्या सुवर्ण महोत्सवाक आमच्यो भांगर शुभेच्छा
मंगळुरांत पावल्यार मुजरत भेट दिवात
S. L. SHET
JEWELLERS & DIAMOND HOUSE
K. S. Rao Road, Mangalore. Ph. : 0824 - 2440242, 2440085, 2440271
E - mail : slshet@sify.com

HINDU PHARMACY
Caring Your Faith...Since 1911
हिन्दु फार्मासी
पणजी
फोन : २२२३११७३

Our 24x7 Full Time Specialist Team at GOA

- **Dr. Rohit Mody** - 8888820628
  Sr. Consultant- Interventional Cardiology
- **Dr. Mudit Khanna** - 9673272555
  Consultant- Advanced Joint Replacement Surgery & Orthopaedics
- **Dr. George Koshy** - 9158372777
  Sr. Consultant- Spine & Neuro Surgery
- **Dr. Dilip Kothari** - 8888820629
  Sr. Consultant- Surgical Gastroenterology & Laparoscopic Surgery
- **Dr. Madhav Sanzgiri** - 9822103595
  Sr. Consultant- Urology
- **Dr. Prithi de Sousa Araujo** - 9822127521
  Sr. Consultant- Internal Medicine
- **Dr. E. Krishnan** - 9158005664
  Sr. Consultant- Cardio Thoracic & Vascular Surgery
- **Dr. Mahendra Kare** - 8805876045
  Consultant- Internal Medicine
- **Dr. Sandeep Naik** - 9890275030
  Associate Consultant- Respiratory & Critical Care Medicine
- **Dr. Govind Desai** - 9637889501
  Associate Consultant- Respiratory & Critical Care Medicine
- **Dr. Ganesh Mhetras** - 9404415083
  Consultant- Nephrology
- **Dr. Vimmi Mody** - 9545239988
  Consultant: Dermatology
- **Dr. Manish Patel** - 9822032084
  Consultant: Aesthetic & Plastic Surgery

Meet our **Fulltime Specialist Team** of Doctors for OPD consultations **daily** from 9am – 5pm at the hospital. Needless to say, they are at hand **24x7** to give you their **very best**.

Emergency Help Line **0832-6684400**

OUR SPECIALITIES

- Cardiology & Cardio Thoracic Surgery
- Neurosurgery
- Trauma & Joint Replacement
- Urology & Nephrology
- Minimal Access Surgery & Gastro Intestinal Surgery
- Critical Care & Emergency Care
- Surgical Oncology
- Obstetrics & Gynaecology
- Paediatric Surgery
- Preventive Health Check-Ups

WOCKHARDT HOSPITALS

NUSI WOCKHARDT HOSPITAL
Panzorconi, Cuncolim, Salcete, Goa - 403 703. Tel: (0832) 6684444
E-mail: contact@wockhardthospitals.com Website: www.wockhardthospitals.com

गोंय मुक्तीच्या सुवर्ण महोत्सवी वर्षाक सलाम

देवा तांकां क्षमा कर!

'कोंकणी भास सैमीक रितीन ना जावचीना तर ती कोंकणी मनशांकडल्यानूच काबार जातली अशें वो लागींलागीं अशाच आशयाचें भाकीत कोणेतरी केल्लें, खंयतरी वाचनात आयिल्लें. जाणें तें केल्लें ताचें नांव जरी आज लक्षांत ना तरी ताचें हें भाकीत केन्नाच सत्यसृश्टीत येवपाचें ना म्हणपाची खात्री एका काळार आमकां आशिल्ली. कित्याक तर गोंयचे आनी गोंयां भायर विंगडविंगड सुवातांनी फाफसल्ले कोंकणी भक्त जे निश्ठेन आनी आत्मविस्वासान आपले आवय भाशेची सेवा करतात ती पळयल्यार कोणूच खपनखायरो असलो विचार चुकून लेगीत आपले तकलेंत हाडपाचीं पिशेपणां करचोना. जे कोंकणीक लिपी ना, जे कोंकणींत साहित्य ना अशें कालपयर आयकूंक येतालें तेच भाशेक ज्ञानपीठ पुरस्कार लेगीत लाबलो. अशें आसतना कोणे पिशान हें भाकीत केल्लें काय? असो प्रस्न निर्माण जाता आसतनाच तें भाकीत खरें जावंक लागलां आनी तेच दिकेन गोंयकारांचींच न्हय तर देशभरांतल्या कोंकणी मनशाचीं पावलां पडटात काय कितें असो दुबाव येवंक लागला.

वेगवेगळ्या कारणांक लागून कोंकणी मनीस जगार फाफसलो. गोंय सोडून वतना हे गोंयकार आपल्या वंठार कोंकणी भास घेवन गेले आनी सगळ्यांनी ती आपल्या उलोवपांतल्यान जिवी दवरली. केरळ, कर्नाटक, महाराष्ट्र ह्या राज्यांतल्या लोकांनी थळावे लिपींतल्यान साहित्य निर्मिती करून ती लिखीत रूपांत दवरपाचो थोडोभोव यत्न केलो आनी आफ्रिका आनी हेर देशांत वचून स्थायीक जाल्ल्या गोंयकारांनी ती दायजान आपले फुडले पिळगेकडेन पावयली.

ह्याच कोंकणी लोकांक एक भास, एक लिपी ह्या सुत्रान बांदून काडून जगभराच्या कोंकणी मनशाक एक करपाचो वावर सुरू जालो आनी त्या वावराक यशूय प्राप्त जावंक लागिल्लें. केरळ, कर्नाटक ह्या सारख्या राज्यांतल्या कोंकणी मनशान कोंकणी खातीर वापरांत येवपी थळावे लिपीचो वापर सोडून देवनागरीचो वापर करपाचें मानून घेतलें. गोंयच्या हिन्दू आनी क्रिस्तांव समाजान कोंकणी भास ही दोन पानांक एकठांय सांदपी फांदी अशें मानून जनमत कौल जिखलो. पंचवीस वर्सां मेरेन रोमी लिपयेचो वापर करपाचें मान्य करून क्रिस्तांव समाजान देवनागरींतल्यान कोंकणी मानून घेतली. संवसारभरच्या कोंकणी मनशाक लागीं हाडपाक विश्व कोंकणी संमेलनाचें आयोजन जालें. ही अशे तरेन कोंकणी भास रूजवणाक येवन फुलता, फळटा आसतनाच कोंकणी समाजांत कली रिगलो. व्यक्तीगत सुवार्थान तकली वयर काडली आनी एक भास, एक लिपी, एक संस्कृताय ह्या उद्दीश्टान एकठांय जावपी कोंकणी मनीस आपले खावपाचे दांत घेवन मुखार आयलो.

कर्नाटकांतलो, केरळांतलो कोंकणी मनीस आपली लिपी घेवन मुखार सरलो. गोंयचो क्रिस्तांव समाज आपणें दिल्लें उतर विसरून रोमीची मागणी घेवन फुडें आयलो. कांय वर्सां पयलीं हातांत हात घालून 'आमचें गोंय आमकां जाय' म्हणपी, 'कोंकणी उलय, कोंकणी बरय, कोंकणींतल्यान सरकार चलय' म्हणपी हेच लोक आयज शिक्षणाच्या माध्यमाच्या नांवान कुशीक सरल्यात. हातुंतलो एक घटक 'इंग्लीश उलय, इंग्लीश बरय' म्हणत सुटला आनी हाचो फायदो मराठीक जावंक लागला.

आयज गोंयांत देशी भासांच्या रक्षणाच्या नांवान हालींच कोंकणी-मराठी करीत झगडपी हे दोन वादी एकठांय आयल्यात. देशी भासांच्या उदरगती खातीर ती काळाची गरज आशिल्ली. पूण आयचे परिस्थितींत, इंग्लीश आनी देशी भासो हांचें झगडें चलतना मुखार सरता ती मराठी. खंयचें माध्यम जाय असो पालकांमुखार प्रस्न दवरतात तेन्ना कोंकणी-मराठी हातुंतलो पर्याय सोदपी मराठीकडेन वता. इंग्लीश माध्यम हें मराठी आनी कोंकणी ह्या दोनूय भासांक मारक हें खरें आसलें तरी आयचे परिस्थितींत मराठीय कोंकणीक मारक थारल्या. मराठी सांबाळूंक पुराय महाराष्ट्र आसा. मराठीक मरण ना. पूण गोंयांत कोंकणीची सुवात मराठी घेता ती पळयल्यार कोंकणी गोंयच्यान सासणाची काबार जातली आनी जाणें कोणें भाकीत केल्लें की कोंकणी भाशेक तिचे पुतूच काबार करतले, तें खरें जातलें. कित्याक तर मराठी म्हणत लढपी खरे कोंकणीच आनी इंग्लीश माध्यम मागपीय कोंकणीच. म्हणटकच आपल्या अहंकाराक लागून, आपल्या अज्ञानाक लागून हे कोंकणीचे पूत वेगवेगळ्या भासांफाटल्यान लागल्यात आनी ह्या पिशेपणांतल्यान ते आपलेच भाशेचो घात घेवंक उठल्यात.

ह्या लोकांचें हें कर्तुब पळयल्यार आनी तांका सुबुध्दी दी म्हणत देवाक गाराणें घालपी बुध्दीवादी कोंकणी नेतृत्व पळयत जाल्यार आमचें मन खासावीस जावन वता आनी मागीर शरणागती पत्करून म्हणन दिसता, देवा हें कितें करतात तें तांका खबर ना. तांकां क्षमा कर!

हें आतां सोपोवपाकच जाय....

आज आमी २१व्या शेकड्यांत जियेतात. सगळें बदल्लां, संवसार बदल्ला, नवे सोद लागल्यात, नवीं यंत्रां आयल्यांत, पूण लोकांच्या मनांतले विचार पोरणे ते पोरणेच उरल्यात... अंधश्रध्दा अजून आमच्या संवसारांतल्यान पुरायेन नश्ट जालीना.

पयलीं भारतांत सती प्रथा चलताली ती राजा राममोहन रॉयानी बंद उडयली. खूब बरें जालें. पूण इतल्यान सोपलेंना. आयजय आमच्या समाजांत रिती रिवाजाच्या नांवान जायत्यो क्रूर घटना घडटात... घोव मरतकच सगळ्यांत चड दुख्ख ताचे बायलेक भोगता आनी असल्या वेळार, जेन्ना तिका मानसीक पालवाची गरज आसता तेन्ना तिचेर हो छळ करतात. तुळशी म्हऱ्यांत व्हरून थंड उदकान न्हाणोवप, कपलाचो कुकूम पुसप, गळ्यांतलें मंगळसूत्र काडप, हातीचीं काकणां फोडप... ह्यो सगळ्यो कुड्ड्यो श्रध्दा न्हय जाल्यार कितें? जळवाचेर मीठ फापडप होच ताचो अर्थ. कोणे केल्या ह्यो चाली, कोणे केल्या ह्यो रिती... मनशानच! देवान केन्नाच कोणाक अशें करपाक सांगलेंना.

घोव मरतकच बायलेचेर हे अत्याचार करतात. तिका सांबाळपाच्या वेळार तिच्या मनाक चड त्रास दितात. पूण.... त्याच घोवाच्या जाग्यार जर बायल मेली जाल्यार घोवाक कितें करतात? आयज सुध्दां आमच्या समाजांत बायलेक इल्लोय वालोर, इल्लेंय मोल ना? आयजय लोकांचीं मनां ह्या विखान भरल्यांत? शेकड्यांनी वर्सां साकून चलत आयिल्ल्यो ह्यो चाली आमी चलयत आसात.... सगळें बदलता पूण हें कित्याक बदलना? हाचेर विचार कोण कित्याक करना??? कित्याक?

हें आतां सोपोवपाकच जाय... हो छळ आतां बंद करपाकच जाय. सुशिक्षीत आनी सुदारीत राज्यात असल्यो अंधश्रध्दा चलपाक फावना... हाचेर आतां आळाबंदा हाडपाक जाय.

– दानवीरा राऊत देसाय
XII विज्ञान
श्रीमती चंद्रभागा तुकोबा नाईक
उच्च माध्यमीक विद्यालय
कुडचडे – गोंय
फोन : २७८४५२६

दिवाळी अंकाखातीर साहि

२०११ सालांतली दिवाळी ऑक्टोबराक येता. बिम्ब दिव अंक ही वाचकां खातीर एक पर्व दीपोत्सवा प्रमाणेच हो दिवा अंकूय बिम्बोत्सव. ह्या उत्सव तुमी वांटेकार जावंचे अशी आम इत्सा आसा.

आमी कोणाकूच पत्रां बरो साहित्य मागनांत. पयलीं बरो विनयताले. पूण पत्र पावलां क ना हें लेगीत आमचे लेख कळयनांत. साहित्य धाडप कुशीनूच. तेन्ना दिवाळी अंक साहित्य धाडचें अशें हांग विनयता.

तुमचें साहित्य १५ ऑगस्ट मे पावता तशें धाडचें. साहि कागदाचे एकेच वटेन वाचूंक ये अशें बरोवंचें.

– संपाद

प्रिय सर,

तुमी धाडिल्लो जुनाचो अंक पावलो. वाचून खूब खोस भोगली. तुमी बरयतात तें हांव अंक हातांत पावले बराबर वाचतां. अंकांतलीं सगळीं सदरां बरीं आसात. तुमी एक दर्जेदार अंक काडटात ही गोंयच्या साहित्यीक मळावेली एक बरी घडणूक. तुमी क्रांतिवीर मोहन रानडे हांच्या सतीचे वाण ह्या आत्मचरित्राचो कोंकणी अणकार सुरू केला तें खूब खोशेचें. हांवें हें आत्मचरित्र वाचूंक नाशिल्लें तें आतां अशे तरेन वाचूंक मेळटा देखून तुमकां धन्यवाद. तुमकां एक सुचवणी करीन दिसता. कांय तेपा आदीं तुमी गोंयच्या चित्रपट निर्मितीचेर एक खाशेलो अंक काडिल्लो. तो अंक म्हाका खूब आवडलो. तातूंत तुमी गोंयच्या कोंकणी चित्रपटांचो इतिहास दिल्लो. आतां तुमी तसोच इतिहास आनी म्हायती दिवपी एक कॉलम बिम्बांत सुरू करचो अशें म्हाका दिसता. म्हजे हेर सुचवणेचेर तुमी विचार करतले अशी आस्त आसा.

बरें मागून

सम्राट बोरकार, राय.

भुरग्यांकूय तांचें स्वातंत्र्य आसता जल्माक घालतल्यांक ताचें भान नासता

- दिलीप बोरकार

राजू आनी पप्पू एकदमूच धावेक पावले, पप्पूक ७० टक्के मार्क मेळले. पप्पून आपल्या मित्रांक पेढे वाटले. राजूक ९८ टक्के मार्क मेळले. पूण ताका धारवाडकारल्या रोहिता परस १ मार्क उणो पडिल्लो. राजून घरांतल्या पंख्याक दोरी बांदून गोळेव घेतलो. ताच्या मर्णान पप्पू खूऽब रडलो. पूण राजूच्या पालकांक राजून जीव कित्याक दिलो कळलेंच ना.

राजूची शाळा ६ जूनाक सुरू जावपाची ती जालीच ना. आदले राती राजूच्या मम्मान राजूक शाळेंत धाडपाची सगळी तयारी केल्ली. राजूचो पयलोच दीस शाळेचो म्हणटकच राजूची शाळा चुकूंक फावना अशें राजूचे मम्माचें मत आशिल्लें. बोंडी बरी जावंक जाय. पयलेच दिसा जर शाळा चुकयली जाल्यार मागीर वर्सूयभर ती पनवत लागता अशें राजूची मम्मा मानताली. तेच पासत भारतीय भाशा सुरक्षा मंचान गोवा बंदचो उलो दिवनूय राजूक शाळेक धाडपच अशें तिणें थारायल्लें.

राजूच्या पप्पाचीय हरकत नाशिल्ली. ताका कांयच बादनाशिल्लें. राजूक शाळेंतूच सोडपाचो न्हय, गाडयेन सोडूं येता अशें ताणें राजूचे आवयक सांगलें. तरी बंद खंयच्या तोकाक वचत हें खबर नाशिल्ल्यान शेवटाक ताणेंच राजूचे आवयक समजायलें –

'आगो, पयलो दीस चुकलो म्हण कितें मळब कोसळटलें? पयले दिसा कोण कांय शिकयना.'

'पूण पयलेच दिसा घरा रावप म्हळ्यार गणेश पूजेक कुसको नाल्ल जावचोना? बोंडीच जर सारकी ना जाल्यार मागीर वर्सभर अशेंच जावपाचें.'

'आगो पूण गणेशपूजेक कुसको नाल्ल थरपाक तो शाळेंत खंय वता? तो तर इस्कोलाक वता.'

राजूचे बापायन टॉन्ट मारलोच. ताका राजूक इंग्लीश शाळेंत घालपाचो नाशिल्लो. आपणें मराठी माध्यमांतल्यान मुळावें शिक्षण घेतलां. पूण आपल्याक इंग्लीशींत मात्तूय अडचण जायना उरफाटें हेर लोकां परस बरी इंग्लीश येता. ते भायर हिन्दी, मराठी, कोंकणी ह्योय भासो बऱ्यो येतात. सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हळ्यार भारतीय, देशी संस्कृतायेची भेस बरी वळख आसा. लोकांकडेन कशें वागचें, जाणट्यांक मान कसो दिवंचो, अन्याया आड कशें पेटून उठचें, वायट घडणुकां पासून पयस कित्याक रावचें हें सगळें आपल्याक कळ्ळां तें देशी भाशेंतल्यान शिक्षण घेतिल्ल्यानूच असो राजूच्या पप्पाचो भावार्थ. देखूनच ताका आपल्या राजूनय कोंकणी शाळेंत मुळावें शिक्षण घेवचें अशें दिसतालें. ताणें मराठी शिक्षण घेतलें ताचें कारण त्या काळार कोंकणी शाळा नाशिल्ल्यो. आतां ती वेवस्ता आसा.

पूण राजूचे मम्माक इंग्लीश माध्यमांत घालपाची इत्सा जाली. तिच्यो महिलामंडळाच्यो इंश्टीणी, किटी पार्टीच्यो वांगडी आपल्या भुरग्यांक इंग्लीश माध्यमांतल्यानूच धाडटाल्यो. राजूचे मम्मीक आपल्या राजूक कोंकणी शाळेंत घालतलीं अशें सांगूक लज दिसताली. आपलो सामाजीक स्टेटस उणो जाता अशें तिका दिसतालें. तेच पासत हट्टाक पेटून तिणें राजूक इंग्लीश माध्यम आशिल्ले शाळेंत दाखल केल्लो. राजूच्या पप्पान घरांत वाद नाका म्हूण मारतें घेतिल्लें.

राजूचें केजीक नांव घाल्लें. केजी म्हूण कितें हें ताका कळनाशिल्लें. ताचो शेजारचो अंकल कॅजिटन. लोक ताका कॅजी म्हणटाले. पयलीं राजूक दिसलें ती शाळा त्याच कॅजी अंकलाची आसतली! देखून तिका केजी म्हणटात. देखून ताका शाळेंत वचचे पयलीं शाळा परकी दिसली ना. कॅजी अंकलाची केजी शाळा म्हणटकच आपलीच अशें शें कितें येवजीत राजू शाळा केन्ना सुरू जातली हाची वाट पळयत आशिल्लो. पूण पयलेच दिसा शाळा बंद म्हणटकच ताका वायट दिसलें. कॅजी अंकलान कित्याक शाळा बंद केली काय?

मागीर ताका पप्पाच्या तोंडांतल्यान कळ्ळें की ६जूनाक शाळाच न्हय तर अख्खें गोंयच बंद. तशें जाल्यार बरें आसा अशें चिंतून तो ते दिसा पप्पू वांगडा खेळूंक गेलो.

इंग्रजी भास प्रत्येकाक येवंक जाय



– मोहन रा

शिक्षणाचें तत्व अशें अ
की मायंभाशेंतल्यान भुरग्य
शिकयलें जाल्यार तें चड क
आनी काळजांत रुजता. जी भास तांकां परिचीत न
भाशेंतल्यान जर शिकयलें तर ते रोखडेच आत्मस
करूंक शकनात. हुशार, बुध्दीमान भुरगो एकदे
करूंक शकता. ना न्हय. हांव सर्वसामान्य भुरग्य
उलयतां. हें शिक्षणीक तत्व आसा. कोठारी कमिशन
लेगीत तें मान्य केलां आनी सांगलांय बी. देखून अ
मराठी शाळा काडपाचें थारायलें. इंग्रजी शाळ
पसरे-दुकानां आसातूच. पूण मराठी शाळा लोक
पसंत पडनात. जायत्यो गजाली अश्यो आसतात
तात्वीक नदरेन त्यो खऱ्यो आसतात. पूण लोकांक त
पसंत पडटल्योच अशें न्हय. कोंकणीच्यो जरी शा
काडल्यो तरी त्यो चलच्यो नात. लोकांचो विस्व
आसा, जंय आपलो उद्दार जातलो तो इंग्र
भाशेंतल्यानूच जातलो. खरेंय आसा तें. इंग्रजी भा
प्रत्येकाक येवंक जाय. पूण इंग्रजी भास येवंक ज
म्हळ्यार सगळे विशय इंग्रजी माध्यमांतल्यान शिकूं
जाय अशें कांय न्हय.

पप्पू ताचेच पिरायेचो. पूण तो कॅजी अंकलाचे शाळेंत वच
नाशिल्लो. ताका ताच्या डॅडीन बालवाडींत घाल्लो. पप्पू बालवा
कित्याक आनी आपूण केजींत कित्याक हें राजूक कळ्ळें ना. अ
जसो कॅजी अंकलाक वळखतां तसो पप्पूय वळखतालो. मागीर प
बालवाडींत सो!

दुसरे दिसा राजू शाळेंत म्हळ्यार लिटल फ्लावर मोण्टेसरी स्कु
गेलो. पूण ताका थंय कॅजी अंकल दिसलो ना. ताचेच पिरायेचीं जा
भुरगीं थंय आशिल्लीं. सगळ्यांनी ताचेवरींच बरे बरे कपडे घाल्ले.
घाल्ले. खांदार पुस्तकांची बॅग लायिल्ली. दुसऱ्या खांदाक वॉटर बॉ
लायिल्ली. ह्या सगळ्या वजनान राजू वरींच सगळीं भुरगीं सा
चेपून गेल्लीं.

मागीर टिचर आयली. सगळ्या भुरग्यांक पळोवन टिचर मोगाळ हासली. राजूक तिचे लिपस्टीक लायिल्ले वंठ आवडलेनांत. वंठाची लिपस्टीक दांताक लागिल्ल्यान दांतूय तांबडे जाल्ले.

ही लवलिना टिचर. गांवच्या एमएलएन मॅनेजमेंटाकडेन फावोर मारून लवलिनाक थंय दसयिल्ली. लिटल फ्लावर मोण्टेसरी स्कूल खासगी शाळा, इंग्लीश माध्यमाची. तिका सरकारी ग्राण्ट ना. टिचरांक पगार मॅनेजमेंट दिता. मॅनेजमेंट हे दुडू स्टुडन्टांच्या पालकांकडल्यान डोनेशन घेवन उबे करता. तांतले अर्दे अदीक आपलें प्रॉफिट म्हूण कुशीक काडटा आनी टिचरांच्या हातार पगार म्हणून चार पयशे उडयता ते दितना सरकारची ग्राण्ट मेळटकच पगार वाडटलो म्हूण सांगपाक विसरना. तेच आशेचेर टिचर लिटल फ्लावरांक तोंडार उबगण हाडून शिकयताली. केन्ना ना केन्ना सरकाराकडल्यान ग्राण्ट मेळटली आनी आपल्याकूय ललिता सारकेच कांय हजार रूपया पगार म्हूण मेळटले हाची लवलिनाक खात्री आशिल्ली. ललिता सरकारी बालवाडी शाळेची बाई आशिल्ली.

लवलिना जे ग्राण्टीची वाट पळयताली ती ग्राण्ट चर्चिल आलेमांवाचे कृपेन ताका फाव जाली आनी इतलीं वर्सां हय न्हय अश्या पगाराचेर शिकयलें ताचें सार्थक जालें म्हण लवलिना सामकें खूश जालें. आपली ही खोस कशी उक्तावं हें लवलिनाक कळनाशिल्लें. तेच पासत नव्या वर्साच्या पयलेच दिसा भुरगीं इस्कोलांत आयल्या बराबर तें तांच्या येवकाराक म्हळ्यार वेलकमाक सगळ्यां मुखार रावलें. 'वेलकम, वेलकम चिल्ड्रेन, वेलकम चिल्ड्रेन' म्हणत तें दरेक भुरग्याचे तकलेक हात लावंक लागलें. कोणेंय अशें केलें म्हणटकच 'थॅन्क्यू टिचर' म्हणचें अशें भुरग्यांक घराकडेन सांगिल्लें. तेच पासत सगळ्यांनी टिचरींक टॅन्क्यू टिचर म्हळें. राजूनय भीतभीत, कांचेवत लवलिना टिचरीकय थॅन्क्यू टिचर म्हणलें. पूण ती टिचर कितें उलयता तें राजूक कळना आशिल्लें. तो सामको भिवून गेल्लो.

मागीर टिचरीनी भुरग्यांक शिकोवंक सुरवात केली. जून लागिल्लो तरी अजून बाजारांत आंबे आशिल्ले. लवलिना टिचरीन पर्सींतल्यान एक आंबो काडलो आनी भुरग्यांमुखार नाचयलो आनी प्रस्न केलो, चिल्ड्रेन व्हाट इज धीस?

कितें जाप दिवंची ती भुरग्यांक कळ्ळिना. तीं घुस्पलीं. तरी एकल्यान जाप दिलीच. 'मँगो' त्या भुरग्याचो डॅडी गल्फाक सिव्हीसेक आसतालो. मागीर टिचरीन पर्सींतल्यान केळें भायर काडलें. तें भुरग्यां मुखार नाचयलें आनी तोच प्रस्न केलो. भुरग्यान जाप दिली 'बनाना'.

राजूक हें कितें चल्लां तें कळच नाशिल्लें. जिका म्हजी मम्मी आंबो म्हणटा, केळें म्हणटा ताका टिचर मॅन्गो आनी बनाना म्हणटाली. अशें कित्याक तें राजूक कळ्ळेंना.

मागीर टिचर लवलिनान भुरग्यांक उबीं केलीं. तांचे मुखार तीय उबी रावन म्हणूंक लागली. 'रिंगा रिंगा रोजेस, पॉकेट फुलऑफ पोजेस, हाश्या, हुश्या ऑल फेल डावन' हें म्हणटना लवलिना टिचर हात नाचयताली, वाटकुळे घुंवडायताली आनी ऑल फेल डावन म्हणटना आपुणूच घुवळून पडली. भुरग्यांक कांय कळ्ळेंना. फक्त मजा दिसली. तिणें भुरग्यांकूय तशेंच करूंक लायलें. राजूनय टिचरीच्या भंयान केलें पूण कितें केलें आनी कित्याक केलें तें कळ्ळेंना.

सांजचो राजू पप्पू वांगडा खेळटना पप्पून आपले बाईची गजाल सांगली. बाईन 'हळदुवो ताल्ल बेबो शेता मेरेर उबो' 'यो रे यो आमी खेळ खेळुया' बी पदां कशीं म्हणलीं तें सांगलें. आपणेंय म्हणून दाखयलीं. पूण राजूक मात आपले टिचरीन कितें शिकयलें तें सांगूंक जालें ना. फकत ताणें हाश्या हुश्या ऑल फेल डावन म्हणत सकयल घालून घेतलें. ताणें तशें कित्याक केलें तें पप्पूकय कळ्ळें ना.

हांगा राजू आनी पप्पू हे दोनूय भुरगे एकेच पिरायेचे. राजूक ताच्या पालकानी इंग्रजी माध्यमात घाला. राजूक माध्यम म्हळ्यार कितें तें

डिनॅशनलायझ्ड नागरीक

– रवीन्द्र केळेकार



हो भुरगो आतां हे शाळेंत शिकतलो. कांय दिसांनी कॅट मॅट हॅट फॅट करपाक लागतलो. मागीर ल्हवू ल्हवू एक दीस इंग्रजींतल्यान उलोवपाक लागतलो. इंग्रजां सारको भेस करतलो. इंग्रजांची नदर घेतलो आनी समाजांत 'कोण तरी' जातलो. आपणाली देख, आपणाली भास, आपणाली संस्कृताय हांचे पसून पयस वतलो. आपणालें नीज होगडावन बसतलो. आनी देशभश्टो–डिनॅशनलायझ्ड – जावन पडटलो. फुडाराचे बरे नागरीक जावचे म्हूण आमी भुरग्यांक शाळेंत घालतात. बऱ्या नागरिकांक लागून देश बरो जाता अशें सगळेच सांगतात. पुणून, शाळेंत पावल दवरना फुडें जांचो देशा कडलो संबंद तुट्टा, जे आपणाल्या देशा पसून, भाशे पसून, संस्कृताये पसून पयल्याच दिसा पयस वतात ते फाल्यां बरे नागरीक जातले अशी उमेद तरी कशी बाळगूं येता?

खबर ना. ताका इस्कोल आनी शाळा हातुंतलो फरक खबर ना. हें सगळें राजूच्या पालकांक खबर आसा. तांका जे तरेन खबर आसा, तांची विचारशक्त जितली मेरेन धांवता तितलीच तांची धाव आसा. आपले तांकी प्रमाण विचार करून तांका आपल्या भुरग्यांचो फुडार घडोवपाचो आसा. ताका डॉक्टर, इंजिनिअर नाच जाल्या ॲडव्होकेट करपाचो आसा. हें करतलो जाल्यार ताका इंग्लीश बरी येवंक जाय. म्हणटकच ताका आपले भाशे पासून पयस दवरप आनी फक्त इंग्लीशूच ताच्या कानार पडटा अशी वेवस्था करप. शाळा जाल्या उपरांत ताका ट्युशनाक धाडप, मागीर संगीताच्या क्लासाक धाडप. थंयच्यान भायलेभायर कराटे वर्गाक धाडप आनी मागीर क्रिकेट कोचींगाखातीर ग्राऊंडार व्हरून सोडप.

राजूचे पालक हें सगळें कित्या खातीर करतात? तांका राजूच्या फुडारा खातीर करपाचें आसा हें सगळें? ना. तांका आपणाक जें आयुश्यांत करप शक्य जालें ना तें राजूकडल्यान करून घेवपाचें आसा. राजूच्या डॅडीक दोतोर जावपाचें आशिल्लें. पूण आर्थिक परिस्थिती बरी नाशिल्ली. राजूचे मम्मीक संगीताची आवड आशिल्ली घरच्या चलयांनी नाटक, नृत्य, संगीत असल्या विशयांनी लक्ष घ लोक नांवां दवरतात अशें मत तांच्या घराण्याचें आशिल्लें. रा पप्पाक कोणेंय कितेंय म्हणत जाल्यार, बॉसान तापयत जाल्यार जाप दिवप जमनाशिल्लें. तो फक्त मनांतल्या मनांत आपूण अ आड लढटालो आनी कराटे, कूंग फू करतालो. सचीन, धोनी, असले कितले तरी क्रिकेटगडे क्रिकेट खेळून आडबऱ्यां जो तांका पयसोय मेळटा आनी प्रसिध्दीय मेळटा. आमचोय राजू जावचोना हें कोणें सांगलां?

राजूच्या पालकानी राजूक जल्माक घाल्लो तो राजू जल्मूचो न्हय. तांका तांच्या म्हातारपणार तांची काळजी घेवपी, जोडून तांका पोसपी कोण तरी जाय आसलो. आपल्या आयुश्यांत आप ज्यो गजाली जमल्योनांत त्यो पुराय करपी कोण तरी जाय आशि म्हूण ताणीं राजूक जल्माक घाल्लो. ते दिकेन राजूचे पालक घडयताले.

राजू केजी पासून मुखार एकएक वर्स हुपत फुडल्या फुडल्या वतालो. आपल्या मम्मी डॅडीक खूश करपा खातीर तो चडांत गूण घेतालो. सगळ्या मळार पयलो येतालो. कित्याक, ताका कितें लागता तितलेंय ताचे मम्मी–डॅडी ताका दिताले. तरी त राजूक पप्पूचो मत्सर दिसतालो. ताचे वरींच आपणें वागचें दिसतालें ताका.

पप्पू शाळेक सुटी पडली म्हणटकच दोंगरार वचून काण्णा– खातालो. जांबळांनी जीब जांबळीच करतालो. झाडार चडट फुलपाख्यां फाटल्यान धांवतालो आनी इतलेंय करून ताका बरे मेळटाले. एक मार्क उणो मेळ्ळो म्हूण ताचे आवय–बापूय कांयच म्हणनाशिल्ले. उरफाटें ताका वाचूंक बरीं बरीं काणयांचीं पुस्त दितालीं.

राजू आनी पप्पू एकदमूच धावेक पावले, पप्पूक ७० टक्के मेळ्ळे. पप्पून आपल्या मित्रांक पेढे वाटले. राजूक ९८ टक्के मेळ्ळे. पूण ताका धारवाडकाराल्या रोहिता परस १ मार्क पडिल्लो. राजून घरांतल्या पंख्याक दोरी बांदून गोळोव घेतलो. त मर्णान पप्पू खूऽब रडलो. पूण राजूच्या पालकांक राजून जीव कित दिलो कळ्ळेंच ना.

राजूच्या पालकांक राजून जीव कित्याक दिलो हें जशें कळ तशेंच खूबश्या पालकांक आपल्या भुरग्यांचें कितें जाता तें कळ तांका केन्नाच कळ्ळेंना की भुरग्यांक स्वातंत्र्य आसता. तांका वि करूंक कळटा आनी तांच्या विचारांचो आदर करूंक जाय.

भुरग्यांक जल्माक घालीं म्हणटकच तांचेर आपलो अधिकार आसा. भुरग्यांनी कितें जावप हें आमी थारायतलीं. भुरग्यांक कांयच कळना. तांका तांचें बरें वायट खबर नासता. आमी पालक सुशिक्षीत. निर्णय घेवप आमचे हातांत आसता.

निर्णय घेवप पालकांचो हक्क?

भुरग्यांक स्वातंत्र्य आसता, तांका विचारशक्त आसा, तांका उपजत स्फूर्त आसता हो विचारूच आज मेरेन एकाय पालकाक आफुडलो अशें दिसना. ताचें कारण म्हळ्यार दरेक पालकान आपणें जल्माक घाल्लें भुरगें म्हळ्यार आपली प्रॉपर्टी मानली. आपल्या भुरग्यांक ताणीं मुक्तपणान फुलूक दिलेंना तर कुमार जसो मडकें घडयता, मडक्याक आकार दिता असली उपमा आनी ओपारीनी ताणीं भुरग्यांकडेन पळयलें.

भुरग्यांक विचार करपाची शक्त आसता, तांकां स्वातंत्र्य आसता, तांचे भितर उपजतूच आपस्फुर्तीची आनी स्वावलंबी कृतीची इत्सा आसता म्हणपाची कल्पना मॅडम मॉण्टेसरी हे बायलेन, विसाव्या शेकड्याच्या आरंबाक मांडली. ते पासत तिणें मानसशास्त्राचो आदार घेतलो. भुरग्याक समजून घेतल्या बगर ताच्या शिक्षणाचो विचार करूंकच नज अशी भुमिका तिणें घेतली. भुरग्याक जर समजून घेवंचें आसत जाल्यार भुरग्यांक मुक्त दवरूंक जाय, स्वतंत्र दवरूनच तांचें अवलोकन करूंक जाय असो विचार तिणें ठामपणान मांडलो. मुक्त, स्वतंत्र वातावरणातूच भुरग्याक आपले उपजत प्रतिभेन स्वशिक्षण घेवं येता हें चिरंतन सत्य होलमलें तें मॅडम मॉण्टेसरीक.

खंयचेय व्यक्तीक आपली स्वताची उदरगत करून घेवपाची आसल्यार ती स्वताचे कलेन, स्वताचे गतीन करूंक येवंक जाय. दरेक व्यक्तीक आपले उदरगतीक स्वतंत्र वातावरणाची गरज आसता. कोणेच खंयच्याय दडपणाखाल, खंयच्याच बंधना खाल त्या भुरग्याक वो व्यक्तीक दवरूंक फावना. मॅडम मॉण्टेसरी म्हणटा, भुरग्याक वर्गातलें, शाळेंतलें वातावरण निर्भय दिसूंक फावो. शाळेंतले शिक्षक हेच भुरग्यांनी भिवपाचें मुखेल कारण आसता. शिक्षक ह्या भुरग्यांक गोरवां, मेंढरां समजतात आनी तांचेर नदर दवरप हीच आपली पयली जापसालदारी समजून आपली नुरा उग्र दवरतात. तांची नदर करडी आसता. शाळेंतली शिस्त, धाक, ख्यास्त आनी परिक्षा ह्यो सगळ्यो गजाली शाळेचें वातावरण भिरांकूळ करून सोडटात. शिक्षणसंस्था, शिक्षक आनी शिक्षणवेवस्ता हें भुरग्यांचें स्वातंत्र्य झोंबून घेता.

आयज भुरग्यांक खरें म्हळ्यार मुक्त, स्वतंत्र वातावरण जाय आसता. इतल्या वर्सांच्या अणभवान आमकां आमच्या भुरग्यांच्या शिक्षणाचें धोरण कळूंक जाय आशिल्लें. पूण आमकां अजून शिक्षणाचें धोरण म्हळ्यार कितें हेंच समजूंक पावलेंना. आमच्या देशांत ब्रिटिशांचे गरजे प्रमाण शिक्षण पध्दत अस्तित्वांत आयली. ब्रिटिशांक गरजेप्रमाण कारकून तयार करपाची शिक्षण पध्दत जाय आशिल्ली. तीच शिक्षण पध्दत अजून आमच्या देशांत चलता. आमचे मदीं स्वताक शिक्षण तज्ज्ञ म्हणोवपी कितलेच बुदवंत आसात. ब्रिटिश काळावेली कारकून निर्माण करपाची पध्दत जी अजून शिक्षणाच्या मळार अस्तित्वांत आसा ती न्हयकारपा खातीर मुखार सरपाचें धाडस ह्या कितल्या शिक्षणतज्ज्ञामदीं आसा? शिक्षकांक, शिक्षणसंस्थांक, पालकांक, शासनाक समजावपाचो, तांका भुरग्यांच्या स्वतंत्रतायेचें म्हत्व पटोवपाचो हो वेळ आसा. आयज शाळांतल्यान, घरांतल्यान आयचीं भुरगीं भयंकर दडपणाखाल शिक्षण घेतात तें पळोवं नज जाता. शिक्षण दिवपाच्या नांवान भुरग्यांक चार वण्टीं भितर बंदिस्त करून दवरप, भुरग्यांक ख्यास्त दिवपाची भिरांत घालप, शिक्षकांची मर्जी राखली ना जाल्यार शिक्षक नापास करतलो हाची भिरांत, पालकांचें भुरग्यांचेर दडपण, अमुकच मार्क घेवंक जाय, अमुकच गृहपाठ करूंक जाय, भुरग्यांचें एका एका मिनटाचो अभ्यास करून तयार केल्लें वेळापत्रक, साबार अभ्यासाचें वजें माथ्यार हाका लागून भुरगीं आपलें भुरगेंपण शेणोवन बसतात. तांका भुरगेपणारूच जाण्टेपण येता. आमी शाररीक आनी बौध्दीक नदरेन एक कमजोर असो नागरीक निर्माण करतात.

आमचें शिक्षण कशें आसूंक जाय?

आयचें शिक्षण पळयत जाल्यार भुरग्यांक निरूत्साही करपी, सदांच तेंच तेंच करूंक लावपी अशें आसा. भुरग्यांक बाकांनी चिड्डून बसोवन तांचे हालचालीचेर नियंत्रण दवरप, भुरग्यांच्या उलोवपाचेर बंदी हाडून आपलेंच शेर्मांव भुरग्यांमुखार दवरप. अणभवांक प्रतिबंद करपी क्रमिक पुस्तकां, अणभवान घेतिल्ल्या शिक्षणाचें मूल्यमापन योग्य तरेन करिनासतना त्या विरोधी प्रकारच्यो परिक्षा घेवप, हाका लागून भुरगीं शाळा म्हणटकच दचकतात.

भुरग्यांक शिकोवन घेवप आवडना. तांका शिकप आवडटा. तातूंत नवेंपण आसत आनी प्रस्नांचें आव्हान आसत जाल्यारूच भुरगीं शिकतात. तांकां सतत नव्या गजालींचो शोध घेवप आवडटा. आयचें शालेय वातावरण हें गुलामीचें आसा. तें बदलून शिक्षणांत स्वातंत्र्य हाडूंक जाय. शिक्षक हे वेगळें वातावरण निर्माण करपी, भुरग्यांक विस्वास दिवपी, प्रेमाचें, मुक्ततायेचें आस्वासन दिवपी आसपाक जाय. शिक्षकांनी भुरग्यांक समजून घेवंक जाय. सैमीक रूपान तीं कशीं आसात, कशीं वाडटात आनी कशीं शिकतात हें समजून घेवंक जाय.



आमच्यो पाटयो कोणें फोडल्यो?

आदीं शाळेंत पावल दवरप जातालें तें हातांत पाटी घेवनूच. आमचें भुरगेपण पाटयांचे सांगाताकूच सरलां. आसनमांडी घालून, मांडयेर पाटी दवरून तिचेर गिरोवप, श्रीगणेशा चिरप म्हळ्यारूच शिक्षणाचो श्रीगणेशा.

आयज काळाच्या ओघात पाटी फाटीं पडल्या. लाकडी धवीच चौकट आशिल्ली काळीच पाटी घरा हाडून, काडयेन तिचेर धवीच पयली रेघ मारप हातूंत जें सूख आसतालें तें सूख आतांच्या काळार मेळप कठीण. पाटी म्हळ्यार आमची खरी संस्कृताय आशिल्ली. पाटी धुवन, तिचेर सरस्वती काडप आनी ती सरस्वतीच्या पांयाकडेन पुजेक लावप हातुंतल्यानूच आमकां शिक्षणाचें म्हत्व कळून आयिल्लें. हाकाच लागून जें संवसारांतलें भव्य-दिव्य, आदर्श जें कितें आसा तें आमी आमच्या काळजांत साठोवंक शकलें. पूण जसजशी पाटी आमच्या विद्यार्थ्यांच्या जीवनांतल्यान पयस जाली तसतशें आमचे जिणेंतलें शिक्षणाचें म्हत्व उणें जालें. विद्येन वेव्हाराचें रूप घेतलें.

भुरग्यांची शिक्षण प्रक्रिया ही पाटयेचेर अवलंबून आसता मत आतां शिक्षण तज्ज्ञ मांडपाक लागल्यात. भुरगें जेन्ना पयले आरंभाक जेन्ना आपले मुठींत पेन्सील, पेन बी धरता तेन्ना तें पु मूठ घट्ट बंद करता. कित्याक तर पेन्सिल धरपा इतली अपे हालचाल करपाची शक्त भुरग्यांच्या बोटांनी आयिल्ली ना तेचपासत भुरग्यांक बरोवपाक शिकयतात तेन्ना तांच्या हा सगळ्यांत पयलीं पाटी दिंवची अशें आयज जाणकार सांगतात. प पाटयेचेर ओळी मारूंक, भिरकटावंक काडी, खडू, मागीर दुदीपे आनी उप्रांतूच शिसपेन्सील हो क्रम आसूंक जाय अशें तज्ज्ञ सांग हाका लागून भुरग्यांचीं बोटां, हात, खांदाचे स्नायु हांका व्यायाम मे पावता.

मांडयेर पाटी घेवन बरोवपांतल्यान भुरग्यांच्या बोटांक बरी प येता. मनगटाचे स्नायु विकसीत जातात. काळा प्रमाण खूब बदलता हें खरें आसलें तरी भुरग्यांची शिकपाची प्रक्रिया बद फावना. पाटयेचो स्पर्श होय भुरग्यांच्या भावविश्वाचो वांटो आ बरोवप, पुसप, परतून बरोवप हें फकत पाटयेरूच शक्य अ पाटयेकडेन भावनीक संबंद जुळटात देखून तेच शिक्षणाकडेन जुळ

ज्या शिक्षणाकडेन भुरग्यांचे भावनीक संबंद नांत तें शिक्षण अडेचें, उखलापें अशेंच म्हणचें पडटलें.

भुरग्यांची वाचनाची गोडी खंय गेली?

'आतांचीं भुरगीं वाचनूच करिनांत' ही आयच्या पालकांची, शिक्षकांची रड. भुरगीं अवांतर पुस्तकां वाचनांत तें जालेंच, शाळेंत शिकयल्लो धडो घराकडेन वाचून येयात म्हूण सांगल्यार लेगीत भुरगीं तो वाचतलींच म्हणपाचें खरेपण ना. ख्यास्त जातली, वो टिचरीन सांगलां म्हूण वाचपी भोव थोडीं. पूण वाचन म्हत्वाचें हे भावनेन वाचपी भुरगीं आज खंयच सापडपाचीं नांत.

आयज शाळांनी संगणक फुकट दिवपाची एक सर्तच लागल्या. दरेक भुरग्याक संगणक, रेनकोट, सायकली सगळें सगळें दितात. कित्याक तर भुरग्यांनी अदर्यार शिक्षण सोडूंक फावना. तांकां शिक्षणाची गोडी लागूंक जाय. पूण ह्या भुरग्यांक वाचनाची गोडी लागची, तांकां वाचूंक प्रोत्साहन मेळचें देखून तांकां तांचे आवडी प्रमाण पुस्तकां भेटोवपाचे प्रकार कितल्या शाळांनी घडटात? शिक्षणखातें वो सरकार ह्या भुरग्यांमेरेन पुस्तकां पावचीं म्हूण कितली जतनाय घेतात?

संगणक दिवप, सायकली दिवप, रेनकोट दिवप हातूंत मोठ्या प्रमाणात आर्थीक वेव्हार जाता. ताची किमतूय चड आसा. मोट्या प्रमाणात चड रकमेची खरेदी केल्यार शिक्षणमंत्र्या पासून सगळ्याच संबंदीत लोकांक हिसपाभायर मलिदो मेळटा. कसल्या दर्जाचे संगणक आनी सायकली दिल्यात हें कोण पळोवंक वचनांत. ते भायर हें सगळें फुकट मेळिल्ल्यान तातुंतल्यो त्रुटी विद्यार्थी आनी पालक सोदूंक वचनांत. पूण पुस्तकांचो दर सिमीत आसता. भुरग्यांचे पिराये प्रमाण पुस्तकां थारायल्लीं आसतात. तांचो दरूय नियंत्रीत आसता. जीं पुस्तकां खरेदी करतात तांचो दर्जो, दर प्रूफ म्हूण तपासूंक मेळटा. तेन्ना ह्यो गजाली वाटपात कोणाक रस नासता.

भुरग्यांचें वाचन हळुहळू कमी जाता ही भिरांत आयज उक्तायतात ती गांभिर्यान घेवपाची गरज आसा. वाचनान बुध्दी तल्लख जाता, शब्द संपत्त वाडटा, भाशांवेलें प्रभुत्व वाडटा. पूण जांची पुराय शक्ती फक्त इंग्लीश माध्यम दिवंक खर्चता, तांचे कडल्यान आदर्श भुरग्यांच्या आदर्श शिक्षणाविशीं कसल्यो म्हूण अपेक्षा बाळगप?

आयज इंग्लीश माध्यमाचो जो म्हारू गोंयच्या सरकारान उठयला तोय ह्याच प्रकारांतलो जावन आसा. आमच्या कांय लोकांक आपल्या भुरग्यांनी इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिक्षण घेवंचें अशें दिसता. मुख्यमंत्री आनी हेर इंग्लीश मोगी म्हणटात आमी जाय तांका जाय तें दिलां. म्हणचे कोंकणी मागतात तांका कोंकणी दिल्या, मराठी मागता तांका मराठी दिल्या आनी इंग्लीश मागता तांका इंग्लीश दिल्या. ज्या पालकांक आपल्या भुरग्यांक ज्या ज्या माध्यमांतल्यान शिकोवंचें दिसता ताणीं त्या त्या माध्यमांतल्यान शिक्षण दिवंचें. हाचेवेल्यान अशें दिसता, गोंयच्या सरकारान पसरो घाला. पसऱ्यार जो कोण मागूंक येता ताका तें तें दिवप. कोणाक कॅसिनो जाय कॅसिनो घेयात. सोऱ्या बार्रां जाय बार्रां घेयात. कुंटण खाने चलोवंक जाय ते चलयात. गरजे भायर दुस्पट करूं नाकात. आमचें सरकार चल्लां तें चलूं दी. तुमी नाका थंय बोवाळ घालून आमी जोडटात ते जोडीचेर हांवळ हाडटात. सरकाराक कॅसिनोक मान्यताय दिवप आनी शिक्षण माध्यमाक मान्यताय दिवप एकूच दिसता.

सरकाराचें काम कितें? तर जें जनतेक बरें तें दिवप न्हय तर बऱ्याक पडटा तेंच दिवप. बऱ्याक कितें पडूं येता ताचें एक धोरण सरकाराकडेन आसता. तें धोरण लोकनियुक्त प्रतिनिधी थारायनात तर त्या मळावेल्या तज्ज्ञ लोकांकडल्यान तयार करून घेवन तें चालीक लावप सरकारचें काम. हीं असलीं धोरणां चर्चिल, बाबूश, मॉविन आनी हेर इंग्लीश धार्जिणे, जांका कसलीच वैचारीक पातळी ना ताणीं जर थारायलें जाल्यार मागीर त्या मळावेल्या तज्ज्ञांचें काम कितें? हे लोक मॉण्टेसरी स्कूल चलोवंक मागतात. पूण मॉण्टेसरीचें तत्व कितें हें हांका खबर ना. त्या तत्वाप्रमाण ह्या लोकांनी शिक्षण माध्यम मागल्यार हांका सगळ्यांक शिक्षणाचें माध्यम कोंकणी करचें पडटलें. मॅडम मॉण्टेसरी तेंच तर सांगता. पूण तेंच ह्या बोंड्यांक कळना देखून पर्थून पर्थून सांगचें पडटा- आरे बाबानो, तुमच्या पिशेपणाक लागून तुमी भुरग्यांच्या स्वातंत्र्याचेर हावळ हाडटात. तुमच्या मर्खपणाक लाक्षग:ून तुमी ह्या भुरग्यांच्या मनाचेर नाका जाल्लो ताण घालतात. हाका लागून भुरगीं फुडाराक बऱ्याक पावचिनांत. हीं भुरगीं फुडें नागरीक म्हूण वावुरतले तेन्ना विचारशक्त होगडावन बशिल्ले, फक्त मतदार म्हूण जियेवपी आनी जिवे आसात म्हूण पोट भरपी अशे नागरीक जातले. ह्या नागरिकांविशीं कोणाकूच आदर नासतलो, तांचेकडल्यान गोंयचें नांव वयर काडपी कसलीच गजाल घडचिना. हें फट जाल्यार फाटल्या वीस-पंचवीस वर्सांत फक्त इंग्लीशींतल्यान शिक्षण घेतिल्ल्या भुरग्यांकडेन पळयात. त्या भुरग्यांचें स्वातंत्र्य भुरगेपणारूच तांच्या पालकांनी काडून घेतिल्लें आनी आपलें स्वातंत्र्य तांच्या बोडार मारिल्लें. स्वातंत्र्य माध्यम वेंचून काडपाचें. पालकांक जाय तें माध्यम. भुरग्यांक जाय तें न्हय देखूनच हे अबरगत नागरिकूय आयज इंग्लीश मागतात.

■■■

With Best Compliments From

THE

Little Collection

A GIFT SHOP

Shop No. 2,
Padmavati Towers,
18th June Road,
Panaji - Goa 403 001.

देशभश्टे तयार करपी कारखाने



हो भुरगो आतां हे शाळेंत शिकतलो. कांय दिसांनी कॅट मॅट हॅट फॅट करपाक लागतलो. मागीर ल्हवू ल्हवू एक दीस इंग्रजींतल्यान उलोवपाक लागतलो. इंग्रजां सारको भेस करतलो. इंग्रजांची नदर घेतलो आनी समाजांत 'कोण तरी' जातलो. आपणाली देख, आपणाली भास, आपणाली संस्कृताय हांचे पसून पयस वतलो. आपणालें नीज होगडावन बसतलो. आनी देशभश्टे- डिनॅशनलायझ्ड - जावन पडटलो.

तुमची आवय-भास खंयचीय आसूं, तशी, राष्ट्रभाशेच्या पाटार तुमची खंयचीय भास बशिल्ली आसूं, 'इण्डिया दॅट इझ भारत' देशांत शेक चलता तो फकत इंग्रजी भाशेचो. प्रशासन चलता देशाचें इंग्रजींत. न्यायदान चलता इंग्रजींत. इंग्रजी जाणा जाल्ल्याकूच ह्या देशांत बऱ्यो नोकऱ्यो मेळटात.

पुणून, देशी भासांक तांच्या घरांतल्यानूय धांवडावन घालपाचो यत्न इंग्रजीन करचो? आनी तो आमी सोंसून घेवचो?

आयज गोंयांत सगळे कडेन इंग्रजी शाळा चलूंक लागल्यात. ह्या इंग्रजी शाळां मजगतीं कांय 'व्ही. आय. पी' शाळा आसात. समाजांत आमकां खाशेलो असो एक 'स्टेटस' आसा अशें मानपी आपणाल्या भुरग्यांक असल्या शाळांनी घालतात. असलेच एके शाळेंत म्हज्या एका इश्टाचो नातू शिकता. पयर हांव ह्या इश्टाक मेळूंक गेल्लों. ताणें म्हाका जेवपाक दवरलो. जिस्त दनपरां एकाक नातू शाळेंतल्यान परतलो. येतना 'टिचरी'ची एक चीट घेवन आयलो. चीट नातवाचे आवयक (म्हळ्यार, म्हज्या इश्टाचे सुनेक) आशिल्ली. इश्टान ती वाचली. चिटींत बरयल्लें, 'हो तुमचो भुरगो हरशीं हुशार. पुणून ताची इंग्रजी साप दुबळी. घरांत तुमी ताचे कडेन इंग्रजींत उलोवंक जाय. ते बगर ताची इंग्रजी निवळपाची ना.'

इश्टान ही चीट म्हाका वाचूंक दिली. हांवें तिडकून - थुमेकालशें - मनांतल्या मनांत देवाक म्हळें, 'देवा, कित्याक तुवें धाडल्यांत हीं भुरगीं असल्या आवय-बापायंगेर? ह्या आवय-बापायक भुरग्यांक कितें शिकोवचें तेंच समजना... घेवन वच परतीं तांकां जाता तितले बेगीन...'

शिक्षणाच्या मळार कितें चल्लां गोंयांत, समजना. राज्यकर्ते अन्नाडी. बरें आसा. कित्याक, अन्नाडी लोकांनीच तांकां वेंचून धाडल्यात. पुणून शिकोवपीय अन्नाडी आसचे हांगा? भोंवतणच्या वाटाराक फावता असलें शिक्षण दिवपा बदला शिक्षणाक फावता तसलो वाटार तयार करपाक मुखार सरचें हांणी?

एक खबर आयकल्ली -

असलीच एक इंग्रजी माध्यमांतल्यान शिकोवपी व्ही. आय. पी. शाळा. शाळेंत भितर भुरग्यांक 'ॲडमिशन' दिवपाचें काम चल्लां. भायर एक पाटी लायल्या - No compulsory donation म्हूण. शाळेंतल्यो टिचरी फ्रॉक, मिडी, स्कर्ट-ब्लावजांत हे वटेन ते वटेन बोवाळटात त्यो दिश्टी पडटात. आनी भुरग्यांच्यो आवयो भुरग्यांक घेवन रांगेंत उब्यो आसात त्यो दिश्टी पडटात. भितर भुरग्यांचो 'इंटरव्ह्यू' चल्ला. इंटरव्ह्यू घेवपी टिचरा फाटल्यान 'कॅशर' बसला. ताचे मुखार एक 'कॅशबॉक्स' आसा. ताचेर voluntary donation म्हूण एक 'स्लीप' मारल्या. शाळा चलयतल्यांनी पयलींच भुरग्यांच्या आवय-बापायक तोंडान सांगिल्लें, ॲडमिशन मेळोवपाक आठ हजार रुपये 'वॉलंटरी डोनेशन' दिवचें पडटलें. दिवपाची तयारी आशिल्ल्यांकूच इंटरव्ह्यूक आपयल्ले.

रांगेंत एकली हिन्दू बायल आपणाल्या भुरग्याक घेवन उबी आसा. अर्द वर जालें, अजून ती धाव्या नंबरार आसा. वर देड वर तरी लागतलें अशें शेजरा उबी आशिल्ले दुसरें एकलेक ती म्हणटा. इतल्यांत भुरग्याक ताचो आजो दिश्टी पडटा. तो 'दादा... दादा' म्हणटा आनी धांवत आज्या सरीं वता. आजो पुडवेंकार. पुडवें, सदरो, माथ्यार तोपी ह्या भेसांतलो. ताका थंय आयिल्लो पळोवन भुरग्याची आवय फणफणटा. 'हो आनी कित्याक आयलो हांगा, आमचें नाक कातरपाक?' मनांत म्हणटा आनी भुरग्याक मोटयान ऑर्डर सोडटा, 'कम हियर!' भुरगो इंग्रजींत जाप दिता, 'नो... नो... आय वीथ दादा आजोबा.' भोंवतणीं कोण उबीं आसात तीं आवय पळेता आनी भुरग्याक सांगता, 'ऑल रायट... बट स्पीक इन इंग्लीश.'

नातवाक पळोवन आज्याच्या काळजांत मोग भरून येता. तो नातवाक उखलता आनी ताची पापी घेता. आवय नर्व्हस जाता. आपणा फाटल्यान उबे आशिल्ले एके आवयक ती सांगता, ''मात्सो फोन करून येतां घरा... म्हजी सुवात मांबाळ. दुसरेंक कोणाक येवंक दिवं नाका'' आनी म्हऱ्यांतल्या एका पसऱ्यार वचून घोवाक फोन करता. येवन परती रांगेंत उबी रावता. थोड्या वेळान एक मारुती गाडी येवन शाळे मुखार उबी रावता. गाडयेंतल्यान तिचो घोव देंवता. सफारी सूट, ब्रीफकेस ह्या थाटांत पुता सरीं वता आनी बापायक (म्हळ्यार भुरग्याच्या आज्याक) म्हणटा, ''दादा, तूं कित्याक आयला हांगा? तूं घरा वच. आमी ॲडमिशन घेवन येतात.''

''ना ना, दादा आजोबा वचूं नाका'', भुरगो म्हणटा. बापूय ताचेर ताणशेता. ''कीप क्वायट... लॅट् हिम गो.'' आनी बापायक सांगता, ''दादा, तूं वच... तूं बेशटे त्रास घेवं नाका.''

> **एके वटेन आमी लोकांक देशप्रेम ना म्हूण शिणटात. आनी दुसरे वटेन देशा विशिंच्या आपलेपणाचे संबंदूच तोडून उडयतात. आमची राष्ट्रीय जिवितांतली ही विसंगती कोणाच्याच लक्षांत कशी येना, समजना. एका काळार फिरंग्यांनी आमच्या देशा कडले, भाशे कडले, संस्कृताये कडले आमचे संबंद तोडिल्ले आनी आमकां देशभ्रष्टे करून उडयल्ले.**

''हांवें सांगिल्लेंच दादाक ॲडमिशन घेवन येतात म्हूण... पुणून आयकूंक नाका? कानामनारूच घेतलें भुरग्याची आवय घोवाक म्हणटा.

आज्याक वायट दिसता. तो नातवा पळेता, पुताच्या तोंडा कडेन पळेता कांयच उलय नासतना नातवाच्या बोट आपलो हात सोडोवन मोन्यांनी चल लागता. ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हां लागतात. पुडव्यान तो तीं पुसता. दर कडेन पावतकूच पर्थून नातवाक पळेता. म तुरतुरीत चलूंक लागता.

येदोळ कितें जाल्लें तें आतां ल आयलां जातलें. मांवाक पळोवन सून 'न जाल्ली. हांगा रांगेंत उब्यो आसात सगळ्यो 'सोसायटी लेडीज्'. कांय दा आसात सुटांबुटांतले. तेवूय 'सायबां वर्गांतले. मदींच पुडवेंकार मांवाक आयि पळोवन सून काचाबूल जाता आनी '' दादाक पळोवन टिचरीन भुरग्याक ॲडम दिलें ना जाल्यार कितें जातलें?'' म्हणटा गांबटी भुरग्यांची शाळा न्हय. अशें म म्हणून ती घोवाक फोन करपाक गेल ''बेगीन यो... दादाक घरा धाडून दी जाल्यार भुरग्याक ॲडमिशन मेळपाची अ ना'' अशें सांगून आयिल्ली. आनी घोव ध आयिल्लो.

फुडें कितें जालें तें आमी पळेलें.

आज्याच्या दोळ्यां मुखा वयल फाटल्या कांय वर्सांचे देखाव येवन वतात. वर्सां पयलीं नातवाक घेवन सून 'मॅटि होमां'तल्यान घरा आयिल्ली. आज नातवाक अपुर्बायेन उखल्लेलो आनी ख्रोश भरिल्ल्या काळजान ताणें सुनेक भांगराची सरपळी दिल्ली. त्या दिसा सावन आज नातवाचो लळो. भायल्यान येनाफुडें स पाळण्या सरीं वचचें आनी नातवाचें त वेल्यान ल्हवू हात ओडून खुशालभरीत जा नातू दिमखुऱ्यांनी चलपाक लागलो तें

आजोय ताचे बरोबर दिमखुऱ्यांनी चलपाक लागलो. कांय म्हयन्यां उपरांत नातू लुटुलुटू करून चलपाक लागलो तेन्ना आजो 'ठुमक चलत रामचन्द्र, बाजत पैंजनियां' हें गीत म्हणपाक लागलो. एकाच खिणांत तागेल्यो ह्यो सगळ्यो खोशयो कोणें झोंबून व्हेल्ले वरी ताका दिसल्यो. नातवाक कोणें तरी झोंपय मारून मुखावयलो उबारून व्हेला अशें दिसलें. आज्याचें आनी नातवाचें नातें बापूय-पुताच्या नात्या परस दाट. तेंच आयज कोणे तोडून उडयल्ले वरी ताका दिसलें.

'आजोबा, वचूं नाका' अशें नातू म्हणटा आनी 'कीप क्वायट' म्हूण बापूय पुताक धेंगसून सांगता तेन्ना नातूय काचाबूल जाता. आज्या बांगडा सारिल्लें चार वर्सांचें पुराय भुरगेपण सोडून गेल्ले वरी ताका दिसता. तो एका 'पब्लिक स्कुला'मुखार आयज उबो आसा. ताच्या जिवितांत हे मुखार जायते संघर्श घेवपाचे आसात. तांकां तोंड दिवचे पयलींच ताचे कडल्यान ताचो मोग, ताचें भुरगेपण, ताची माती, मायभाशेची ताची धाल, ताचें कवच कोणतरी उबारून घेवन गेला अशें ताका दिसता. कितें जालां तें ताका सांगूंक येना, पुणून ताका आपूण नागवलां म्हणपाचें कळटा.

हो भुरगो आतां हे शाळेंत शिकतलो. कांय दिसांनी कॅट मॅट हॅट फॅट करपाक लागतलो. मागीर ल्हवू ल्हवू एक दीस इंग्रजींतल्यान उलोवपाक लागतलो. इंग्रजां सारको भेस करतलो. इंग्रजांची नदर घेतलो आनी समाजांत 'कोण तरी' जातलो. आपणाली देख, आपणाली भास, आपणाली संस्कृताय हांचे पसून पयस वतलो. आपणालें नीज होगडावन बसतलो. आनी देशभश्टो-डिनॅशनलायझड - जावन पडटलो. फुडाराचे बरे नागरीक जावचे म्हूण आमी भुरग्यांक शाळेंत घालतात. बऱ्या नागरिकांक लागून देश बरो जाता अशें सगळेच सांगतात. पुणून, शाळेंत पावल उपरना फुडें जांचो देशा कडलो संबंद तुट्टा,

> **केदी फटवणूक चल्ल्या ही आमची! स्वराज्य मेळून आतां पांच दसकां जालीं, हेच फटवणुकेंत आमी जियेत आयल्यात. दिशीं दिशीं ती दाटूय जायत चल्ल्या. कोण जागयतलो आमकां हे फटवणुकेंतल्यान? कसल्या घायांची आमी वाट पळेत बसल्यात? घाय पडले बगर आमी केन्ना जागे जावंक नात, जागे जावपाची आस्तूच ना.**

जे आपणाल्या देशा पसून, भाशे पसून, संस्कृताये पसून पयल्याच दिसा पयस वतात ते फाल्यां बरे नागरीक जातले अशी उमेद तरी कशी बाळगूं येता?

केदी फटवणूक चल्ल्या ही आमची! स्वराज्य मेळून आतां पांच दसकां जालीं, हेच फटवणुकेंत आमी जियेत आयल्यात. दिशीं दिशीं ती दाटूय जायत चल्ल्या. कोण जागयतलो आमकां हे फटवणुकेंतल्यान? कसल्या घायांची आमी वाट पळेत बसल्यात? घाय पडले बगर आमी केन्ना जागे जावंक नात, जागे जावपाची आस्तूच ना.

एके वटेन आमी लोकांक देशप्रेम ना म्हूण शिणटात. आनी दुसरे वाटेन देशा विशिंच्या आपलेपणाचे संबंदूच तोडून उडयतात. आमची राष्ट्रीय जिवितांतली ही विसंगती कोणाच्याच लक्षांत कशी येना, समजना. एका काळार फिरंग्यांनी आमच्या देशा कडले, भाशे कडले, संस्कृताये कडले आमचे संबंद तोडिल्ले आनी आमकां देशभश्टे करून उडयल्ले. आमी फिरंगीय जावंक पावले नात, देशीय उरले नात. तेंच काम आमी आतां स्वराज्यांत इंग्रजी माध्यमांतल्या शिक्षणान मुखार व्हरपाक लागल्यात. आवय बापायक 'तुमी भुरग्यां कडेन इंग्रजींतल्यान उलयात' म्हूण टिचरी सांगून धाडटात तेन्ना देशभश्टेपणाचे प्रक्रियेक गती दिवपाचेंच काम त्यो करतात.

हें तांकांय समजना, आमकांय समजना.

खरेपणानशीं 'मेरा देश महान' मुदलांत आशिल्लो. शिक्षणाच्या मळार तर तो 'अती-महान' जाला!

ह्याच देशांत गिजुभाई बधेका नांवाचो एक शिक्षण तज्ञ जावन गेल्लो. ताराबाई मोडक, अनुताई वाग ह्यो तागेल्यो दोगी शिष्या शेजारच्या महाराष्ट्रांतूच आयुष्यभर भुरग्यांच्या शिक्षणाचो वावर करीत आयिल्ल्यो. रवीन्द्रनाथ टागोरांनी शिक्षणाच्या मळार एक नवो प्रयोग शान्तिनिकेतनांत चलयल्लो. आनी बेसिक एड्युकेशन नांवाची एक क्रांतीकारी शिक्षण पद्धत सोदून गांधींनी ह्याच देशांत समाज बदलपाचो वावर सुरू केल्लो. त्याच देशांत 'भुरग्यां कडेन इंग्रजींत उलयात' म्हूण सांगून धाडपी नवे 'तज्ञ' निर्माण जावचे?

देश खंय आशिल्लो, खंय वचून पडला!

■ ■ ■

- रवीन्द्र केळेकार

(*घुस्पल्लें जानवें* ह्या पुस्तकांतल्यान...)

निरामय कामजिवन

डॉ. विठ्ठल प्रभू

जुवानपणांत प्रवेश, लग्ना पयलींचें मार्गदर्शन, लग्न, काम-क्रिया, लग्नाची अपुर्तताय, लिंगीक आगळीक, गुरवार जावप, संततनियमन, एड्स, गुप्तरोग, जननिवृत्ती .....



थोडेभितर- कुमारावस्थे पसून जाणटेपणा मेरेन कामजिवनाची सगली माहिती सोंपे, सरळ, सुबोध भाशेंत विवेचन करपी अशें 'निरामय कामजिवन' हें एकमेव संग्राह्य पुस्तक.

1/8 डेमी H/B
कागद 80 GSM
419 पानां

लेखक : डॉ. विठ्ठल प्रभू
अणकार : डॉ. नारायणराव प्रभू कोरगांवकार

स्वयंअनुदानीत मोल : ₹ 100/-

सहस्त्रावें प्रकाशन
राजहंस

Publisher :
RAJHAUNS VITARAN
1-Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji 403 001
Ph. : 2220320 / 2232177, Fax : +91832 245 5205
E-mail: rajhaunsvitaran@dataone.in www.rajhauns.com

सतीचे वाण

''गोंय मुक्ती संग्रामांत जो ल्हानसो वांटो घेवपाचें भाग्य म्हाका फाव जालें, जो अणभव म्हाका आयलो ताका लिखित रूप दिवप इतिहासाचे नदरेन गरजेचें आशिल्लें. हांवें विशेश त्याग करूंक नाशिल्लो, पूण हेरांनी तो निश्चितपणान केल्लो आनी तांचेकडेन म्हजो लागशिल्लो संबंद आयिल्लो. तांचीं नांवां तांच्या आंगावेल्या लक्तरांक लागून खबरापत्रांतल्यान झळकूंक नाशिल्लीं. अश्या सामान्य लोकांच्या असामान्य त्यागाचें दर्शन हांवें गोंयांत प्रवेश केल्ल्या खिणासावन, १९४९ सावन, म्हाका घडिल्लें. तांची नोंद खंयतरी जावप गरजेची आशिल्ली. तें कृतज्ञतायेचें द्योतक आशिल्लें. गोंय मुक्तीसंग्राम ज्या वसाहतवादी झुजाचो एक वांटो आशिल्लो त्या झुजाचे आनीक कांय पैलू पळोवपाची जी संद म्हाका पुर्तुगालाक मेळली तीय कथन करप गरजेचें आशिल्लें. पुर्तुगेज जनता आनी साम्राज्यवादी पुर्तुगेज सरकार हीं एकरूप नांत, भिन्न आसात, परस्परविरूध्द आसात. तांच्यात संघर्श चालू आसा. ह्या संघर्शाचो जो थोडोभोव परिचय म्हाका थंय जालो तो हेरांक करून दिवप म्हाका गरजेचें दिसलें. गोंय मुक्ती उप्रांत कैद्यांचे अदलाबदली विशींच्या निर्लज्ज इतिहासाची पुनरावृत्ती जावन आनीक कोणा भारतीयांचेर फुडाराक 'आपलो देश मुक्त जाल्लो आसतनाय' विजनवास काडपाची पाळी येवं नये हे पासत त्या इतिहासाविशीं हांवें बरोवप गरजेचें आशिल्लें.''

- मोहन रानडे

साडेतेरा वर्सांची पुर्तुगालच्या कशीयस बंदखणीत ख्यास्त भोगून क्रांतिवीर मोहन रानडे गोंयांत आयले तेन्ना हांव अकरा वर्सांचो. तेन्ना रानडे आमगेर येताले. ते भाईचे (नंदा) मित्र. आमच्या घरांतले शेणान सारयिल्ले जमनीर पाट दवरून त्या पाटार आसरमांडी घालून बसून, पेत्रोलाच्या दिव्याच्या उजवाडांत वाचन करताले. तांचे मुखार बसून हांवूय कितें तरी वाचतालों. ताणीं म्हाका खूब गजाली सांगल्यो. वेगवेगळ्या चळवळींत वांटेकार जावपाची मागीर जी खुमखुमी आयली ताचें फाटलें कारण हेंच आसूं येता.

आयज गोंय मुक्तीच्या भांगरा उत्सवी वर्सा हांव तांचें 'सतीचे वाण' अणकारीत करूंक बसतां तेन्ना म्हाका मोहनकाका म्हजेमुखार आसरमांडी घालून बसला आनी म्हजेकडेन उलयता असो भास जाता.

- दिलीप बोरकार

९. चोडणेच्या रेजिदोराचें गर्वहरण

रेजिदोर हो पुर्तुगेज राजसत्तेचो दरेक खेड्यांतलो मुखेल एजंट आसतालो. गावांभितर चलपी घडणुकांची तो पोलिसांक म्हायती दियी. रेजिदोर पदार आसुनय गोंयच्या स्वतंत्रतायेविशीं मोग आशिल्ले जायते लोक आशिल्ले. जायते रेजिदोर हे चळवळीत आमकां मजतय करताले. पूण खेड्यांतले जनतेचे नदरेन रेजिदोर हो पुर्तुगेज सत्तेचो थंयचो प्रतिनिधी आशिल्लो. चोडणेच्या रेजिदोराविशीं जायत्यो तक्रारी हे आदीं आमच्या वावुरप्यांनी केल्ल्यो. तो पोलिसांक वावुरप्यांचीं नांवां दिता आनी म्हायती दिता, अशें जायते जाणानी आमकां सांगिल्लें. पुरावेय आमकां मेळिल्ले. तेच दिसा सकाळीं हांव आनी दासू चोडणा गेल्ले. तेन्ना वाफोरांत तिकिटां दिवपी आमोणकारान सहजपणान खंय वतात काय विचारलें. ताची आमचेकडेन पोरणी वळख आशिल्ली आनी आमच्या उद्योगाची ताका कल्पनाय आशिल्ली. ताणें सट्ट करून 'चोडणेच्या रेजिदोरा पासून सांबाळात' असो मित्रत्वाचो सल्लो आमकां दिलो. ताची किर्त अशी जगजाहीर आशिल्ली. 'जयहिंद'ची घोशणा करप्यांक आनी तशे फलक लावप्यांक तो अर्थातूच दुस्मानावरी लेखी. ताचें रेडिओच्या सुट्या भागाचें पणजे दुकान आशिल्लें. तो मोठो कासादोर

म्हूणय प्रसिध्द आशिल्लो. थारावीक वेळार तो चोडणेच्यान पणजे येयी आनी सांजवेळार साडेचारांक सुमाराक येवपी वाफोरान परत वचऽ. ताचे सगळे हालचालीची म्हायती आमी करून घेतिल्ली. पुर्तुगेज राजसत्तेच्या ह्या प्रतिनिधीचो बरोच समाचार घेवपाचें आमी थारायलें. चोडणेच्या ह्या रेजिदोराकडेन आमी मोर्चो घुंवडायलो. बाळकृष्ण भोसले, शिवलींग भोसले, मनोहर पेडणेकार, दासू चाफाडकार आनी पोम्बुर्प्याचो आनीक एक वावुरपी अशे आमी पोम्बुर्प्याच्यान १८ जून ५५ दिसा चोडणा वचूंक भायर सरले. अर्थात आमी व्हडच्यान मदली न्हंय हुपून वचपा आशिल्ले. त्या व्हडेकाराक आमकां घेवन वचपाची विनवणी केली. पूण आमचे आदीं आयिल्ले प्रवासी थंय आशिल्ले आनी तांका पयलीं व्हरपाचो ताचो विचार आशिल्लो. देखून हांवें ताचेर पिस्तोल जोखलें. अर्थातूच तो थर्त भियेलो आनी ताणें आमकां मोन्यानी पलतडीं व्हेले.

पणजेच्यान येवपी वाफोराचो वेळ जाल्लो. हो वाफोर सरळ ध्क्याक लागनाशिल्लो. देगे सावन मातसो अंतरार रावऽ. थंयच्यान व्हडयेन लोक देगेर येताले. देगेलागसारच्या चौकालागीं आमी मातश्या आडसाक उबे रावले. थंय पुर्तुगेज पोलीस कोणूच नाशिल्लो. ते व्हडयेंतल्यान तो चोडणेचो उंच धिप्पाड असो रेजिदोर देंवलो आनी पुर्तुगेज सत्तेच्या कैफांत आपल्या घरा दिकेन चलूंक लागलो.

कांय पावलां तो मुखार येतांच ताचेर आमी पिस्तोल जोखलें. 'हात वयर कर!' आमी आड्डले तशे तो पुर्तुगेज साम्राज्यशायेचो प्रतिनिधी असो कितें भियेलो की, ताणें फकत हातूच वयर केले नांत तर रोखडीच 'जय हिन्द!' अशी घोशणाय ताणें दिली. 'व्हीव्ह इंदिअ...!' 'लाँग लिव्ह इंडिया' 'म्हाका मारूं नाकात.' अशें तो म्हणूंक लागलो. हो मनीस नामनेचो कासादोर आशिल्लो. पूण ताचेकडेन कसलेंच नैतीक धैर्य नाशिल्लें, अशें आमकां

'हात वयर कर!' आमी आड्डले तशे तो पुर्तुगेज साम्राज्यशायेचो प्रतिनिधी असो कितें भियेलो की, ताणें फकत हातूच वयर केले नांत तर रोखडीच 'जय हिन्द!' अशी घोशणाय ताणें दिली. 'व्हीव्ह इंदिअ...!' 'लाँग लिव्ह इंडिया' 'म्हाका मारूं नाकात.' अशें तो म्हणूंक लागलो.

दिसून आयलें. ताचे हात आमी सरळ फाटल्यान बांदले आनी तेच स्थितीत ताका ताच्या घरा व्हेलो. सदांच आमकां दम दिवपी, दहशत दाखोवपी रेजिदोराचे हात बांदिल्ले आसात आनी तेच स्थितीत तो रस्त्यावेल्यान चल्ला हें कांय गांवकारांनीं पळयलें. तांका मनांतल्यान खोस जाल्ली, ते पासत ते कांय ताका सोडोवंक मुखार आयले नांत. सांजवेळार पांचाक सुमार ही घडणूक घडली आनी सामके दिसाउजवाडा आमी ताका तेच स्थितीत ताच्या घरा व्हेलो. तो सामको भियेल्लो. घराच्या बल्कावांत ताची घरकान्न, ताची आवय अशें ताचें सगळें कुटूंब मुखार आयलें. ताणें तांका तुमी रडूं नाकात, भियेवं नाकात अशें पुर्तुगेजींत सांगलें. तुज्या घरांत आशिल्लीं सगळीं शस्त्रां पयलीं आमकां दी. ही मागणी आमी ताचे मुखार दवरली. ताणें पलतडीं दोन बंदुको, एक रायफल आनी एक पिस्तोल आसा अशें सांगलें आनी तितल्यांत पिस्तोल कोणाक तरी उसणें दिलां अशेंय सांगलें. त्या रेजिदोराचें पुराय कुटूंब अक्षरशा दिमी मारून आमचे सामकार उबें आशिल्लें. तुमकां जाय तें घरांतल्यान घेवन वचात. पूण आमकां मारूं नाकात ही एकूच विनवण केली. ते प्रमाण ताणीं बंदुको आनी हाडून दिलें. त्या रेजिदोराकडेन आमचे कांयजाण पाऱ्याक रावले आनी हेरानी घराची झडटी घेतली. लागींच दुडवांची प्रचंड तिजोरी आशिल्ली. लागीं अर्दवर आमी ताच्या घरांत आ पूण एका पैशाक आमी हात लावं दुडवांची लूट करपाचें अपवित्र काम चळवळींत आमी केन्नाच आपण नाशिल्लें. दुडवांची गरज आसुनय खंय हल्ल्यांत आमी केन्नाच दुडवांक लायलोना. अर्दवर आमी त्या आशिल्ले. आतां थंयच्यान सुरक्षीतपणी भोवच गरजेचें आशिल्लें. 'आता परतू कोणाचेंच नांव सांगचोना.' अशें स कळवळ्यान रेजिदोरान आमकां आस दिलें. ताच्या कुटुंबानूय तशी हमी दिली तांचेकडेन पळोवन आमी ताका जितो मा मुळावो बेत रद्द केलो. मेळिल्लीं शस्त्रां आमी थंयच्यान भायर सरले. पूण ताका तसोच सोडून वचपूय सारकें नाशिल्लें. त आमचे वांगडा घेतलो. ताचे हात आ बांदिल्लेच आशिल्ले. तेच स्थितीत ताका परतून आमचे वांगडा यो म्हूण फर्मा हे लोक आपल्याक वांगडा घेवन वचून जिवो मारतले ह्या भंयान तो स्वता सा थतर वितर जाल्लो तें जालेंच, ताच्या घर सगळींच रडपाक लागलीं. ताची घर वांगडा येवंक लागली, पूण ताका क अपाय करचेनांत अशें तिका आमी आश्व दिलें. ज्या व्हडच्यान आमी आयिल्ले व्हडयेंतल्यान आनी त्याच मार्गान अ परतुपाचे आशिल्ले. देखून पलतडी पाव त्या रेजिदोराक तशेंच सोडप हें अ सुरक्षिततायेचे नदरेन सारकें नाशिल्लें, आमचे मुखार चलतालो. ताचे फाटीक अ पिस्तोल जोखिल्लें आनी गांवांतल्यान मिरवणूक तशीच एका लागशिल्ल्या रस्त

आमी ते तडी मेरेन हाडली. जायत्या गांवकऱ्यांनी तें दृश्य पळयलें. थंयीय ताणें दिमी मारली आनी 'म्हाका सोडात हांव कोणाचेंच नांव सांगचोना' अशें पांया पडत पर्थून पर्थून सांगूंक लागलो. ते वेळार आमी ताचेर रायफल जोखली. आमी एकंदर आठ जाण आशिल्ले. आनी सगळ्यांकडेन बंदुको आशिल्ल्यो. तो व्हडेकार आजून थंयच आशिल्लो. आमी त्या व्हड्यांत बसले आनी रेजिदोरा सयत पलतडी आयले. थंय धा-बारा खेडवळ कामगार उबे आशिल्ले. आमी रेजिदोराक हात वयर करपाक लायिल्ल्याची आनी ताका बांदिल्ल्याची खबर व्हडेकारान तांका आदींच दिल्ली. आनी 'आमचेवेल्या अन्यायाचो सूड घेवपी अखेर कोण सापडलो, ह्या उन्मताक कोणेतरी ताळ्यार हाडलो' हाची खोस उक्तावपाक ते थंय उबे आशिल्ले. तो व्हडेकार आनी ते काश्टेकार सगळेजाण आमचेकडेन पळोवन मिश्किलपणान हांसताले. दुसरे तडीर लागींच ताची बायल येवन उबी आशिल्ली. आलतडच्यान ताणें आइडून आपले घरकान्नीक 'आसां जितों' अशें सांगलें. ताचे हे फजेतीची खोस आमी सगळे घेताले. पूण ती खोस भोगूंक तसो आमचेकडेन चड वेळ नाशिल्लो. ताका लागून ताका शेवटाक आमी सोडून दिलो आनी सावयचे दिकेन बचूंक पावलां उखल्लीं. पुर्तुगेज साम्राज्यशायेचो एक व्हड पाईक आमचे मुखार दिमी मारून बागवल्लो. हे घडणुकेन आमचो आत्मविस्वास अर्थातूच वाडिल्लो. दुसरे दिसा आमकां कळ्ळें की, ते तिजोरेंत उण्यात उणे वीस हजार रुपया तरी आशिल्ले. पणजेच्या ताच्या दुकानावेल्यान वचप सावधगिरी म्हूण आमी टाळपाक लागले. ती काळजी आमी घेताले. पूण आमचो कोणाचोच फोटो पोलिसांकडेन नाशिल्ल्यान हे घडणुके उप्रांत कोणाक अटक जाली ना.



शंभू पालकार
मोहन रानडे हांचो त्या काळचो सहकारी

थोड्याच दिसांनीं दुसऱ्या एका पुर्तुगेज धार्जिण्याचेर आमी आमचो मोर्चो वळयलो. १५ ऑगस्ट ५४ दिसा गोंय मुक्त जातलें हे अपेक्षेन सगळेजण भारतीय सैन्याची ते दिसा वाट पळयताले हें हावें आदीं सांगलांच. लोकांनी माराण घेवन दवरिल्ले. ते दिसा भारत सरकाराक गोंयचे मुक्तीची कळकळ दिसली ना आनी तो दीस तसोच गेलो. पूण सावयवेऱ्यां कोणेतरी धैर्य दाखयिल्लें आनी भारताचो तिरंगो ध्वज त्या गांवांतले पुर्तुगेज शाळेचेर फडकायल्लो. कुश्तॉदिव फेर्नान्दीश हाणें भारत द्वेशान तो बावटो थंयच्यान काडलो इतलेंच न्हय तर बेगोबेग रागान तो लासून उडयलो. भारतीय ध्वजाचो ताणें केल्लो अपमान पळोवन वेऱ्यांतले लोक सामके रागार जाले. तो राग आमच्या सगळ्यांच्या मनांत कायम आशिल्लो. एक दीस तरी ह्या भारतीय ध्वजाच्या अपमानाचो सूड आमी घेवं असो विस्वास आमकां आशिल्लो. ते घडणुके उप्रांत जर ताणें आपलें तोंड बंद दवरिल्लें, लोकांक धमकायत तो भोवंक नासलो, वाबुरप्यांचीं नांवां आनी म्हायती पुर्तुगेजांक दीत भोवंनासलो, सांगपाचें म्हळ्यार देशद्रोही कारवायो ताणें थांबयल्ल्यो जाल्यार ही सुडाची भावना कदाचीत उणी जावं येताली. पूण आपल्या वायट कर्तुबान ताणें ती कायम दवरली. बाळकृष्ण भोसले आनी हांव, मनोहर पेडणेकार, शिवलींग भोसले, कृष्णा पोम्बुर्पेकार हांचे सयत पोम्बुर्प्याच्यान सावयक आदले दिसा २१ जुलाय १९५५क आयले. दासू चाफाडकार आनी शंभू पालकार हे दोगूय सामके थळावे आशिल्ल्या कारणान मुद्दाम तांका ह्या हल्ल्यान आमी आस्पावन घेवंक नाशिल्लें. श्रीपाद साठे सावय शंभूच्या घरा आशिल्लो. ताका मात घेतलो. हे आदीं १९५५च्या जुलायात 'देशद्रोह्यांक ख्यास्त करा...' ह्या आशयाचीं आझाद गोमंतक दलाचीं पत्रकां गांवांत वाटिल्लीं. सावयवेरेंच्या ह्या रेजिदोराक 'किस्तुद' ह्या सोप्या नांवान सगळेच वळखत. किस्तुद सारख्या देश द्रोह्यांक ख्यास्त जावंकच जाय अशी मागणी ह्या पत्रकांतल्यान केल्ली. तो सावध आशिल्लो. पूण ताच्या दोंगीपणाक कोण फसप शक्यूच नाशिल्लें. आयज वेरें हांगा जी मराठी शाळा आसा थंयच पयलीं पुर्तुगेज शाळा आशिल्ली. हेरांक ते शाळेंत बसोवन बाळकृष्ण भोसले आनी हांव रातच्या णवांक सुमार किस्तुदच्या घराकडेन पावले. बाजारांत म्हाल्याचें एक दुकान उगडें आशिल्लें. ताचो मातसोसो उजवाड रस्त्यार आयिल्लो. आमच्या आंगार रेनकोट आनी पुराय लश्करी गणभेस आशिल्लो. 'ही कितें दुकानां उक्तीं दवरपाची वेळ?' अशें आमी ताका धपकायलें. तशें आमकां पुर्तुगेज पोलीस समजून ताणें भंयान रोखडेंच दुकान बंद केलें. पुराय वेरें गांव शांत न्हिदिल्लें. किस्तुदय निवांतपणान आपल्या घरा न्हिदिल्लो आसतलो! आमी ताच्या बल्कावांत पावले. थंय कोणतरी न्हिदिल्लो. 'किस्तुद आसा रे?' अशें ताका विचारतकच 'आसा सायब...'

अशी ताणें जाप दिली आनी मोन्यानी तो गेलो. ताकाय आमी पोलीस आसात अशें दिशिल्लें. आमचेकडेन जितलो उणो संपर्क येता तितलो बरो अशें ताणें येवजिल्लें आसत. आमी दारार मारलें. 'कोण आसा?' अशें अर्दकुटो झेमेल्लो, अर्दकुटो धपकावणेच्या सुरांत भितरल्यान प्रस्न आयलो. 'आमी रे' अशें ताका म्हळें. ताचें समादान जालें ना. पर्थून तोच प्रश्न. पर्थून तीच जाप. शेवटाक 'तुजी पुलीस रे, भियेता कित्याक?' अशे पोलीसेच्या थाटान वित्रागान आड्डतांच ताणें 'ताचे पुलिशें खातीर' दार उगडलें आनी आमकां सामकार पळोवन आपली चूक ध्यानांत येवन ताणें तें झप्प करून बंद करपाचो यत्न केलो. पूण तो साध्य जावचे आदींच आमच्या दोगांचे बंदुकेन ताच्या काळजाचो नेम घेतलो. बदमास खिणात जमनीर कोसळ्ळो. ताच्या घरांत आमी भितर सरले. 'पुर्तुगेज जाय मरे!' ह्या आमच्या प्रस्नाक 'नाका सायबा' अशी अपेक्षीत जाप ताच्या तरणेताट्या पोरा कडल्यान तत्काळ मेळ्ळी. आतां पुर्तुगेज कोणाकूच नाका आशिल्लो. पावलाकणकणी 'व्हिव्हा पोर्तुगाल' आनी 'व्हिव्हा सालाझार!' अशें बोंबलेच्या देंठा सावन आड्डेवपी पुर्तुगेज धार्जिणो 'जयहिंद!' कितले बेगीन म्हणटा हाचो अणभव चोडणा त्या रेजिदोराबाबतींत आयिल्लोच.

१९६९ वर्सा सुटून आयल्या उप्रांत मुक्त गोंयांत तर तो अणभव हांवें भरपूर घेतलो. किस्तुदच्या घरांत आशिल्ल्यो दोन बंदुको, कार्तोसी आनी एक एअरगन ताच्या पुतान आमचे सुवादीन केल्यो. शस्त्रां हातांत पडटकच आमी त्या घरांतल्यान भायर सरले आनी सरळ गांवचे शाळेंत गेले. आमची वाट पळयत थांबिल्ल्या आमच्या सहकाऱ्यांनी मदले वेळेंत पत्रकां वाटपाचें काम पुराय केल्लें. देखून आमी सगळे वळवय गेले. आनी थंयच्यान व्हड्यान आमोण्या पावले. उप्रांत दुसरेदिसा व्हड्यान पोम्बुर्प्यां गेले आनी जंगलांत गडप जाले. आमच्या 'राज्यात' आमी पावले. पारो बसोवन शांतपणान न्हिदले. दुसरे दिसा सांजची सावयवेरेंच्यान बातमी आयली. आजून धरपकड सुरू जावंक नाशिल्ली. पोलिसांच्यो गाडयो मात तेवटेन गेल्ल्यो. पोलिसांनी गांवांत तळ ठोकिल्लो आनी ते गांवांत दहशतीचें वातावरण निर्माण करताले. पणजेय ते घडणुकेविशीं उलयताले. ता. ३० जुलयक प्रत्यक्ष परिस्थिती पळोवची म्हूण हांव आनी बाळू साठे सावय गेले.आमचे पयकी अजून एकल्याकूय धरूंक नाशिल्लें. शंभूची आनी दासूची गाठ थंय पडली. थंयच्यान फोंड्यां वचून प्रमोद कोरडेक मेळ्ळे. बाळू साठेक थंयच दवरलो आनी हांव एकटोच पणजेवाटेन दिवचल आनी थंयच्यान शीम हुपून वझऱ्याक दलाच्या कार्यालयांत पावलों आनी जूना सावनचो अहवाल थंय सादर केलो.

बाणस्तार सावन सुरू जाल्ल्या आंदोलनाचें फळ आमचेकडल्या पंदरा शस्त्रांत साठयल्लें आशिल्लें. पुर्तुगेजां वांगडा झुजून आमी तीं मेळयल्लीं. सुर्वेक आमच्या हातांत फकत टोणके आशिल्ले. आतां पिस्तोलां, बंदुको आशिल्ल्या पंदरा जाणांचो एक मजबूत पंगड तयार जाल्लो. अणभवांतल्यान तावून-सुलाखून तो भायर सरिल्लो. प्रत्यक्ष झुंजीत वांटो घेवपी, आपल्या खोपींतल्यान, फाटक्या घरांतल्यान आमकां आसरो दिवपी स्वतच्या घासांतल्यान घास काडून तो आमकां दिवपी गोंयकार सामान्य दादले-बायलो आनी तेचप्रमाण सगळे धोके पत्करून आमकां रानावनांतल्यान वाट दाखोवन योग्य सुवातेर व्हरपी आमचे वाटाडे सहकारी ह्या सगळ्यांचोच ह्या श्रेयांत वांटो आशिल्लो. अटंग्या जंगलान रेवडायल्ल्या दोंगराळ रस्त्यांनी आनी चड करून पावसा-पाणयांतल्यान अश्या रस्त्यान प्रवास करप म्हळ्यार कितें दिव्य आसता हाची कल्पना त्या तसल्या वाठारांत प्रत्यक्ष रावप्यांकू शक्य आशिल्लें. सत्तरीत मोर्ले गडा चलप म्हळ्यार खंयचें दिव्य! चलतां असंख्य जळवो पांयाक लागऽ... त्यो पांयाक लागत हें कळय नाशिल्लें. ब आमी घाली. पूण त्यो जळवो अचळ मेंयांनी कश्यो आनी केन्ना शिरताल्यो आमकां पत्तोच लागनाशिल्लो. तांची शोशण करपाची पध्दतच सामकी अ आशिल्ली. पांयांक मात्सो थकवो अ म्हणटकच ह्यो जळवो पांयाक लाग म्हणपाचें आमकां कळटालें आनी हातान त्यो ओडून काडच्यो पडऽ. सो भिरांत आता खाशेली अशी उरूंक नाशि गडद काळखांतल्यान चलपाची आमकां बरीच जाल्ली. बॅटरेचो वापर अ केन्नाच करूंक मेळनाशिल्लो. पूण अ हुशार वाटाडे त्याय काळखांत नवी वाट लागशिल्ल्या रस्त्यान आमकां गांवांतल्यान दुसऱ्या गांवांत घेवन गोंयची अंतर्गत उदका येरादारी व्हड्यांत जाताली. भायल्या संवसाराक ती च दिसय नाशिल्ली. गोंयचे जायते गांव म जुवारेच्या कालव्यान जोडिल्ले आसात. लागून काळखांतल्यान व्हडें घेवन गेले विशेश कळनाशिल्लें. खेड्यांतले लोक मानान बेगीन न्हिदपी. साडे आठां सगळ्याक किर्रर्र शांतताय आसऽ आ हल्ल्यांक लागून पुर्तुगेजांचो पारो वाडि पूण तो वाडटो पारो आमची चळ आडावंक शकपी नाशिल्लो. स चळवळीचें पर्वच आतां सुरू जाल्लें. वेळार १५ ऑगस्ट ५५ हो गोंयचे मु आंदोलनांतलो ऐतिहासीक दीस उजवाड हजारांनी निशस्त्र सत्याग्रही गोंय मुक्त द खातीर गोंयचे शिमेर सज्ज जाले. स्वातंत्र्य स्वातंत्र्याखातीर आत्मबलिदानाचो साक्ष जावपाखातीर हांवें शिमेवटेनची वाट धर



– रमेश भगवंत वेळुस्कार
पाळें, शिरदोन – गोंय.
मो.: ९४२०६८८४६१

हुलप जाणिवांच्या जणांची

मनशाच्या सयभोंवतणी पातळलेल्या सगळ्या सैमीक घटकांचो ताच्या मनार परिणाम जाता. आनी मागीर तो ह्या घटकांचो आरपाव ताच्या मनांत खेळयत रावता. अकस्मात केन्ना तरी तांतल्यान नवे कोंब, नवे फागूर आयल्ले दिश्टी पडतात. पावस तर हांगा असो वेगवेगळ्या रुपांनी प्रकट जायत वयता.

पावसाचे दीस आयले की बाकीबाबांची याद जाता. तशी म्हाका आनी एका कवीची याद जाता ती म्हटल्यार कवीराज रोबीन्द्रनाथ टागोर हांची. कारण गोंयचें स्वातंत्र्य डिसेंबर १९६१त आयलें आनी ते उपरांत जेन्ना पणजे सिने नॅशनलांत गेल्लेकडेन बरेच पावट रोबीन्द्रनाथ टागोराची डोक्यमेंटरी दाखयताले. ती पळोवंक मेळटाली. तेन्ना आमचो रोबीबाबू पावसाचो पिसो आसलो ताचीं दृश्यां म्हाकां आजून याद जाता. ते वेळार तांची बांगली कविता आयकूं येताली पूण कळनासली. ह्या दोनूय कविंच्या कवितांनी पावसाचें एक व्हडलें दायज ताणी भारतीय मनशांक दिलां.

तशी आमच्या भुरगेपणांत आमकां पावसाची कविता म्हटल्यार 'यो रे यो रे पावसा, तुकां दितां पयसा.. पयसो जालो खोटो आनी पावस येयलो मोट्टो' ही कविता आयकूंक येताली. ही कविता जशी आयकल्ली आनी म्हटलेली ती अशीच आसली. पूण कालांतरान ही कविता म्हटल्यार कोंकणी कविता न्हय हें कळ्ळें. ही कविता ल्हवू ल्हवू आपल्या उतरांत बदल करीत गेली. हातलीं 'योरे योरे' हीं उतरां आपलें आंग लिपोवन 'ये रे ये रे... पावसा' अशीं जालीं. 'तुकां दितां पयसा' हीं उतरां 'तुला देतो पैसा' ह्या उतरांत परावर्तीत जालीं. कारण म्हजो संबंद मराठीकडें आयलो. गोंयांत कोंकणी कित्याक शिकयना. असो प्रस्न हांवें म्हजे शाळेंतल्या मास्तराक केला. पूण ताणें जाप मात फावो सारकी दिवंक नासली. हें गीत भुरग्यांच्या तोंडांतल्यान कैक वर्सां व्हांवत आसलें. तें मराठीचें आंग विसरून कोंकणी कशें जालां आसतलें काय? हांव हे संबंदिच्या चिंतपांत भितर सरलों. त्या चिंतपाची धार इतले गतींत व्हांवताली की म्हाकां कितें करचें तें कळना जालें.

मराठींतली ही कविता तशी कोणें बरयल्या तें मात म्हाकां मात्तूय खबर ना. दोनूय म्हाकां लोक कविताच शो दिसतात. पूण दोनूय बेमालूम आपापल्या भासांनी फीट आसात. पूण हे कविते वांगडा आनी एक दोन कविता आमी, आमच्या गांवांतल्या इश्टांवांगडा म्हणटालेत. त्यो अश्यो आसात.

दोंगरावेले काळंगिणी

पावस घाल गे सायबिणी
देवा सायबा पावस घाल
देवा सायबा पावस घाल

दुसरी कविता हेच धर्तेचेर पूण मात्शी वेगळी आसा.

दोंगरावेले घोटाणी
पावस घाल गे सायबिणी
देवा सायबा पावस घाल
देवा सायबा पावस घाल

म्हाका ह्यो दोनूय कविता आवडटाल्यो.

ह्या दिसांनी म्हटल्यार पावस पडचे पयलीं गांवांतले कांय भुरगे माथ्यार फातर घेताले. ताचेर पिंजर फुलां बी घालताले आनी दोग-तीगजाण एकठांय जावन गांवांतल्यान, गांवांतल्या बांदाचेर बी हीं गाणीं म्हणत पावस मागत भोंवताले. पावसाक उशीर जाल्ल्यान बांयो, तळीं, झरी आटलेल्यान उदकाची चणचण जाणवताली. मागीर माथ्यार फातर येतालो. ताचेर फुलां, पिंजर, माळो चडटाल्यो आनी हे भुरगे चडशे काश्टेंत आसताले. सगळें बाकीचें आंग उक्तें. तशें पळोवंक गेल्यार गांवांत चडशा लोकांच्या आंगार कपडे आसच नासले. गांवांतलो चडसो लोक शेतांनीं आनी दोंगरांचेर काम करपी. तांच्या आंगार लांब शेवाची काश्टी. आंगार एक बानयन. चड करून खांदार उडयल्लें. काम करतना 'तें' आंगाक चिपचिपता म्हण घालप ना. कामा उपरांतूय आंगाक तें घातल्यार येतल्या घामाक लागून घालप नाका दिसता. म्हण्टकूच घरा पावल्या उपरांत ते सांजवेळचे न्हाल्या धुल्या उपरांत हें बानयन घालताले. तर भुरग्यांच्याय आंगार हें बानयन दिसतालें आनी चडशें तें नासतालें. पूण हें ताणी गितां म्हणत गांवांतल्यान भोंवपाचें मोबायल चित्र म्हाकां आजून आवडटा. तें कित्याक म्हाकां चड आवडटा तें खबर ना. आसत घडये म्हाका उत्काची, पावसाची चड ओड वा अपुरबाय ते घटणेतले रंगसंगतिची. पूण तें आवडटालें इतलें खरें.

आयज जेन्ना हांव ते घटणेचो विचार परत करतां तेन्ना म्हाका त्या कवितांतल्या 'दोंगोर' ह्या उतराचें थंय आसप खूब म्हत्वपूर्ण दिसता. दोंगोर ह्या उतरांतल्यान आमचे हे पुर्वज लोक दोंगरांचेर रावपी आसूंक जाय असो अंदाज सामको उक्तो आसलेलेवरी दिसता. हे कवितेंत जो विशय आयला, ज्यो वस्तू आयल्यात, जो आदर व्यक्त जाला त्या सगळ्यांत तांच्या फाटीं आसलेलें चित्रूय आमकां दिसपाक लागता. आनी ताणीं माथ्यार माल्लेल्या फातरांतल्यानूय तें आनी इतलें चड पूर्णतायेक पावल्लें दिसता. कारण फातर हीच ह्या दोंगराची प्रतिकृती. त्या काळच्या समाज मनांत आसलेल्या दोंगरांविशींची आति ह्या दोंगराचेर आसलेलो विस्वास आनी भावार्त आनी आदर हें स हे रचणेंतल्यान आनी घटणेंतल्यान एकामेकाक पूरक जावन येत पूर्ण जावन येता.

सृजनात्मकतेचो बंध म्हणून जेन्ना आमी हे घटणेचो अभ्यास क तेन्ना तर काव्य प्रकाराक भयंकर पोन्नो अशेंच नामकरण करचें प भासशास्त्राच्या आदारांत हाचो काळ सोदून काडप गरजेचें आ सवन घटनेन काव्या वांगडा नाट्यूय आसा आनी कर्मकांडूय आसा. जिविताच्या जाणिवांतल्यान उलगडून आयल्लें क काव्यांतल्यान आयल्लें कर्मकांड आनी कर्मकांडांतल्यान उपरा नाट्य असो हाचो रुपकार मनाक होलमता आनी आमच्या गों कोंकणी समाजमनाचो अविश्कार मनाक भावत वयता.

ह्या पावसाच्या कावितांतलो फातर ही जशी दोंगराची प्रति तशीच ती मातयेची, हे धर्तरीचीय प्रतिकृती. लोककाव्यांत हे जम रुपां अशींच गडदसाणेन आयल्लीं आमकां दिसतात. सांतेर हेंय ध रूप. सांतेर म्हटल्यार रोयण. एक दीस मनशाक धर्तरीचेर मा दोंगोर वयर सरिल्ल्याचो पळोवंक मेळटा. लोकमानसान हे जमन उत्क्रांत रुपाक देवाचो भौमान दिलो, आनी सांतेर हें दैवत सम घोळूंक लागलें. ते सांतेरेक ह्या मनशाक कशी सुंदर तरेन केळयल पळयात.

सांतेर माये
तुकां बल्येंव जावं
तुजे सावुले आमी
आल्यंव गे
तुजे सावुले आमी
आल्यंव गे

धर्तरी मायेन आपल्या उतरांत म्हटल्यार आपल्या म केळोवपाची ही पध्दत हे कवितेच्या माध्यमांतल्यान आमकां दिस आनी हें केळोवप एका मनशाचें न्हय, तर तें लोकमानसाचें. एके हो लोकमानसाचो इतिहास म्हटल्यारूय जाता. लोककविता माध्यमांतल्यान हो असलो बरोचसो इतिहास पळोवपाक गावता. अ होच इतिहास खूब प्रामाणीक आसता अशें ह्या विशयांतले वि सांगतात. कारण लोककवितांतल्यान वा लोककथांतल्यान सां फकत लेखक नासता तर तो कलाकार आसता. सृजनकर्तो आ म्हणूनच ताचें मोलूय चड आसता. इतिहास बरोवन दवरपी इतिहास पूर्वग्रह दुशीत आसपाची शक्यताय आसता.

लोकवेदांतल्यान स्फूर्त घेवन आधुनिक जायत वयतलो मनीस आपुणूय रचना करूंक लागलो. म्हाकां जायते पावट टागोर याद जाता ताच्या पावसावयल्या मोगाखातीर. टागोर पावसाकडे कशे तरेन आनी कितले लक्तुबायेन उलयतात तें पळयात,

आशाड, खंयच्यान रे आयज तुवें आयकलो हो साद
मळा तोंकाक सावूल भेसांत मात्सो थारून कर संवाद
पळय जैतध्वज गगनी कशे फडफडट्टा
उदेंतेच्यान अस्तंतेक कोण पळे उड उडटा
घुरू घुरू भेरी वाजयत पळय करी निनाद
आशाड, खंयच्यान रे आयज तुवें आयकलो हो साद

पावसाकडे गुरूदेव टागोर उलयतात. तसो पावस केन्ना केन्ना जेश्टांतूच सुरू जाता आनी आशाडांत तो सामको तेंगशेर आसता. कविराजा आशाडाकडें संवाद करता. तो ताका म्हणटा की ताणें हो साद खंयच्यान आयकला. मळाच्या अंतीम तोंकाक सांवळ्या भेसात मात्सो उलोवंक थार म्हण तो ताचेकडें मागता. पावशी दिसांच्या कुपांचें वर्णन वाचून मन आनंदीत जाता.

पळय तुजे जैत-ध्वज गगनीं कशे फडफडट्टा
उदेंतेच्यान अस्तंतेक कोण पळे उडउडटा
घुरू घुरू भेरी वाजयत पळय कशे निनाद

सहज, सोप्या भाशेंत मनाक उल्हासीत करून उडोवपी ही उतरावळ कविराज टागोरांसारखो अणभवान थपथपलेलोच कवी करूंक शकता. उतरांच्या अंतरांत प्राण भरपाचें काम आनी उतरांक आकार दिवपाचें मर्मय कविराजांक आपसूक सादता. ह्या वावरांत तांका बंगाली लोकवेदीय कवितेन खूब आदार केला अशें जाणवता. तांच्या ह्या उतरांत बादलांची डुगडुगीय अचळय वाजतना आयकूंक येता. त्या सगळ्यांच्या मेळांतल्यान एक अद्‌भूत वातावरण जरूर जाता.

मनशाच्या सयभोंवतणी पातळलेल्या सगळ्या सैमीक घटकांचो ताच्या मनार परिणाम जाता. आनी मागीर तो ह्या घटकांचो आस्पाव ताच्या मनांत खेळयत रावता. अकस्मात केन्ना तरी तांतल्यान नवे कोंब, नवे फागूर आयल्ले दिश्टी पडटात. पावस तर हांगा असो वेगवेगळ्या रुपांनी प्रकट जायत वयता.

पावसावयली ही कविता पावसाच्या एका अनाकलनीय रुपांतल्यान आमचे मुखार साकार जायत येता आनी मागीर हांव त्या शब्दांक धरचो यत्न करतां.

थेंबांचे अंबे गे
कर मनां तुडूंब
जाका लागून
नासून वचत
मनातलो दंभ
मनातलो दंभ

थेंबांचे अंबाबाये
दिगे तुजी सासाय
बाये तुजी सासाय

थेंबांचे अंबे
आतां आपय गे रंभे
आतां आपय गे रंभे
वेड्या तोड्यांचीं
पावलां आतां
नाचूं गे तुडूंबे
नाचूं गे तुडूंबे

अंबे तुजी
घाल गे अशी
सगळ्यांचेर सासाय
सगळ्यांचेर सासाय
आनी सर्वयांतुल्यान
उडून वचूं पिसाय
उडून वचूं पिसाय

अंबे गे अंबे...
अंबे गाये अंबे...
अंबे माये अंबे...
थेंबांचे अंबे ...
थेंबांचे अंबे ...

उतरां आमकां रावनात. तीं येत रावतात. एक काळ आसलो तेन्ना म्हाकां दिसतालें की हांव उलयतां. पूण आतां तशें दिसना. आतां दिसता की उतरां तयार जातात. आनी तीं म्हज्या तोंडांतल्यान येतात. हांव निमित्ताक कारण. तीं आपलो वावर करता. म्हाकां मात वगीच दिसता की हांव उलयतां म्हण. पूण ह्या सैम निर्मित उतरांचो स्पर्श म्हाकां जाता हें नवल कशें दिसता. पावसांत ही नवलाय प्रकर्षान जाणवता. कितेंय आसूं जाणिवांच्या ह्या जणाच्या हुलपांत जळून वचपाक मजा येता इतलें मात खरें.

■ ■ ■

भारतीय भाषांमधील कोषविश्वातील एक अपूर्व निर्मिती

एकखंडी
गडगंज
ग्रंथराज



अस्तित्वाचा लढा देत
श्रीमंत शब्दसामर्थ्यातून
समृध्दीकडे वाटचाल करीत
आपल्या भाषाभगिनीची
उत्तुंग भरारी...

राजहंस
कोंकणी
सचित्र
अश्टांगी
अभ्यासकोश

रचनाकार - दामोदर केशव घाणेकर
तांत्रिक भार - सुरेश जयवंत बोरकर

वैशिष्ट्ये :

- आवश्यक तिथे उच्चार
- उलट अर्थाचे शब्द
- व्याख्या आणि वापर
- पोर्तुगीज आणि इंग्रजी शब्दांची मूळ रूपे
- क्रियापदांचे धातू
- नकारार्थी क्रियापदांची मूळ रूपे
- नामांची सामान्य रूपे
- बहुवचने

- *पन्नास हजारांहून अधिक शब्द*
- *सातशे पन्नासांपेक्षा जास्त रेखाटने*

आकार : A5
पृष्ठे : 2200
कागद :पांढरा 80 gsm
सुबक शिलाई बांधणी
ग्रंथालयांसाठी मूल्य रु. 3300/-
व्यक्तिगत ग्राहकांसाठी
स्वयंअनुदानित मूल्य रु. 1200/-

ट.ख.नि.

राजहंस

राजहंस वितरण
1 - मीनाक्षी बिल्डिंग, डॉ. व्होल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग, पणजी, गोवा 403001
Ph.:91 - 0832 2220320 / 2232177 email : rajhaunsvitaran@dataone.in



पयलो विद्रोही

बसला थंयच पृषघ्नाक झेमेची लकण येवंक लागली. तो केन्ना न्हिदलो ताकाच कळलें ना. अर्दे रातीर गोरवांच्या हामेरींच्या आवाजान ताका जाग आयली. गूप्प काळोख आसलो. पावस आजूनय रकतालो. अचानक ताका कांयच समजना जालें. काळखांत दोळे ताणून पळोवपाचो यत्न केलो, तेन्ना एके गर्जनेन तो अजापलो.

मळब काळ्या कुपांनी भरिल्लें. दनपरां उपरांत रोकडोच काळोख फांकारलेलो, पूण पावस पड नासलो. सूर्यदर्शन जायते दीस जावंक नासलें. रानां पाचवींचार दिसतालीं. कांय दिसांसावन पडपी घसघशीत पावस कांय खिणां पयलींच थांबिल्लो.

कुमार पृषघ्न आपल्या आश्रमाकडल्यान पयस एके दोंगुल्लेचे तेंगशेर बसून सृष्टीच्या ह्या अप्रूप देखाव्याचो आनंद भोगतालो. तेन्नाच खंयच्यानतरी एक फुलांतुरो येवन कुमाराच्या पावलांकडेन पडलो. चकीत जावन तो उखलीत ताणें चोयवशीं नदर मारली, पूण कोणूच खंय दिसनासलो. अशें जायते फावटीं घडटालें जेन्ना तो सांजेवेळार एकटोशीं सृष्टीच्या गोफांत बसतालो, खंयच्यानतरी फुलांतुरो येवन ताचे कुडीक स्पर्श करतालो. जायते यत्न करूनय तो जाणूंक शकलो ना कीं फुलांतुरो खंयच्यान, कोण उडयता म्हूण. पूण आयज हें गुपीत आपशींच उगतें जालें.

कांय खिणां उपरांत एके बायलेच्या आवाजान किळांच आयकूंक आयली. कुमार तेच दिकेन नेटान धांवलो. कांय पावलां पयस एक बायल मनीस जमनीर दिश्टी पडली. पिडेक लागून धडपड आनी परवप नीट आयकूंक येतालें.

"कोण तूं? कितें जालें?"

लागीं वचून कुमार पृषघ्नान म्होवाळ आवाजान विचारलें. काळखाक लागून मुखामळ नीट दिश्टी पड नासलें.

प्रस्न आयकून, आपली दूख विसरून ती सट्ट करून उबी जाली. हात जोडून तकली सकयल घालून.

"कोण तूं? हांगा ह्या गूप्प काळखांत कितें करताली?"

पूण जाप दिवचे बदला ते बायलमनशेन फाट केली आनी तोंड लिपयलें. पूण कारण सांगलें ना.

"हें तुवेंच उडयल्लें?" कुमारान आपल्या हातांतलो तुरो तिका दाखयत विचारलें.

तिणें आपलें मुखामळ कुमारावाटेन घुंवडायलें आनी तेन्ना भयंकर गडगडो जावन मळबांत वीज लकलकली, जाका लागून पुराय रानांत खीणभर उजवाड जालो. कुमार पृषघ्नान तरणाटेक खिणां भितर वळखली.

"तूं...तूंच म्हजेर फुलांतुरो उडयताली गूर्णवी." कुमाराच्या सुरांत अजाप आसलें.

''हय... पूण माफ करात, आतां अशें जावचें ना.''

''पूण कित्याक? कितें सहज म्हणून? हाचो परिणाम खबर आसा?''

''गुन्यांव माफ करात. कुमार, आतां अशें जावंचें ना.'' तिणें परतून हात जोडून तकली बागोवन जाप दिली.

तेन्नाच मळबांत परतून वीज लकलकली. कुमारान आतां पळयलें, गूर्णवी घामान भरल्या आनी अशक्तपणान कांपता. केसांतली आटी आनी हातांतले गजरे त्याच फुलांचे आसले. जीं तिणें फुलांतुन्याच्या रुपान कुमाराक ओंपिल्लीं. भंय आनी रडपाच्या हिमट्यांनी तिची पुराय कूड थरथरताली. रानांत केन्ना केन्ना तांची भेट जाताली देखून अनवळखी नासलीं.

''तें बरें आसा, कीं आतां अशें जावचें ना, पूण आतां मेरेन कित्या लागून जातालें, तें तरी सांग.''

पृषघ्नच्या गोऱ्या मुखामळार एक गुपीत शें हांशें फांकारलें, जें काळखाक लागून गूर्णवी पळोवंक पावली ना.

''माफ करात, हांव...''

''कितें तूं म्हज्या मोगान पडलां? कितें हें सगळें मोगाचे भिरके भितर घडटालें?'' म्होवाळ सुरान कुमारान विचारलें.

''हय...ना...ना...'' ती गडबडून उलयली.

तेन्नाच गडगड्या वांगडाच वीज परतून चमकली. कुमारान पळयलें, गूर्णवीचे दोनूय हात रक्तबंबाळ जाल्ले. हात जोडून उबी आशिल्ल्यान रगत व्हावून कोपरा मेरेन आयिल्लें.

''तुकां घावो जाला?'' म्हणीत पृषघ्नान तिचे दोनूय हात कुशीक करून तळवे पळोवचो यत्न केलो.

''म्हाका आफडू नाकात कुमार, हांव....हांव शूद्र चली जावन आसां.'' अशें म्हणीत तिणें फाटीं सरपाचो यत्न केलो.

''हो वेळ असल्या गजालींचो न्हय, तुकां आदाराची गरज आसा, वखदाची गरज आसा. चल, तुकां तुज्या घरा मेरेन पावयतां.''

''हांव ल्हव ल्हव वयतां. पांयांत मोटो काटो घुसला आनी मुरगळलाय बी. ल्हव ल्हव वचचें पडटलें. कोणेंय तुमकां म्हाका आफुडललें पळयलें जाल्यार आकांत जातलो. तुमचेर संकट उबें रावतलें. तुमी चलात.'' गूर्णवीन विनयलें.

''ओह'' पृषघ्नान म्हणलें, ''तें सगळें सोड, म्हज्या कुशीक यो.'' म्हणीत पृषघ्नान तिका उबारून आपल्या घटमूट भुजांचेर घेतली आनी चलूंक लागलो. गूर्णवीन विशेश विरोधूय केलो ना. तिच्या घराकडेन पावतां-पावतां दोगांय पावसान चीप्प भिजिल्लीं. खोप खूब व्हड आसली. गूर्णवी दुसरे वटेन वस्त्र बदलपाक गेली. कुमार पृषघ्न परतून भायर येवन उबो रावलो.

''येयात, कुमार'' गूर्णवीन कांय वेळा उपरांत भितरल्यान म्हटलें. तिणें कसो-बसो उजो पेटयल्लो.

खोपींत भितर सरून कुमारान उज्याच्या मंद उजवाडांत गुर्णवीचें सौंदर्य नियाळ्ळें आनी अचंबीत जालो. भरिल्ली कूड, सकयल भेंडा मेरेन पावपी केंस, मोटे-मोटे काळे दोळे आनी राजम्हालाच्या कळसावरी मिरोवपी वक्षप्रदेश. कुमार पृषघ्न तल्लीन जावन तिका पळयतच रावलो.

गूर्णवी शूद्र जातींतली तरनाटी आसली. सृश्टीन तिका घडोवपांत-सजोवपांत कांयच उणें दवरूंक नासलें, सृश्टीची ती अवर्णनीय देणगी आसली. त्या दिसा उपरांत कुमार पृषघ्न तिका सदांच मेळपाक लागलो.

''अशे तरेन मेळपाचो परिणाम खबर आसा कुमार?'' एके सांजवेळार तिणें कुमार पृषघ्नाक विचारलें.

''तूं भियेताय काय कितें?'' कुमारान गूर्णवीच्या खोल अशा दोळ्यांनी पळयत विचारलें.

''म्हाका कसलोच भंय ना.'' तिणें

''चडच जाल्यार कितें जातलें.. शेवटूच मू? तुमी फावो जाल्ल्यान जीण मेळटली ती म्हाका कितल्य जल्मांखातीर पुरो. ना म्हाका भाव-भय आवय-बापूय सगळें कितें ल्हान अ वगडावन बसलां. ह्या रानानूच म्हाका व्हडलें केलां. म्हाका फकत तुमची क दिसता.''

तिच्या मुखामळार खर दुखाच्यो काळजीच्यो यातना दिश्टी पडल्यो.

''अशें कित्याक येवजिता, गू जिवितांत सदांच आशावादी रावपाक श

''आमची परिस्थितीच अशी आस जी जातीवेवस्था आसा, आमच्या ऋशी कांय विचार करूनच केल्ली आस आमच्या मिलनाक केन्नाच मान्यताय मे ना. हांव... हांव... तुमकां केन्नाच आप पावची ना.'' अशें म्हणीत गूर्णवीचो अ जड जालो आनी मोटचा-मो दोळ्यांतल्यान दुकां गळूंक लागलीं.

''अशें जावंचें ना, तुज्या मोगाच म्हणून हांव तुकां म्हजे वांगडाच प्रति करतलों. तूं विस्वास दवर.'' पृषघ्नान जावन सांगलें.

''म्हजे खातीर हीच भेट पुरो की म्हजो मोग कबूल केलो. रूशीमूनीनी स्थ केल्ले हे खर नेम आनी रिती अश्यो समा न्हय कुमार. रिती आनी नेमांच्या फात तकली आपटून मरणा मेरेन जैतवंत ज शकची नात. तुमी तुमचें शिकप पुराय राजगृहांत परते वतले आनी गूर्णवी स गूर्णवी म्हणूनच रावतली.''

''ना अशें जावचें ना. हांव शक्तीच्या ह्या सनातनी वेवस्थेक बदलून उडयतलो

''म्हाका खबर आसा कुमार, सारको क्षत्रिय वीर पयस-पयस मेरेन दुसर तुमचे तलवारीचो नेट हांवें पळयला. तु धोणवाचो गडगडूय हांवें आयकला

तुमचे तीर तुमच्या आज्ञेभायर केन्नाच वचनात. तुमी फकत तुमीच जावन आसात. पूण शस्त्रांनी केन्ना समाज बदलना. म्हाका दिसता आमकां दोगांकूय एकामेका मेरेन पावपाक हजारांनी वर्सां लागतलीं.''

''तुजो म्हजेर विस्वास ना वा म्हाका तूं आव्हान करताय?'' गंभीर जावन पृषघ्नान विचारलें,

''हांव एक अबला आनी तातूंतय शूद्र, हांव कितें तुमकां आव्हान करतलें? पूण हांवें जें कितें सांगलां तें वास्तव जावन आसा. मळबांत चकचकपी ह्या चंद्रीमाभशेन.'' अशें म्हणटना तिणें मळबांत उदेल्ल्या चंद्रिमाकडेन बोट केलें.

''ना गुर्णवी तुवें पुषघ्नाचो फकत मोग केला, ताची शक्त आनी भायलें रूप पळयलां. ताच्या अंतर्मनाची तुका वळख ना. यो तुका विस्वास दितां.'' अशें म्हणून पृषघ्नान तिचो हात धरलो आनी धपक्यान तिका उखलून आपल्या दावे वटेन उंचवट्यार उबी दवरली.

''आयकात धाय दिकांनो, दिगपाल आनी पंचमहाभुतानो, सगळेजाण म्हजें सांगणें आयकात. हांव वैवस्वत मनूचो पूत, कुमार पृषघ्न. आयच्यान ह्या खिणा पासून हे गुर्णवीक, जी शूद्र जावन आसा, तिका हे शूद्रताये पासून पयस करतां. हिचें नांव आतांच्यान गूणमाला आसतलें.'' कुमाराची ही घोशणा रातच्या काळखांत गाजली.

पूण ही घोशणा गुणमालेक प्रसन्न करूंक शकली ना. ती वसिश्ठच्या भंयान आतंकीत जावन तटास नदरेन पृषघ्नाक पळयत उरली.

''चल, गूणमाला तुकां तुज्या घरा सोडटां.'' कुमारान तिच्या भेंडार आपलो हात धरून म्हटलें. ''आतां तूं निश्चीत आनी प्रसन्न राव. म्हजें शिकप पुराय जातकच आमी लग्न करया. तूं राजराणी जातली.'' पृषघ्नान हात तिच्या पोल्यार थापडायत म्हटलें.

त्या मृगनयनीचीं दुकां गळ्ळीं.

कुमार पृष्घ्नाची घोशणां वाऱ्या वांगडा गाजत ऋशी वसिष्ठा मेरेन पावली. तो आकांतलो. वसिष्ठाक गूणमालेच्या हुशारबुध्दी आनी सोबीतकायेच्या जादवाची कल्पना आसली. ताका दिसलें जमीन पांयां पोंदच्यान सरकता आनी तो पाताळांत पडटा सो. खंयच आदार मेळना.

अचकीत सावध जावन बसलो, ''कितें तरी करचेंच पडटलें. हो तरणाटो पुराय सामाजीक वेवस्था नश्ट करतलो.''

तो विचार करपाक लागलो, 'घडये पृषघ्न तिचेकडेन लग्नूय करीत. तशें जाल्यार ब्राम्हणांचें समाजावयलें वर्चस्व काबार जातलें कारण वर्चस्व दवरपाची सगळी शक्त क्षत्रियांच्या जिवारूच पातयेवन आसा. शूद्र बायलो क्षत्रियांच्या काळजांतल्या मार्गावयल्यान म्हालांनी भितर सरपाक लागल्यो जाल्यार राज आनी राजकारण दोनूय ब्राम्हणांच्या हातांतल्यान वयतलें आनी ज्या दिसा अशें जातलें, हांचे सगळे घाव जिते जातले... आनी मागीर... मागीर....'

भिरांकूळ बदलाच्या विचारान तो कांपपाक लागलो.

सकाळींफुडें हवन बी जातकूच, ऋशी वसिश्ठान सगळ्या शिश्यांचे हजेरींत पृषघ्नाक खर उतरांनी विचारलें, ''तुवें काल रातीं कसलो अनर्थ केलो खबर आसा?''

''कसलो अनर्थ केला?'' शांत सुरान ताणें परतो प्रस्न केलो.

''बाबडो जावं नाका कुमार, तुवें एके शुद्र चलयेक तिच्या शुद्रतायेपासून पयस केली. तूं पातकी जालो.''

''हांव पातकी जालों, पूण कसो? एके अस्तुरेक शुद्रतायेच्या गुलामपणांतल्यान मुक्त केल्ल्यान हांव पातकी कसो जालों, गुरूदेव?'' पृषघ्नाचो सूर सामको नम्र आसलो.

''तूं अशें करपाक शकना. अशें केल्ल्यान एक रीत जावन पडटली जी आमच्या सामाजीक वेवस्थेची मोडतोड करतली.'' वसिश्ठ खर सुरान उलयलो.

''ही कसली सामाजीक वेवस्था गुरूदेव, जातूंत मनीसूच मनशाक नीच नदरेन पळयता. ताचें शोशण आनी तिरस्कार करता. असली वेवस्था बदलूंकच जाय.''

''कसलोच बदल करपाचो तुकां अधिकार ना. तें कार्य आमी ऋशीनीं मान्यताय दिलेबगर जावंक शकना. तूं कोण समजताय स्वताक?''

गुरू वसिश्ठ तिडकलो.

''माफ करात, गुरूदेव हांवें ह्या कार्याक सुरवात केल्या. जशेपरी सृश्टी आपल्या बदलाखातीर कोणाची बांदलली ना तेचपरी हांवेंय सुरवात केल्या.'' पृषघ्न उलयलो.

''तूं सीमेभायर वयताय.'' तिडकीन वसिश्ठ उलयलो.

''आयज तुवें ते शूद्र चलयेक मुक्त करपाची गजाल केली आनी फाल्यां तिचे कडेन लग्नय जातलों.''

''हय गुरूदेव, शिकप पुराय जालें काय हांव तिका म्हजी अर्धांगी करतलों.''

पृषघ्नान शांत रावून जाप दिली.

वसिश्ठाचो दुबाव खरो थारलो.

'फाल्यां तर हो समेस्त शूद्र जातीक सवर्ण जाती मदीं हाडून दवरतलो. तिडकून उपकारपाचें ना. कितें तरी उपाय करचो पडटलो.' ताणें विचार केलो.

''तुकां कितें म्हणपाचें आसा पुता? तूं तिचेकडेन लग्नय जातलो, हें कशें जातलें? तुकां खबर आसा, एके शूद्र बायले पासून जल्माक आयिल्ली तुजी संतती तुजो वारस जावंक शकना. ताका कोणूच मान्यताय दिवचो ना. तूं राजवंशी जावन आसाय आनी ती उणाक कुळांतली अस्तुरी.'' वसिश्ठान ल्हवपीक उतरांनी समजावपाचो यत्न केलो.

''ना गुरूदेव, उणाक वा नीच कर्मां जावन आसतात, खंयचेंय कूळ न्हय... आनी अस्तुरी म्हळ्यार धर्तरी. धर्तरेक खंयची जात आसना. ती बीं जावन आसता, जी विंगड विंगड जाग्यार किल्लता. हातूंत धर्तरेचो कांयच दोश ना. दोश बिंयेचो जावन आसता.''

''तूं म्हाकाच शिकोवपाक लागलो, मतींत आसुनी तूं ह्या गुरूकुलांत विद्या शिकपाक आयला, गुरूक शिकोवपाक न्हय.'' वसिश्ठ तिडकीन उलयलो.

''म्हजे मतींत आसा गुरूदेव.''

''तशें जाल्यार आतां पासून तूं ते तरनाटेक मेळचो ना, हांगा रावून तूं आनीक कसलीय घोशणा करचो ना वा कोणाक कसलेंच वचन दिवचो ना.''

''मागीर कितें म्हजें वचन वाऱ्यार उबोवंक दिवं. हो संवसार म्हजेर थुकचो ना?''

''तुका निमाणे जाय तरी कितें? कितें तुकां जाय तें करूंक दिवं? कितें तूं म्हाका सामाजीक वेवस्थेचो धडो शिकोवंक सोदता?'' वसिश्ठान तिडकीन म्हटलें.

''हांव तुमचेकडेन शिकपाक आयलां, गुरूदेव.'' पृषघ्नान दोनूय हात जोडून म्हटलें, ''हांव एका अशा समाजाची रचना करपाक सोदतां जातूंत चारूय जातींचे लोक एकाच मनीसजातीच्या नांवान वळखूंक येवचे. ना कोण व्हड, ना कोण उणाक. कसलोच जातीभेद ना... सगळ्याक समानताय आसची. हातूंत तुमी म्हजे मार्गदर्शक आसचे.''

हें आयकून जाणटो ऋशी बेजार तो समजलो की वाद घालून ह्या तरुण हारोवप शक्य ना. हो थारनिश्चयी आसा. हाचें कितें तरी करचें पडटलें विचार करून ताणें तिरश्या दोळ्यांनी पृ पळयलें आनी कांयच उलयनासतना थ कडसरलो.

मळबांत कुपांचो भयंकर गडगडे वांगडा नेटान पावस. ऋशी वसिश्ठान दिसा सावन पृषघ्नाक गोशाळेचें काम चड पावस जाल्ल्यान तीन दिसांसावन ग चाऱ्याची वेवस्था जावंक नासली. भुकेल्लींच आसलीं. स्वता पृष आश्रमाभायर वचपाक बंदी आसली आयकल्लें कीं आश्रमांत दोन-तीन सावन सुको जळोव पासून नासल्या क रांदचीकूड थंड आसली. ताकाय अ कण मेळूंक नासलो.

सांज जाता म्हणसर काळोख फांक गोशाळेंत जळी मळी उदक गळटालें. कश्टान एक जागो पळोवन तो ब भुकेल्ल्या गोरवांची हामेर ताका खूब पावयताली. इतलेंच समादान म्हणपा तो स्वताय उपाशींच आसलो. ताची जाली की गोशाळेचें पाखें तोडून ताचे तण काडून गोरवांक खावंक दिवंचें. प शक्य नासलें.

बसला थंयच पृषघ्नाक झेमेची त येवंक लागली. तो केन्ना न्हिदलो ता कळळें ना. अर्दे रातीर गोरवांच्या हामे आवाजान ताका जाग आयली. गूप्प का आसलो. पावस आजूनय रकतालो. अच ताका कांयच समजना जालें. काळखांत ताणून पळोवपाचो यत्न केलो, तेन्ना गर्जनेन तो अजापलो.

गोशाळेंत शींव घुशिल्लो. तो सोम आपली तलवार भायर काडून उबो रा आनी सावधानतायेन गोरवां वटेन चल

लागलो. दोन तीन गोरवां शिंगांनी शिंवाकडेन झटापट करतालीं. पृषघ्नान लागीं वचून विजेचे चपळतायेन शिंवाचेर नेटान वार केलो. वनराज पृषघ्ना परस चपळ आसलो, तो कुशीक सरिल्ल्यान एके गायेची तकली कापली. शींव नेटान धांवत पळून गेलो.

पृषघ्न गडबडलो. तकली भेरेली आनी दोळ्यांफुडें काळोख दिसपाक लागलो. खूब कश्टान तो आपल्या जाग्यार आयलो आनी मेल्ल्यावरी सकयल पडलो. फांतोडेर ताणें पळयलें, गायेचे तकले वांगडा शिंवाचो कानूय कापून पडिल्लो.

सकाळीं उसरां मेरेन तो भायर आयलो ना तेन्ना वांगड्यांनी गोशाळेच्या दारांतल्यान ताका उलो मारलो. कांयच जाप मेळूं नाशिल्ल्यान ताणी भितर येवन जें कितें पळयलें ताका लागून ते सगळे अजापीत जाले.

''गुरूदेव पृषघ्नान गोहत्त्या केल्या.'' एका शिश्यान धांवत वचून ऋशी वसिश्ठाक सांगलें.

''हें तूं कितें सांगता पापया? अशें कशें जावं येता?'' तो आपल्या आसनावेल्यान उठलो.

''स्वता वचून पळयात, गुरूदेव.'' जायते जाण एकदम उलयले.

ऋशी वसिश्ठ नेटान चलून गोशाळेंत आयलो. पृषघ्न दारार तकली सकयल घालून बसलेलो. फुड्यांतूच मेल्ली गाय कापलेले अवस्थेंत पडिल्ली. ऋशीन रागान म्हटलें, ''हो अमानूश गुन्यांव कित्याक लागून केलो तुवें... फकत इतल्याकूच लागून की भायर वचूंक शकनाशिल्ल्यान तुजी ते शूद्र चलयेकडेन भेट जावंक ना म्हूण? एके शूद्र चलयेक लागून येदो खर गुन्यांव?'' मोठ्या आवाजान आनी रागान वसिश्ठाची जाणटी कूड थरथरूंक लागली.

''ना, गूरूदेव, खरें म्हळ्यार कालचे रातीं गोशाळेंत शींव घुसलेलो. ताका मारपाक म्हणून तलवार उबारलेली, पूण तो वाचलो आनी ताचो कापलेलो कान थंयच पडलेलो. आत्तां पळोवन घेयात.''

''वगी राव, वीर पृषघ्नाचो वार चुकप, हांव मानूंकच शकना. तुवें जाणून बुजून गो हत्त्या केल्या, कारण तुकां गोशाळेच्या कामातसून मुक्त जावचें आसा आनी तुकां भायर वचून ते शूद्र चलयेकडेन प्रेमचाळे करपाचे आसात, तूं रक्षक जावचे बदला भक्षक जालो.'' वसिश्ठ तिडकीन आइडलो.

''ना गुरूदेव, हें फट जावन आस, हांव...''

''म्हाका फट थारायता? तुवें गोहत्त्येचें म्हा पाप केलां... तेंय बी एके शूद्र चयलेक लागून. हांव तुकां शिराप दितां, तूं ह्या नीच कर्माक लागून आतां क्षत्रीय उरचो ना. वच शूद्र जा.'' इतलें सांगून तो नेटान पावलां घालीत परतो गेलो.

शूद्र जावपाची ख्यास्त मेळिल्ल्यान पृषघ्नाक त्याच खिणाक आश्रमांतल्यान भायर सरचें पडलें. तो खूब रडलो, हातापायां पडलो आनी सत पटोवपाक शिंवाचो कान दाखयलो, पूण वसिश्ठान ना कांय पळयलें वा आयकलें.

शिराप कितें आसलो?

त्या काळार शिक्षण ब्राम्हणांनी फकत आपल्या ताब्यांत दवरिल्लें. शिक्षणाचो प्रसार फकत कांय वर्गा मेरेनूच आसलो आनी आदीवासी वा सकयल्या वर्गांतल्या लोकांक गिन्यानाच्या उजवाडापासून पयस दवरिल्लें. शिक्षीत वर्ग आशिल्ल्यान ब्राम्हणाचें वर्चस्व राजकारभाराचेर चड आसलें आनी अर्दकुटो शिकिल्लो जाल्ल्यान सत्ता चलोवपी वर्ग ब्राम्हणाचेर आदारीत आसलो. ताका लागून वसिश्ठाच्या शिरापान पृषघ्नाक त्या काळार सभ्य समाजा पासून, सामाजीक आनी राजकीय अधिकारा पासून पयस केलो. ब्राम्हणांच्या ह्या एकाधीकार वेवस्थेक सामाजीक आनी राजकीय मान्यताय मेळिल्ली.

समाजा पासून बहीशकृत जावन पृषघ्नाक कळना जालें कीं करचें कितें. ताच्या आपल्या लोकांनी तोंड वाकडें करून ताका धांवडायल्लो. ज्या सकयल्या वर्गांत ताका सामील जावपाची ख्यास्त जाल्ली, तो वर्गय बी ब्राम्हणांनी घडयल्ल्या दंडवीधान, सामाजीक असुरक्षा आनी राजभंय हाका लागून ताचो स्वीकार करपाक असमर्थ आसलो. पृषघ्नाक खबर आसली कीं शूद्र वर्गय बी ताका आपलेमदीं घेवचो ना आनी धाडस केलेंय बी जाल्यार ताचे वायट परिणाम जायत्या लोकांक भोगचे पडटले.

तो रानानी भोंवत रावलो. दीस-दीस मनशांचें दर्शनूय जाय नासलें. निमाणें ताणें आजन्म ब्रह्मचर्याचें व्रत घेतलें. सगळ्यो आसक्त्यो सोडल्यो, 'गूणमाला' तकलेंतल्यान पयस जाली. इंद्रीयां ताब्यांत दवरून तो गंभीर कुड्डो आनी भेरो जावन 'इश्वरा'चे सोदीक भायर सरलो, पूण तो काय मेळ्ळो ना.

निमाणो तो परतो गूणमालाकडेन परतलो, ''गूर्णवी, हांव परतो आयलां.'' अधीर सुरान ताणें खोपीच्या दारार उबो रावून आवाज दिलो.

पूण कांयच जाप मेळ्ळी ना. पृषघ्नान भितर वचून पळयलें, कोण नाशिल्लो. खोपीची अवस्था पळोवन कळटालें कीं जायतो तेंप थंय कोणूच राव नासलो. कितें तरी विचार करून ताणें खोपीक उजो लायलो आनी स्वताय त्या उज्यांत आसपावलो.

(महेंद्र कुमार मीश्र हांचे हिंदी कथेचो उदय देशप्रभून केल्लो कोंकणी अणकार.)

■■■

सदगती

- नं. थ. बोरकार
मास्कारेन्हस वाडो,
व्हडलें - गोंय
फोन : २२१८१४७

दुखी आतां शिंतीदार नासलो. खंयची गुप्त शकत ताच्या हातांतल्यान काम करून घेताली देवाक खबर. तो थकसाण, भूक, अशक्तपण खंयचे खंय खिणात पळून गेली. ताका आपल्या भुजांतली शकत जाणवली आनी अजाप जालें. एकेक धपको वज्राभशेन पडतालो गांठीचेर. अर्देंवर रोगीत सांवार आयिल्लेवरी काम करीत रावलो. आतां लाकूड मदेंच फुटलें आनी दुखील्या हातांतली कुराड सुटून खाला पडली.

एक

दुखी चामार आंगणात सान्न मारतालो. ताची बायल झुरयें, घराक शेण काडटालें. दोगांनींय आपापलें काम सोंपयलें आनी फुरसतीच्या वेळार गजाली करूंक लागलीं. चामरिणीन चामराक म्हणलें - चल तरी, भटमामाकडे उलोवन यो. मागीर भायर सरलो जाल्यार तो!

दुखी - खरें तुगेलें. आतांच येतां वचोन. पूण तो येतकच बसतलो खंय?

झुरयें - बाज्ज मेळची ना कोणालीय? शेजारच्या भाटकान्नीगेर पळय मेळटा जाल्यार.

दुखी - तूं मगो केन्ना-केन्ना राग येवपाच्यो गजाली उलयता. भाटकारां तुका केन्ना बाज्ज दितलीं शीं दिसता. घरांतल्यान उजो भायर सरपाक कठीण, थंय बाज्ज दितलीं तीं! तुका कितें दिसता, त्यो कितें शेणी गे? गेलों आनी हाडल्यो एकठांय करून. काय शेंकरे आनी तूस बी तसलें कितें! लाकडां-बिकडां तसलें कितेंय मागलें जाल्यार दीत आशिल्लीं घडये! हांगा पेलोभर उदक मेळपाक कठीण, थंय बाज्ज मेळटली! तूं अशें कर. ही अ
मोडकी खाट आसा ती धुवन घाल.
कडकडीत वत पडलां. तो येता म्ह
सुकतली.

झुरयें - तो आमगेले खाटीर बर
दिसना तुका, कितलें ओवळें-सोवळें प
तो!

दुखी मात्सो चिंतेंत पडलो. ताणें म
- हां, तूं म्हणटा तेंय खरें, आतां आमी
करुया. हांव मोहझाडाचीं पानां तोडून हा
पत्रावळी तोपून उपेगांत हाडुया. व्हडले-व
मनीस उपेगांत हाडटात त्यो पत्रावळी.
आसतात त्यो. दी ती बडी. हाडटां पानां तें

झुरयें - तूं चल. पत्रावळींचें काम
करतां. हां, आनीक एक गजाल, भट
शिदो दिवचो पडटलो. आमचे थाव
दवरूं?

दुखी - अशें कांयच करूं नाका. शि
वचत आनी थाळीय फुटत. भटजी थ
उबारून जमनीर आपटीत जाल्यार? भ
राग रोकडोच येता. राग येतकच भट

लेगीत सोडिना तो. एक दीस ताणें पुताक इतलो पेटलो की मोडको हात घेवन आयज लेगीत भोंवता बाबडो. पत्रावळेर शिदो दवर. पूण हां, आफडूं मात नाका. झूरी, गोंडाल्या भुरग्याक घेवन वाणयांल्या पसऱ्यार वच आनी जाय तें सामान घेवन यो. शिद्याक कितेंय उणें पडूंक दिवं नाका. एक शेर पीठ, अर्दशेर तांदूळ, पावशेर दाळ, अर्दपाव तूप, सगळे तरेचो सांबार आनी हां, पत्रावळेचे एके कडेक चार आणे दवरूंक विसरूं नाका. गोंड जातीच्या भुरग्यांकूच घेवन वच. तें मेळ्ळेंना जाल्यार कोणाय भशेन हात-पायां पडून व्हरूच तूं. तूं कित्याक हात मात लावं नाका. तशें केल्यार कितेंय विलक्षण जावंक शकता. इतलें सगळें सांगून दुखीन बडी हातांत घेतली. तणाची एक व्हडलीशी वरण माथ्यार घेवन तो भटाक विनवणी करपाक गेलो. रिकाम्या हातान तो भटागेर कसो वतलो? नजराणो म्हूण दिवपाक ताचेकडे आशिल्लें तें फकत तण. तो रिकाम्या हातान गेल्लो जाल्यार भट ताका लागीं कसोच धरचो नासलो.

दोन

पं. घासीराम देवाचो परम भक्त. जागो जायना फुडें देवपूजेक बसप आसलें ताणें! हात-तोंड धुता म्हणसर आठ जातालीं ताका. मागीर खरी पुजा सुरू जाताली. हो पुजेचो पयलो वाटो आसतालो. उपरांत अर्देवर गंध काडूंक लागतालें. नंतर तणाकाडी हातांत घेवन हारशा मुखार रावन कांडयेन माथ्याक तिबो लायतालो. चंदनाच्या दोन रेगांमदें तांबड्या रोलींच्यो तिकल्यो लायतालो भटजी. मागीर छातीयेर आनी दोनूय भुजांचेर वाटकुळ्यो मुदयो काडटालो. उपरांत देवाची मूर्ती काडून तिका न्हाणयतालो, चंदन लायतालो, फुलां घालतालो, आरती उंवाळटालो, घांट वाजयतालो. धा वाजतां-वाजतां म्हणल्यार भट पुजेवयलो उठटालो आनी भांग सोदीत भायर येतालो. तितले म्हणसर दोन-चार यजमान दारार येवन उबे रावताले. इशोपासनेचें फळ तत्काळ मेळटालें ताका. तेंच ताचें शेत आसलें.

आयज तो देवाऱ्यांतल्यान उठलो. पळे जाल्यार दुखी चामार तणाची वरण घेवन बसला. दुखी भटाक पळेनाफुडें उठून उबो जालो. साष्टांग नमस्कार केलो. हात पांगरून भटा म्हऱ्यांत उबो रावलो. ही तेजस्वी मूर्ती पळोवन दुखीचें हृदय श्रध्देन पुराय भरून आयलें. कितली दिव्य मुर्ती आशिल्ली ती! ल्हान-सो, वाटकुळो-वाटकुळो मनीस तो! चिकणो चेरो, फुलिल्ले-फुगरे गाल. ब्रह्मतेजान प्रदिप्त जाल्ले दोळे. रोली आनी चंदन दैवी प्रतिभेची झळक दिताली. दुखीक पळोवन श्रीमुखांतल्यान उतरां भायर पडलीं - आयज खंयच्यान उदेलो रे दुखीया?

दुखीन तकली बागोवन म्हणलें - धुवेचो साकरपुडो करतलों म्हण्टां बाबा! कितेंय बरें-वायट बी आसल्यार विचारूंक सोदतां. केन्ना दया करता आमचेर?

घासी - आयज हांव बेकार ना. हां, सांज मेरेन येतां.

दुखी - ना बाब. बेगीन दया कर आमचेर. सगळें सामान जाग्यार थेयलां थंय! हें तण खंय दवरूं?

घासी - तें हे गायच्या म्हऱ्यांत उडय आनी सान्न घेवन मात्शें आंगण झाड तें. कितले दीस जाले ही चवकी सारयल्यार. मात्शी शेणान सारय ती. तो मेरेन हांव जेवन घेतां.

भट जेवणाक गेलो. कारण तेन्ना बारा जावन गेल्लीं. दुखीन सकाळीं पसून कांयच खांवनासलें. ताकाय कडक भूक लागिल्ली. पूण खातलो कितें? कितें आसलें थंय? भटान ताका भरपूर काम दिलें. लाकडां फोडूंक लायलीं. कुंडो जाग्यार दवरूंक लायलो आनी तो जेवंक गेलो.

दुखीन भटाचो हुकूम पाळपाक कळाव केलो ना. आंगणाक शेण काडलें, सान्न मारली. जळोव फोडूंक लागलो. मोठ्या कांडाक एक गांठ आशिल्ली. ही गांठ फोडपाचो प्रयत्न हे आदीं जायत्या भक्तांनी केल्लो. पूण तांकां यश येवंनाशिल्लें. लाकडाची गांठ लोखणा इतलीच खर आशिल्ली. गांठ लोखणाक टक्कर दिवपा इतलीच शक्तिमान आसली. कुराडीचे धपके ती कांय न्हय करून सोंसताली. दुखी तण कापून बाजाराक व्हरतालो. लाकूड फोडपाची आनी चिरपाची ताका संवंय नाशिल्ली. तण तर खुरप्या मुखार हार खातालें. कुराडेचे धपके लाकडा गांठीचेर फुरसत नासतना पडटाले. पूण गांठीचेर कसलोच परिणाम जायनासलो. कुराड लाकडार बसतांच उसळटाली. दुखी घामान ओलोचिंब जातालो, धापेतालो, थकून बसतालो आनी रोखडोच उठटालो. हात उबारूंक गेल्यार उबारनासले. पायें थरथरताले. भेंड नीट जायनासलें. दोळ्यांकडे काळोख येतालो. तकली घुंवळटाली. दोळ्यांकडे काजुले चकमकताले. तरी दुखी आपलें काम करचेलें सोडिनासलो. ताका दिसतालें, विडयेचो एक झुरको मेळिल्लो जाल्यार कुडीक शकत मेळटली आसली. पूण तंबाखू हांगा खंय मेळटलो? ही तर बामणांची वसती! आमी सकयले जातीचे. आमचे भशेन बामण तंबाखूची विडी थोडेच ओडटात? अकस्मात ताका याद जाली की गांवांत एक गोंड रावता. ताच्या घरांत तंबाखू आनी विडी ओडपाची वेवस्था आसतली! दुखी एकदम गोंडागेर धांवलो. जावं सायबा घेतिल्ले कश्ट फळाक आयले. ताणें चिलम आनी तंबाखूय दिलो. पूण थंय उजो नासलो. उज्याची चिंता करूं नाका बाबा! हांव भटागेर सावन उजो घेवन येतां. थंय आतांच रांदूंक सुरवात केल्या.

दुखी भटागेर गेलो. बैठकेच्या दाराकडे वचून उबो रावलो.. भट जेवतालो. भटणीन



विचारलें – भायल्यान कोण तरी उजो मागता, कोण तो?

भट – आगे, तो तर हरामखोर दुखी चामार. इल्लो जळोव फोडूंक लायल्यार आयलो धावून उजो मागूंक. उजोच मागता मू, दी. वचुनी.

भटणीन रागान म्हटलें – तुमकां म्हूण कित्याचेंच पडूंक ना. देव-धर्म जात पात सगळें सोडून दिलां तुमी. म्हार-चामाराक कोणाकूय घेतात तुमी घरांत. हिन्दूलें घर म्हणटलो कोणूय हाका? ही कितें धर्मशाळा काय म्हणटां हांव, उठसूट कोणेंय भितर सरचें! सांगात ते खाडयाक तोंड घेवन वचपाक. ना जाल्यार लायतां कोलती तोंडाक. उजो मागूंक येता, हूं!

भटान तिका समजावन सांगलें – कितें जालें भितर आयल्यार? तुगेले कसलेय वस्तूक तर हात लायलो ना ताणें! जमीन पवित्र आसता. दी ताका इल्लो उजो. काम तर तो आमचेंच करता. आनी कोणूय मानाय जाल्लो जाल्यार हेंच काम करपाक उणेच चार आणे तरी घेतलो आसलो. भटणीन आड्डेवन म्हणलें – तो भितर सरलोच कसो काय म्हणटां हांव!

भटान उबगून म्हणलें– फुटकें नशीब रांडेच्याचें, आनी कितें म्हणूं?

भटीण – बरें आसां. आतां दितां उजो. पूण आनी केन्नाय जर तो हे वटेन फिरकलो, तर ताच्या तोंडाक चुट्टी पेटयतां.

दुखीच्यान हीं उतरां आयकूंक जालीं ना. ताचे कान सणसणले. खंयचो आयलों अशें जालें ताका. ताणें म्हणलें – खरें तिगेलें. एका भटाल्या घरांत चामार घुसता म्हणल्यार कितें? खूब पवित्र आसतात हे लोक. तेकाच लागून संसार पूजा करतात तेंची. इतलो मान मेळटा तेंकां. हेच गांवांत रावन हांव म्हातारों जालों. पूण अक्कल येयलीना म्हाका.

भटीण जेन्ना उजो घेवन भायर आयली, तेन्ना दुखीक धन्यताय भोगली. ताणें दोनूय हात जोडून माथें जमनीक तेंकयलें आनी ताणें म्हणलें – माते म्हाजे कडल्यान व्हडली चूक घडली. घरांत येवंक फावनासलें हांवें. कितलोय जालों जाल्यार चामार तो चामारूच हांव. मूर्खपणाक लागून केन्ना-केन्ना मार खावचो पडटा.

भटणीन चिमटेंत धरून उजो हाडलो. पांच हात पयस रावन, पदरांत चेरो लिपोवन तिणें अऽऽस्सो करून उजो दुखीवटेन फें उज्याची एक व्हड कीट वचून दुखीचेर प दुखीन सट्ट करून तकली फाटीं का तकलेक झटके दिवंक लागलो, ताच्या म्हणलें – हें एका पवित्र बामणाले भश्टील्ल्याचें फळ. देवान फळ रोकडेंच हेकाच लागोन लोक भटांक भियेतात. लोक भटांले पयशे चोरतात. भटांले चोरतल्यांचें केन्ना बरें जावचेलें आसा? लोकांचो सत्यनाश जातलो. हात- कुसून-कुसून गळटले.

भायर येवन ताणें आतां चिलम वो कुराड उकलून कामाक लागलो. खट- अशे आवाज येवंक लागले.

ताचेर उजो पडलो तेन्ना भटणीक दया आयली. भट जेन्ना जेवन उठलो, तिणें म्हणलें – ते चामराकूय कितें तरी ख दियात. भंगूं बाबड्याचें. भूक लाग जातली. केदो वेळ काम करता.

भटाक भटणीचो प्रस्ताव मानव वेव्हाराचो विचार पयस करून ताणें म्हण रोटयो उरल्यात?

भटीण – आसतल्यो दोन – चार

भट - दोन-चारांनी कितें जातलें? चामार तो, उणेच सात-आठ तरी जाय पडटल्यो.

भटणीन कानार हात थेवन म्हणलें - बापरे! सात-आठ! अशें जाल्यार भंगूं.

भटान धीर धरून म्हणलें - कुंडो बी कितेंय आसल्यार पिठांत भरसून लाट रोटयो. दाट जावं दी. पातळ रोटयांनी सकयल्या लोकांचें पोट भरना साल्यांचें! हांकां दाट भोबे जाय.

भटणीन म्हणलें - आसूं आता. वतांत कोण मरतलो!

तीन

दुखीन चिलम वोडली. हातांत कुराड धरली. मात्सो सुशेग घेतल्या उपरांत आंगांत ताकत आयली. अर्दवर मेरेन कुराड चलयली. थकतकच तकलेर हात धरून बसलो.

इतल्यान तो गोंड आयलो. ताणें म्हणलें - कित्याक मरसर काम करता बाबा! ही गांठ तुजेकडे फुटचेली ना. तो नाद सोडून दी.

दुखीन कपलाचो घाम पुसून म्हणलें - आजून गाडीभर कुंडो व्हरपाचो आसा पुता माझ्या.

गोंडू- पोटाक कितें दिलां, काय कामूच करून घेतात. कित्याक घेयना मागोन?

दुखी - कितें उलयता रे तूं चिखुरी, बामणाली रोटी आमकां पचपाची रे बाबा!

गोंड - पच्ची ना कित्याक? पयलीं मेळोंक तरी जाय काय ना? मिशांचेर ताव मारून पयली भूस मारलो आनी सुशेगाद न्हिदलो. तुका लाकडां फोडपाचो हुकूम दिलो. भाटकांर तरी कितेंय ना कितें खावंक दिता. अधिकारी काम करून घेतल्यार मजुरी दिता. थोडी जावं मागीर ती! आनी हेचे कडल्यान दमडी सुटना. वयल्यान धर्मात्मा म्हणोवन घेता.

दुखी - हळू उलय बाबा. कोणूय आयकत जाल्यार तंट्यांत पडटले.

हें सांगून दुखी जाग्यार आयलो आनी कुराड घेवन लागलो धपके मारूंक. चिखुरीक ताची दया आयली. येवन ताच्या हातांतली कुराड काडून घेतली. सुमार अर्देवर लाकडाचेर एक सारके धपके मारीत रावलो. पूण गांठ जशाची तशी. एक वेर लेगीत पडली ना. मागीर ताणें कुराड भायर मारली आनी हें सांगून गेलो की गांठ फोडपाचो तूं कितलोय येत्न कर. जीव गेलो तरी ती गांठ फुटची ना!

दुखी आतां चितूंक लागलो, देवान ही असली गांठ तयार करून कित्याक सोडली? फोडपाचो कितलोय येत्न केलो जाल्यार तिका मातूय वेर पडना. केन्ना मेरेन हांव ही फोडीत रावतलों? घराकडे म्हज्या खोटलोभर कामां पडल्यांत. काम-धंद्याचें घर म्हाजें. सगळीं कामां तशींच पडल्यांत. पूण हेंकां कोणाचें कितें पडलां! कितेंय जावं आतां हें काम थांबोवन कुंडो व्हरपाचें काम केल्यार बरें. सांगतां, बाबा, आयज हें काम जावचेलें ना. फाल्यां येवन फोडटां.

ताणें पाटें काडलें, आनी कुंडो भरून व्हरूंक लागलो. खळें हांगा सावन दोन फर्लांग तरी पयस आशिल्लें. पाटें खूब उप्पाट भरून व्हेल्लें जाल्यार काम बेगीन सोंपपाचें. पूण पाटें माथ्यार उबारतलो कोण? एकट्याकडे पाटें उबारचें ना. ताका लागून तो कुंडो थोडो-थोडो व्हरूंक लागलो. आतां चार वाजलीं. कुंडो सोंपलो. भटाली न्हीद सोंपली. हात-पांय धुले, पान खालें आनी भायर आयलो. पळे जाल्यार दुखी माथ्यार पाटें घेवन न्हिदला. भट तापलो - अरे दुखिया, तूं न्हिदला? लाकडां तर अजून तशींच पडून आसात मरे. कितें करतालो येदो वेळ? मूठभर कुंडो हांगाचो थंय व्हरपाक आळसाय करता तूं? वयल्यान न्हीद काडटा? उबार ती कुराड आनी फोड लाकडां. तुजेकडे एक ल्हान लाकूड लेगीत फुटना. आदीं सांगून दवरिल्लें सगळें विसरलो तूं.

दुखीन आनीक एकदां कुराड उकल्ली. पयलीं येवजिल्लें सगळें विसरून गेल्लो. पोट-फाट एक जायत वतालें. आयज सकाळीं घोंटभर चाये उदक लेगीत ताळ्यार पडूं नासलें. वेळूच मेळूं नासलो. उठूंक कठीण जातालें. उबगण येताली. मनाक समजणी घालून कशेभशेन उठलो. भट तो. शिराप दिल्यार सत्यनाश जातलो. हाकाच लागून ताका येदो व्हडलो मान ह्या संवसारांत. हो सगळो खेळ शिरापाचो आनी वेळाचो. कोणाचोय सत्यनाश जावंक शकता. भट गांठीकडे येवन उबो रावलो आनी दुखीक ती फोडपाक नेट दिवंक लागलो. हां, मार दुखी. सोडूं नाका, आनीक मार-नेटान मार- आनीक मार बाबा! कांयच शकत ना मरे तुज्या आंगांत! मार नेटान, उबो रावन कितें चिंता रे तूं. हां-बस-फुट्टली आतां-फुट्टलीच मार ते खांचीचेर.

दुखी आतां शिंतीदार नासलो. खंयची गुप्त शकत ताच्या हातांतल्यान काम करून घेताली देवाक खबर. तो थकसाण, भूक, अशक्तपण खंयचे खंय खिणात पळून गेली. ताका आपल्या भुजांतली शकत जाणवली आनी अजाप जालें. एकेक धपको वज्राभशेन पडटालो गांठीचेर. अर्देवर सेगीत सांवार आयिल्लेवरी काम करीत रावलो. आतां लाकूड मदेंच फुटलें आनी दुखील्या हातांतली कुराड सुटून खाला पडली. वांगडाच तोय घुंवळ येवन जमनीर आड पडलो. भुकेल्ले, तानेल्ले आनी थकिल्ले कुडीन जाप दिली.

भटान आदेश दिलो - ऊठ आनी आनीकूय दोन-चार धपके मार. बारीक-बारीक कापट्यो जावं दी. दुखी उठलो ना. भटान चिंतलें, आनी त्रास दिवप उचीत जावंचें ना. भट भितर वचून संडासाक गेलो. न्हालो-धुलो आनी पंडिताच्या भेसान आपलें भटपण दाखयत भायर आयलो. दुखी अजून थंयच पडून आशिल्लो. भट मोठ्यान आड्डेलो - आरे, थंयच पडून रावता? चल, तुगेल्या घराक वचूंक भायर सरलां हांव. सगळें सामान तयार आसा मरे? तरी दुखी उठलो ना.

आतां भटाक दुबाव पडलो. म्हऱ्यांत वचून पळय जाल्यार दुखी घट जाला. भटाक कितें करचें कांयच कळळेंना. तरी पिसो भटणी म्हऱ्यांत धावन गेलो. ताणें भटणीक सांगलें - आगे, दुखी मेल्ले भशेन दिसता मगे!

भटीण काचाबूल जाली.

तिणें जाप दिली - कितें, आतांच तर लाकडां फोडटालो मू?

भट - लाकडां फोडटांच मेलो. आतां कितें करपाचें?

भटीण - कितें करपाचें? चामरां वाड्यार रकाद धाडात. व्हरात म्हणपाचें मडें.

खिणांत गांवभर खबर पावली. गांवांत बामणा-भटांचीच वसती आशिल्ली. फक्त एक घर गोंडाचें आशिल्लें. लोकांनी हेवटेचो रस्तो सोडलो. बांयकडेचो रस्तो थंयच्यानूच वतालो. आतां उदक कशें भरपाचें? चामराच्या मड्याकडल्यान उदक भरूंक कोण वतलो?

एके म्हातारेन भटाक म्हणलें - आतां थंयचें मडें भायर काडात बाबांनो! गांवचे लोकांक उदक खावंक नाका?

हे वटेन गोंडान चामरां वाड्यार वचून सगळ्यांक सांगलें - खबरदार मड्याक कोणूच हात लायशात तर! आतां पुलीस चवकशी जावपाची आसा. एका गरिबाचो जीव वचप हीं फकांडां न्हय. भट जालो जाल्यार आपल्या घरा. मड्याक हात लायल्यार तुमकांच भोगचें पडटलें.

ताच्या उपरांत भट आयलो, पूण चामरां वाड्या वयलो कोणूच मड्याक हात लावपाक तयार जालो ना. दुखीची बायल आनी धूव मात थंय बोब मारीत आयलीं. भटाल्या दारार तकली आपटून मोटमोट्यान बोबो मारूंक लागलीं. तांच्या वांगडा आनीकूय चार-पांच चामारणी आशिल्ल्यो. कोण रडटाली, कोण समजायताली, पूण थंय चामार एकलोय नासलो.

भटान चामरांक खूब धमकायले, समजयले. भटान तांच्यो विनवण्यो केल्यो, पूण चामारांच्या मनार पुलिसांचो धाक आशिल्लो. एकानूय भटाचें कितेंच काना-मनार घेतलें ना. निमणे निर्शेवन परत आयलो.

अर्दी रात मेरेन रडारड चालूच आशिल्ली. भट-बामणाची न्हीद इबाडटाली. पूण मडें उबारपाक कोणूच चामार फुडें आयलो ना. आनी बामण चामराचें मडें कशे उकलतले? अशें खंयच्या शास्त्रांत बरोवन दव आसल्यार कोणेंय दाखोवंचें!

भटीण पिंजळळी. तिणें राग उक्ताय ह्या पिडांनी तकल्यो खाल्यो आम सगळ्यांच्या गळ्यांक कांयच जायना कि काय म्हणटां हांव!

भट - रडूं दी चुतडांक रडटात ति केन्ना मेरेन रडटलीं?जितेपणाक को कितेंच म्हणलें ना. मेले उपरांत आयली मारूंक सगळीं!

भटीण - चामरालें रडप अशूभ अ म्हणटात.

भट - हय तर! इल्लें अशूभ?

भटीण - येन्नाच घाण मारूंक लाग

भट - चामार आसलो रांडेचो. वायटाचो म्हूण कोणाक विचारूच ना.

भटीण - हांकां कोणाकूच घाणीची म्हणटात ती जायना.

भट - जातली कशी, जातीचींच भ

कशेय भशेन रात सोंपली, पूण स जाली तरी कोणूच चामार आयलो चामरिणीय रडत-मरत गेल्यो थंयच्यान. करतां करतां चड मारूंक लागलो. भटान दोरी हाडली. तिची कोंयडी केली, मड्याच्या पांयांक आडकयली. को ओडून घट्ट केली. भायर झिळमिळट भटान दोरी हातांत घेवन ओडपाक सुरू के मडें गांवाभायर ओडीत घेवन गेलो. थंय व रोकडेंच न्हाण केलें. गंगाजळ शिपडलें. दु पाठ वाचलो.

तेवटेन दुखीचें मडें शेतांत गीद, सुणे अ कावळे चोंचताले. जिवितांतली भक्ती, आनी निश्ठेचो पुरस्कार आसलो तो.

(मुंशी प्रेमचंद हांचे हिन्दी कथे कोंकणीत अणकार)

समिक्षेंतल्या 'क्ष'चो अर्दकुटो परिचय

– एस्. डी. तेंडुलकार



'क्ष : समिक्षेंतलो' हें बाळकृष्णजी कानोळकार हांचें समिक्षा-पुस्तक. साधारण ११६ पानांच्या ह्या पुस्तकांत आमकां अकरा ल्हान-मोटे लेख वाचूंक मेळटात.

'समिक्षा' हें उतर 'सम+ईक्ष' ह्या जोड उतरांनी तयार जाल्लें आसा. सम म्हळ्यार सगल्या आंगानी, चारूयबाजुंनी आनी ईक्ष म्हळ्यार पळोवप, नियाळप, विचार करप. म्हळ्यारूच सगल्या आंगानी, चवशीय बाजुंनी पळयल्ली, नियाळिल्ली गजाल म्हळ्यार समिक्षा.

विश्लेषण आनी मूल्यमापन हीं समिक्षेचीं दोन मुखेल आंगां. समिक्षा हें एक शास्त्र आशिल्ल्या कारणान समिक्षेची भाशा ही शास्त्रीय, लॉजिकल, रोखठोक स्वरुपाची आसूंक जाय, हो एक समिक्षालेखनाचो नियम जावन आसा आनी तो आस्वादक समिक्षेक लेगीत लागू पडटलो. कारण समिक्षेची भाशा जर अलंकारीक वा काव्यात्मक आसली जाल्यार मांडिल्ले संकल्पनेंत गोंदोळ निर्माण जावं येता.

हे फाटभूंयेर बाळकृष्णजी कानोळकार हांच्या ह्या 'क्ष:समिक्षेंतलो' ह्या पुस्तकाचो आमी परिचय करून घेवया. सुर्वेक, समिक्षक कानोळकार आपल्या पुस्तकाक बरयल्ल्या मनोगताकडे आमी वळुया. हें सबंद मनोगत वाचून हांव बरोच निर्शेलों. कारण हें मनोगत, ह्या मनोगताची भास एखाद्या मॅच्युअर्ड समिक्षकान बरयल्लेवरी दिसना. तर ती दिसता एखाद्या नवोदीत कवीन बरयल्लेवरी. देखीक, तांतल्यो कांय पती आमी पळोवं येतात. समिक्षक कानोळकार म्हणटात :

१) 'ह्या समिक्षा झेल्यांतलीं जायतीं फुलां बाय माधवीक लागून फुलल्यांत.'

– (म्हळ्यार कानोळकार हांगा आपल्या समिक्षालेखांक फुलांची उपमा दिता. समिक्षालेखांक आनी तिवूय बी फुलांची उपमा?)

२) 'विंगड विंगड रुपांचीं, वासांचीं आनी कोरांचीं हीं फुलां आयज हांव कोंकणी सरस्पतीच्या पांयांर ओंपतां.'

– (असली अलंकारीक भास कवीन वापरूं येता समिक्षकान न्हय.)

३) 'एकांकिका आनी कविता बरपान कोंकणीच्या मळार पावल घाल्लो हांव समिक्षेचे हे रिले रेसींत फारावलों आनी फामाद जालों ताची ही गजाल.'

– (समिक्षक हांगा स्वताच आपली फाट थापटून घेता.)

४) 'पुस्तक रुपान हांव कोंकणी अक्षर उतरांच्या बाजारांत पयले प्रथम उतरतां.'

– (कोंकणी अक्षर उतरांचो आनी तोवूय बी बाजार?)

५) ''माधवी सरदेसाय म्हजेकडेन आयलें आनी डॉ. किरण बुडकुले हांचो 'साहित्य नियाळ : अंतरंग आनी कायारूपां' हो नवोताल्ल समिक्षा बरपावळीचो झेलो म्हज्या हातांत दवरून ताणें म्हळें, 'जागा खातीर हाचेर नियाळ बरय.' हांव चक्रावलों. खिणभर रावून हांवें म्हळें, 'समिक्षेची समिक्षा केल्लेवरी जातलें. बोवाळ जावं येता.''

–(कसलो बोवाळ जावं येता? समिक्षेची समिक्षा जावंक शकना अशें समिक्षक कानोळकाराक दिसता काय कितें?)

६) 'कोंकणींतलें पयलें छापून आयिल्लें म्हजें हें समिक्षा बरप. तातुंतल्या 'क्ष'न कोंकणी समिक्षा मळार असो आकांत केलो. कितें आसलें तातूंत? तातूंत आसलें 'क्ष' बाब दिलीप बोरकाराचे भाशेंत सांगचें जाल्यार 'एक्स?'

– (म्हळ्यार दिलीप बोरकारालें 'एक्स' आनी समिक्षक कानोळकाराचो 'क्ष' हें दोनूय एकूच काय कितें? कारण असलीं विधानां वाचून कानोळकार गंभीर समिक्षा बरोवंक सोदता काय 'बोरकारी' हेंच कळना जाता.)

७) 'निमणे, समिक्षेतलो हो 'क्ष' तुमकां उतर दिता की दिल्लें उतर तो पाळटलो, घेतिल्लो वसो उजयतलो.'

– (म्हळ्यार कितें? कसलें उतर ताणें वाचकांक दिलां? आनी हो समिक्षेंतलो 'क्ष' कोण? खरें म्हळ्यार, ह्या 'क्ष'च्या स्वरुपाविशीं ताणी आपल्या मनोगतांत विश्लेषण करूंक

MECHANIZED FARMING

USE MACHINE TO CUT LABOUR COST

Directorate of Agriculture provide subsidy of 75% of the cost for purchase of machinery

Hire charges.
Cut labour cost to increase revenue.
Tractor, Power tiller, Equipments, etc.
Be a progressive farmer.



Contact :
The Zonal Agricultural Officer of your Taluka for approved agency and to work for a suitable design for your field.

Released by
DEPARTMENT OF AGRICULTURE
GOVERNMENT OF GOA
Krishi Bhavan,
Tonca, Caranzalem - Goa.
Phone : 0832- 2465443
FAX : 0832-2465441
E-mail : dir-agri.goa@nic.in

इतिहासीक चंद्रपूर (चांदोर)

गोंयची पयली राजधानी

आज हांव तुमकां कुशावती न्हंयचे तडीर घेवन वतां. हे कुशावती न्हंयचे तडीर वसलां गोंयचें एक पुरातन आनी इतिहासीक शार. साश्ट म्हालांत चांदर नांवाचो आतांचो गांव, पूण होच गांव आदल्या काळार एक व्हड शार आशिल्लें. ह्या शाराक चंद्रपूर, चंद्रवी, चंद्रमंडळ अशीं वेगवेगळीं नांवां आसलीं. गोंयची आदली आनी इतिहासीक राजधानी अशी चांदराची वळख. आदल्या काळांतल्या गोंयच्या व्हड अश्या इतिहासाचो हो गांव गवाय आसा. हांगा शतवाहक, भोज, कोंकण मौर्य, कदंब, बहामनी, विजयनगर हांणी गोंय राज्याचेर शेक गाजयले. तर आतां तुमकां व्हरतां चांदराच्या पुरातन कोटाकडेन. हांगा पुरातत्व विभागाच्या भारताच्या फांट्यान उत्खनन केलें आनी तांकां हांगां विटो मेळ्ळ्यो.

'कोट' हें मूळ उतर कानडी आनी 'कोट्टे' ह्या मूळ कानडी उतरावेल्यान तें 'कोट' अशा रुपान कोंकणींत घोळटा कारण चांदराचेर भोज, कदंब, विजयनगर ह्या कानडी राजवटींचो शेक आसलो आनी हे सुवातेक 'चांदर कोट' अशें म्हणटात. कोटाच्या दरवट्या लागसारा इकराव्या शेंकड्यांतलो मुख नाशिल्लो नंदी कदंबकालीन महादेवाच्या देवळांत दिश्टी पडटा. कदंबाची पयली राजधानी चंद्रपूर.

कदंब राजे षष्ठदेव पयलो, गुहल्लदेव पयलो आनी षष्ठदेव दुसरो हांणी तर थेट चांदरांतल्यान आपलो शेक

चलयलो. पूण जयकेशी पयलो हाणीं चांदरांतल्या आपली राजधानी गोपकपट्टणाक हालयली. चांदराचेर मोहम्मद बीन तुघलकाच्या सैन्यान घुरी घाल्ली. त्याच वेळार कदंब काळांत बांदिल्लें महादेवाचें देवूळ तांणी मोडलां आसतलें असो जाणकारांचो अदमास आसा.

चांदर गांवाविशीं जायत्यो आख्यायिका थंयच्या जाणट्यांकडल्यान आयकूंक येता. तातुंतली एक आख्यायिका अशी, ती म्हळ्यार एके कदंब राजाचे राणयेन तुघलकाची घुरी पडली त्या वेळार कुशावती न्हंयेंत जीव दिलो. तेन्ना चांदरा गांवच्यो सगळ्यो सवाशीण बायलो रांड जावच्यो असो तिणें गांवांतल्या बायलांक शिराप दिलो. अजून मेरेन चांदरचे जाण्टे सांतीयागो ह्या चांदरातल्या एका फातराक उल्लेखून त्या फातराचेर कदंब राणयेच्यो खुणो आसात अशें मानतात. तशेंच त्याच फातराचेर उबी रावन तिणें न्हंयेंत जीव दिलो असो तांचो समज आसा.

चांदर गांवचें आनीक एक खाशेलेंपण म्हळ्यार मुसळ-खेळ.

चांदराचो परंपरेन चलत आयिल्लो क्षत्रीय लोकांचो हो लोकनाच. ह्या नाचांत आमकां चांदर गांवांतल्यान पुराय गोंयांचेर शेक चलयतल्या राजांची झलक पळोवंक मेळटा. ह्या नाचांतल्या गीतांत 'हरीहर' असो उल्लेख आसा. हो राजा विजयनगर राजवटींतलो राजा असो एक जाणकारांचो तर्क आसा.

सोळाव्या शेंकड्यांत चांदर पुर्तुगेजांच्या शेंकातळा आयलें. त्या वेळार हांगां पुर्तुगेजांनी सोबीत देवळांचो नाश करून कपेलां आनी चर्ची आनी ख्रुरीस उबारले. अशे रितीन ह्या गांवांत क्रिस्तीकरणाक सुरवात जाली.

चांदर गांवचें आनीक एक खाशेलेंपण म्हळ्यार ह्या गांवांत भारतीय-पोर्तुगेज माच्यांत बांदिल्लीं भव्य, सोबीत, सुंदर अशीं घरां दिश्टी पडटात. तातुंतलीं मुख्येलपणान सांगूं येतात तीं मिनेझीस ब्रागांझा आनी साराह फर्नांडीस हांचीं पालासी वरी आशिल्लीं घरां. तातुंतल्या साराह फर्नांडीस हांचें घर दोन भागांनी आमी घालूं येता, तातुंतलो सकयलो भाग पुर्तुगेजां आदीं बांदून जाल्लो जाल्यार वयलो मजलो पुर्तुगेज काळांत बांदिल्लो.

साराह फर्नांडीस हांच्या घराफाटल्यान उत्खनन करून हालींच पुरातन असो घराचो भाग दाखयला.

चांदर हो गोंयच्या सुटकेझुजाच्या पयल्या सुटकेझुजारी त्रिस्तांव ब्रागांझा कुन्य हांचो जल्मगांव. तशेंच मिनेझीस ब्रागांझा ह्या खडेगांठ पत्रकाराचोय बी हो जल्मगांव. इतलेंच न्हय तर गोंयच्या सुटकेझुजांत वांटेकार जावपी पयले बायलमनशेचो म्हळ्यार बाय बेर्ता मिनेझीस ब्रागांझा हिचो, तशीच सुटके झुजांतली तिची दुसरी सांगातीण भयण बाय बियात्रीज ब्रागांझा हिचीय बी चांदर ही जल्मभूंय.

चंद्रेश्वर भूतनाथाचें देवूळ जें सध्या पाड्ड्यां आसा तें आदल्या काळार चांदर गांवचोच एक भाग आशिल्लें.

अशी ही गोंयची पयली राजधानी जिचो प्रत्येक फातर इतिहासान बरयल्लो आसा. चांदराचीं कपेलां कितलीं सुंदर तीं आमकां तांचीं बांदावळ पळयल्यारूच दिसता. ही सगळी पोर्तुगेझ काळार बांदिल्लीं. चांदराचे दोंगुल्लेचेर एक कपेल आसा.

चांदरचें वातावरण तुमी पळयत जाल्यार सदांच शांत. कुशावती न्हंयच्या काठार एक धर्मतिरी म्हण जागो आसा. थंयच्यान कदंब राजे गुहल्लदेव पयलो, षष्ठदेव दुसरो सोमनाथाचें दर्शन घेवपाक

आगशीच्या सोमनाथ देवळांत आनी गुजरात-सौराष्ट्राच्या सोमनाथ देवळांत वचपाक व्हडलीं तारवां घेवन वताले. चांदरचो कोट (किल्लो) हो गोंयचो सगळ्यांत पयलो आनी पोरणो किल्लो. ताच्या एका फांट्याक 'कवडी' म्हणटात. कवडी म्हणजे गेट. अजुनय तो भाग आमकां दिसता.

चांदराचो हो मातयेन आनी चिऱ्यांनी बांदिल्लो कोट वाचोवपा खातीर पंचायती कडेन प्रयत्न चलतात. हो कोट कदंब राजांनी बांदिल्लो. ह्या कोटाभायर आसा ती चंद्रपूरची प्राचिन युध्दभूंय आनी हाचो संदर्भ आमकां चांदराच्या फामाद मुसळखेळांत मेळटा. चोल राजांचो युध्द तळ (ाळश्रळींरी ींरींळेप ेष ींहश लहेश्रर ज्ञळपसी) गोतळी वा गुहल्ल तळी जी कदंब राजा गुहल्लदेव पयलो हाच्यावेल्यान आयल्या, बाहमनीलें आवार म्हणजे गोंयचेर मुसलमान राजे राज्य करताले त्या काळचें बाहमनी राजाचो युध्द तळ (ाळश्रळींरी ींरींळेप ेष ींहश चींश्रळा इअक्चअछ्ख घखछ्ऋड), माम्मुरी राजाली टेंबी, वयलें तळें-बांद, जिरें-मिरें, सोतोळें पियाझ्झा खुरीस, चांदराचीं घरां, आदल्यो वाटो चांदराचो तिटो, अशें साबार दायज चांदराक लाबलां. चांदर म्हळ्यार गोंयचें इतिहासीक भांडार. चांदरा रेल्वे लायन आसा. चांदर गांव पाड जावं अशें कदंब राणयेन म्हणलें जेन्ना तिचो घोव युध्दांत तुघलकांनी मारलो. आयचे चांदराचे लोक म्हणटात 'चांदर गांव व्हड जावं.'

– प्रा. प्रजल साखरदांडे
एस-३, बी-३, पुर्वा अपार्टमेंट्स,
मरड, करंझाळें – गोंय.
फोन : ७८७५२४००६९



कावळ्या काक्या रे...

(आमी फाटल्या अंकांत पळयलें काळू घोंटेर करपाक लोखणाच्यो सरयो सोदता आनी एका घराच्या वारांदांत घरची बायल कपडे सुकत घालता ती तो पळयता. कपड्यांचो हँगर काळू फारायता. आतां फुडें....)

काळून हँगर हाडलो. साळूकडेन दिलो. साळून काळूक सांगलें, ''हें पळे! आतां हाची गांठ सोडय. तो सरळ कर. मागीर हाड.''

काळू हँगर घेवन गेलो. एका घराचे गच्चेर वचून बसलो. थंय कोण नासलो. तो सुसेगाद थंय बसलो. ताणें आपले घट चोंचीन तो हँगर उसयलो. ताची सरळ तार कशी जाली.

ती तार घेवन तो साळू म्हऱ्यांत आयलो. साळून आनी काळून मेळून झाडाच्या खाकोळांत तार बरी करून पातळायली. ते तारीची बुनयाद केली. मागीर साळून ताका आनी काडयो, बडयो, वावळ्यो हाडूंक धाडलो.

काळू सोदून सोदून बरिशी बडी हाडटालो. साळू ती बडी बरी करून पळेतालें. पारखितालें. ताका मानवली जाल्यार ती बडी घेतालें. घांसून पुसून निवळ करतालें. घोंटेराचें जोख घेतालें. जाय तितली बडी मोडून घेतालें. उरिल्ली भायर उडयतालें. खंयचीय बडी ताका आवडलीना जाल्यार ती सरळ मोखून भायर मारतालें.

दोगांनीय मेळून बडयो, काडयो आनी वावळ्यो जमयल्यो आनी घोंटेर बांदलो. बरो सोबीत. भितर नाल्लाचो काथो घालो. काथ्याचेर कापूस. थोडीं हेर शेवण्यांचीं पडिल्लीं पाखांय घालीं. मोव मोव गादी केली.

मागीर एकदीस साळून तातूंत तीन हुनसार तांतयां घालीं. साळू तीं तांतयां उबोवंक बसलें.

सोनमोहराच्या झाडासामकार आनी एक रूख आसलो. आंब्याचो. त्या रुखार एक कोगूळ रावतालो. ताचें नांव आसलें सोनू. ताचे बायलेचें नांव भानू.

भानून सोनूक सांगलें,

''हें पळे, म्हजे तांतयां घालपाचे दीस लागीं पावल्यात. तुकां खबर आसा. आमी धर्तरवयले गंधर्व. आमी कलाकार. आमी फक्कत गावपाचें. घोंटेर बांदप, तांतयां उबवप हीं आमचीं कामां न्हय. तेन्ना तूं भायर वच. कावळ्यान खंय घोंटेर बांदला जाल्यार पळे. हांव थंय वचून हळूच तांती घालून येतां.''

सोनून म्हळें, ''तूं हुस्को करूं नाका. हांव पळेतां कितें करचें तें!''

अशें म्हणून सोनू उडून गेलो. तो हेवटेन गेलो. तो तेवटेन गेलो. भोंव भोंव भोंवलो. ताका जिस्तूच काळूलो घोंटेर दिसलो. साळू तांतयां उबोवंक बसलां हेंवय ताणें पळयलें.

ताणें आंब्या रुखार येवन ही गजाल भानूक सांगली. ताणें म्हळें, ''तूं सक्काळीं उठ. हांगाच लिपून बस. फुडलें हांव ज्युस्ताक ज्युस्त करतां.''

''म्हळ्यार तूं कितें करतलो?''

''हांव त्या साळू म्हऱ्यांत बसून आड्डतलों. तें तापार जातलें. म्हजे फाटल्यान धांवत येतलें. तेन्ना तूं थंय वच. तांतीं घाल आनी पळून वच.''

दुसरे दीस सोनू वचून सोनमोहराचेर बसलो. तो पयलीं काळू केन्ना भायर सरून वता ताची वाट पळेत बसलो. काळू जेवण हाडूंक गेलो. तेन्ना सोनू थंय बसून गावंक लागलो. ''कुहू ऽ कुहू!''

कितलोसोच वगत तो गायलो. ताच्या त्या गायनान साळुची तकली लागली दुखूंक.

''पाडापडिल्लो हांगाच येवन गायता. म्हजी तकली खाता. काळूय हांगा ना. आतां कितें करचें?''

साळू चितूंक पडलें. ताणें मात्शी वाट पळेली. कोगूळ गांवचो कसोच थांबना जालो. साळूचें सोंशिकपण सोंपलें. तें सामकें रागान किसळून उठलें. ताणें पांखाटे फुलयले. ''क्यां-क्यां'' करून कोगळाचेर धेंगसो घालो. ताका झडपूंक तें धांवलें. त्या बराबर सोनू फुडें धांवलो. ताचे फाटल्यान साळू. इतल्या बोवाळान भानू आयली. तिणें त्या घोटेरांतलें एक तांतीं भायर उडयलें. ते सुवातेर आपणें तांतीं घालें आनी ती पळून गेली.

साळू बाबडें आयलें परतून आनी तांतयां उबोवंक बसलें.

साळू तांतयां उबोवंक बशिल्लें. मातपसून उठ नासलें. काळू ताका खावपाक हाडून दितालो. मागीर तो ताका सांगतालो ''आगो, असो इतलो वगत कित्याक बसून रावता? मात्शें उठ. अशी पासय मारून यो. एकेच सुवातेर बसून तुजे पांय धरतले.''

साळू कशेंच आयकना जालें. मागीर काळू ताका बळयां उठयतालो. चोंचीन ताका धुकळटालो.

साळू मागीर पांखाटे फुलयतालें. राक्षीणकशी 'क्वॉक क्वॉक' आवाज करतालें. एक अशी भोंवडी मारतालें परथून तांतयांचेर बसतालें.

त्या झाडापोंदा कोणूय मनीस सांवळेक बसतालो. नाजाल्यार भुरगीं क्रिकेट खेळटालीं. तेन्ना साळू तांच्या आंगार धांवून वतालें. तांकां धांवडायतालें. तरीय ताणी आयकलें ना जाल्यार चोंच मारतालें.

भुरग्यांल्यो आवयो भुरग्यांक सांगताल्यो, ''आरे तुमी थंय वचूं नाकात. थंय घोटेरांत कावळीणीन तांतयां घाल्यांत.''

एकदीस तांतयां फुटून तांतल्यान तीन पिलां आयलीं. तांकां उडूंक येनासलें. तांची चोंच कुल्लेच्या दांग्यावरी आसली. तीं आड्डतालीं.

पिलां भकारीं आसलीं. खा खा खातालीं. पूण तांचें पोटूच भरनासलें. काळू खंय खंय वचून खाण घेवन येतालो. केन्ना उश्टें, केन्ना किडे, केन्ना चपाती जाल्यार केन्ना शेवगांठी. साळू तिनूय पिलांची मायेऽन अर्थअपुर्बाय करतालें.

साळून काळूक सांगलें, ''तांतयांचीं कल्लां व्हरून भायर उडय.'' काळू तीं थंयच सकयल उडोवंक सोदतालो. तेन्ना साळून सांगलें, ''आरे थंय कल्लां उडोवं नाकां.''

''कित्याक? कितें जालें?''

''आरे, तीं कल्लां थंय उडयशीत जाल्यार कोणाकूय दिसतलीं. मागीर हाका-ताका कळटलें आमगेर पिलां आसात म्हूण! मागीर तीं पिलां खावंक येवचीं ना?''

''हय मगो! हें म्हज्या लक्षांत आयलेंच ना!''

''म्हूण म्हणटां, हीं कल्लां व्हरून पर खंयतरी उडय.''

एकदीस पावस पडलो. खूब्ब व व्हांवतालें. झाडावांगडा घोंटेर हेवटे तेवटेन धोलतालो.

साळू पिलांक पोटाकुशीक घेव बशिल्लें. वयल्यान ताणें तांचेर पांखां पांगरूण घाल्लें. दोन दीस दोन राती तशें बशिल्लें. पावसांत भिजत. पूण ता पिलांक उदकाचो एक थेंबो लेगी लागचोना हाची जतनाय घेतली.

तिसरे दीस पावस आसरलो. काळू खंय झडपल्लो खबर ना. पिलांय भू विसरून ओग्गी बसून आसलीं बाबडी इतल्यान काळू आयलो. ताणें खूब्ब त्रा घेवन खाण हाडिल्लें. साळून ताक विचारलें, ''इतल्या पावसांत तुकां हें खाण खंय मेळ्ळें?''

''आगो, तूंच म्हणटालें न्हय, कितें खावंक मेळ्ळें जाल्यार सगळें खावचें न्हय. भितरलें थोडें तरी दुसऱ्य दिसाखातीर दवरचें? म्हूण हांवें थोडें खाण खंयच्या खंयच्या खांचीनी लिपोवन दवरिल्लें. तेंच आयज उपकरा पडलें.''

अशे तरेन पिलां दिशींमाशीं वाडटालीं.

साळून व्हडल्या पिलाचें नांव दवरलें निळू. दुसऱ्या पिलाचें नांव दवरलें रवळू आनी तिसऱ्याचें नांव दवरलें बाळू.

काळू खावपाक हाडूंक पयस पयस वतालो. बऱ्या, वायट, कठीण प्रसंगांतल्यान तांची पोसवण करतालो. आपूण दीसरात कश्ट करतालो. पूण पिलांक कांयच उणें पडूंक दिनासलो.

पिलां मात्शीं व्हड जालीं. साळूय भायर वचूंक लागलें. पूण तें चड पयस वचनासलें. थंयचे थंय भोंवतालें. पूण ताचें सगळें लक्ष पिलांकडेन आसतालें. साळू भायर सरून वतना सांगतालें,

''हांव भायर सरून वतां. तुमकां खावंक हाडटां. हांव येतासर घोटेरांत बसून रावात. आनी मस्ती करूं नाकात. आनी निळू, तूं मात्सो व्हड. ह्या रवळूक आनी बाळूक सांबाळ. हो रवळू मात्सो मस्तो. आपल्या वाद्याचो. तेन्ना ताका भायर वचूंक दिवं नाका. हांव रोकडेंच येतां.''

निळू बाबडो त्या दोगांकूय सांबाळटालो.

अशे तरेन तीं तिगांय भावंडां बरे तरेन मायेमोगान ल्हवू ल्हवू व्हड जातालीं.

एक दीस निळूक फुटलीं पाखां. साळून काळूक सांगलें, ''हें पळे, निळू आतां व्हड जालो. ताका उडूंक शिकय.''

रवळून आनी बाळून हें आयकलें. ताणी म्हळें, ''आमीय उडूंक शिकतले.''

मागीर आवयन तांकां सांगलें, ''आरे, तुमी अजून सान आसात. तुमकां अजून पाखां फुटलीं नात. तुमकां पाखां फुटलीं काय तुमकांय उडचेंच पडटलें.''

काळून मागीर निळूक उडूंक शिकोवचो दीस थारायलो. निळू गेलो शेजरा. ताणें शेजाऱ्यांक सांगलें. ताणें सोयऱ्या-धायऱ्यांक सांगलें. ''तुमी सगळे आमच्या झाडार येयात. निळूक उडूंक शिकोवया.''

दुसरे दीस सकाळीं सकाळीं सगळे कावळे काळूल्या घोंटेरा सामकार जमले. पयलीं ते ओग्गी बसले. मागीर ताणी कांव कांव केलें. तेन्ना निळू घोंटेराभायर आयलो. ताणें हेवटेन पळेलें. ताणें तेवटेन पळेलें. ताका सगळे वटेन कावळेच कावळे दिसले.

निळूक बरें दिसलें. तो मात्सो मुखार गेलो. पयलीं तो मात्सो लकलो. ताका पडटा काय जालें. तो पडलो ना. हवेंतल्यान मुखार गेलो. ताणें झाडाची खांदी घट्ट धरली. ''कांव! कांव!! कांव!!! शाबास निळू!'' सगळ्या कावळ्यांनी ताका येवकार दिलो.

निळू बरो मुखार गेलो. फाटल्यान सगळे कावळे.

मदींच एक घोण आयली. त्या बराबर सगळे कावळे चवताळ्ळे. ती घोण निळूक व्हरूंक सोदताली. सगळ्या कावळ्यांनी मेळून तिका धांवडायली. निळुचेर आकांत आयलो. तो पांखाटो तुटसर धांवलो. मदीं खंयच थांबनासतना. घोंटेरांत येवन लिपलो. ताचें हड्डें धडधडटालें.

घोणीक धांवडावन सगळे कावळे परतून आयले. ताणी निळू जमनीर पडला काय पळयलो.

निळू ना. ते भिले. ताणी निळूक झाडार सोदलो. ताणी निळू जमनीर पडला काय पळयलो.

''निळू, ए निळूऽ'' सगळ्यांनी ताका उलो मारलो.

''हांव घोंटेरांत आसां.'' निळून तकली वयर करून सांगलें. निळूक पळोवन सगळ्यांक सूऽ जालें. मागीर कावळे आपआपल्या कामाक गेले.

साळून निळूक विचारलें, ''कितें जालें रे?''

निळून सांगलें, ''बाप्पापरस व्हड एक कावळो आयलो. ताणें म्हजेर झोपय घाली. हांव धाडवलों. मागीर हेर कावळ्यांनी ताका धांवडायलो.''

''बरें म्हणून बरें मरे! म्हजो शाणो तो! तुजेर झोंपय घाली तो कावळो न्हय. तिका घोण म्हणटात. पळेलें मरे रवळू आनी बाळू? तुमी आनी घोंटेरांतल्यान भायर येवं नाकात. निळूलीं पाखां आशिल्ल्यान तो उडून परतो आयलो. तुमी कितें करपाचे?''

रवळू आनी बाळूली भिवन गुळी जाली. ते दोगूय साळूल्या पांखांपोंदा वचून लिपले. बाळून आवयक सांगलें.

''सांगाताक कोण आसले बगर हांव केन्नाच भायर सरचो ना.''

''शाणो तो म्हजो पोर!'' अशें म्हणून साळून बाळूक एक किडो खावंक दिलो.

(चलता....)

– शीला कोळंबकार
मुंबय.
फोन : ०९८१९३१५३०७

बारा म्हयने

(बोहेमियन लोकांकाणी)



बोहेमियाच्या दोंगराळ भागांतल्या एका खेड्यांत एक जाण्टी बायल आपली धूव आनी सवत धुवेवांगडा रावताली. सवत धुवेचें नांव आशिल्लें जाना. आपले सख्खे धुवेचेर ती पिशांबशेन उपाट मोग करताली. पूण बाबडी जाना! सवत आवय खातीर कितलें करताली, पूण तिका खोशी दवरूंक शकनाशिल्ली.

ते जाण्टे बायलेची धूव दीसभर आळशीपणान पिसांचे गादयेर लोळत, म्होंवाचे केक खायत पडटाली, पूण जाना बाबडें रानांत वचून लाकडां हाडटालें, बांयचें उदक काडटालें, दोंगरार, वझ्यार वचून कपडे उमळटालें, झाडांक उदक घालतालें. सगळें सगळें करतालें. हाकाच लागून शिंयाळ्यांतले बर्फ, गिमांतलो सूर्य, वसंतांतलो नाजूक वारो आनी पानझडी उपरांतचो पावस सगळ्यांचो तिका पुराय अणभव आसलो.

आनी ताकाच लागून दिसता की तिका वर्साचे बाराय म्हयने एकाच वांगडा मेळ्ळे.

एकदां जालें कितें, जानेवारी म्हयनो आशिल्लो आनी कडाक्याचें शीं पडिल्लें. बर्फाचो इतलो दाट थर जाल्लो की रस्त्यावेल्यान खोरें घेवन तो कुशीक काडलेबगर घरांतल्यान भायर सरूंक मेळनाशिल्लें. वयर दोंगरार तर फर आनी पाइन्साचीं झाडां कमरामेरेन बर्फांत पुरवल्लीं आनी ताका लागून वारो तांचेमदीं शिळोण्यो घालीत व्हांवलो तरी पान लेगीत हालनाशिल्लें. पुराय खेड्यांतलो लोक घरांनी शेकोट्यो पेटोवन गुडूप भितर राविल्ले.

मदींच जानाची आवय दार उगडून जानाचे कुडींत आयली आनी सामके क्रूर नदरेन तिका म्हणपाक लागली, ''पयलीं रानांत वच आनी स्नोड्रॉपचीं फुलां घेवन यो. तुजे भयणीचो फाल्यां वाडदीस आसा.''

जानाक आयकून अजाप ज
इतल्या कडाक्याच्या शिंयांत अ
काळखे रातीं सवत आवय कशी
म्हाका धाडूंक तयार जाल्या? आनी र
कितलेच भितर हांव गेलें म्हणून
जानेवारी म्हयन्यांत आनी थंडेते
स्नोड्रॉप्साचीं फुलां खंय मेळटलीं? ती
मार्चांत जातात! जाना येवजीत रावले

ताची सवत भयण तर आनी
कुच्छित्रपणान उलोवंक लागलें. ''
वच रानांत. तूं थंय शेणलें लेगीत जाल
कोण तुजेखातीर रडपाचो ना. हो घे पां
आनी तो स्नोड्रॉप्सान पुराय भरल्या ब
घरा तोंड दाखोवं नाका.''

जानाच्या बाबड्याच्या दोळ्यांतल
घळघळीत दुकां आयलीं. तसोच त
आपणालो एक माथ्याक बांदपाचो पिंद
स्कार्फ काडलो आनी तो खांदार उडय
आनी सुळसुळीत निसरड्या बर्फावेल्य
चलत रावलें रानाचे वाटेर! वारें तर अ
व्हांवतालें की ताच्या दोळ्यांचेर भुरभु
बर्फ पडत आशिल्लें आनी तें ताच
पिंदकऱ्या कोटांतल्यान शिरशिरत वता
पूण तरी लेगीत तें आडखळत, निस
बर्फावेल्यान चलत रावलें. वयर सामक
काळखी रात पातळत आशिल्ली आ
पायांमुळां धवेंफुल्ल बर्फ. चलतचलत
रानाच्या इतलें भितर पावलें जंय सामक
काळोख आशिल्लो जाका लागून ताव
स्वत:चे हात लेगीत दिसना जाले. थंडे
आनी भंयान तें सामकें गोठेवन गेलें. एक
झाडामुळांत लागींलागीं कोसळ्लें
आपल्या नशिबांत कितें घडचें आ
म्हणपाची वाट पळेयत रावलें.

इतल्यान ताका अचकीत झाडांमदीं उजवाडाचें एक किर्ण दिसलें. जणुकाय ह्या झाडांमदीं एक नखेत्र फारकल्लें. पयलीं ताका दिसलें, आपल्याक भास जाला आसतलो म्हूण! पूण मागीर तें होळुहोळू उजवाडाच्या किर्णाचे दिकेन चलपाक लागलें. ''हांव त्या उजवाडा म्हऱ्यांत पाव म्हणसर तो उरल्यार पुरो'' जानान मनांतल्या मनांत देवाकडेन मागलें.

आनी तिचें म्हणणें देवान आयकलेंय बी. ती म्हऱ्यांत पावता तितली उज्याची जोत चड चकचकीत दिसूंक लागली. तें नखेत्र नाशिल्लें, ती आशिल्ली शेकोटी, तिच्या धुंवराचो वास पसरिल्लो आनी लाकडां जळिल्लो आवाज येतालो. शेकोटेच्या भोंवतणी कांय मनीस बशिल्ले. ते एकमेकांकडेन ल्हवू आवाजांत उलयताले. तांतले थोडे शेकोटेक लागीं, थोडे मात्शे पयस जाल्यार थोडे सामके पयस बशिल्ले.

जाना तांका पळोवन अजापीत जालें, कोण आसत काय हे? ते शिकारी वा लांकडां तोडपी खात्रीन नाशिल्ले. तांणीं तर म्हारग म्हारग कपडे घाल्ले. कांय जाणांचे कपडे रूप्याचे, कांय जाणांचे भांगराचे, कांय जाणांचे पांचूंचे तर कांय जाणांचे हडवे मखमली कपडे आशिल्ले.

परतून तिणें तांका एकदां सारके पळयलें. तातुंतले तीग जाण जाण्टे आशिल्ले, तीन मध्यम पिरायेचे, तीन तरनाटे जाल्यार तीग जाण भुरगे आशिल्ले. वट्ट बाराजाण - बारा म्हयने!

तेन्नाच तांचे भितरलो जो सगळ्यांत उंच, जाण्टेलो आनी लांब खाडाचो आनी दाट भोंवयांचो आशिल्लो तो वळ्ळो आनी ताची नदर सरळ जानाक भिडली. जाना सामकें भियेवन गेलें. तें पळून वचूंक सोदतालें पूण तें शक्य नाशिल्लें.

एखाद्रे बंदुकींतल्यान गुळयो सुट्टकच येता तशा आवाजान त्या जाण्ट्या मनशान जानाक विचारलें, ''तूं खंयच्यान आयलां आनी तूं कित्याक आयलां?''

जानान आपलो पांटलो दाखयलो आनी म्हणलें, ''म्हाका हो पांटलोभर स्नोड्रॉप्स फुलां एकठांय करूंक जाय.''

तो जाण्टेलो गडगडाटा भशेन हांसूंक लागलो. ताचो हांसो रानभर पातळ्ळो. ''स्नोड्रॉप्स, आनी जानेवारींत? बाय तूं न्हिदेंत तर ना मगो?''

''म्हजे सवत आवयन हीं फुलां हाडूंक धाडलां म्हाका.'' जानान ल्हव आवाजांत म्हणलें ''आनी तीं फुलां घेतल्या शिवाय येवं नाका म्हणलां म्हाका''

हें आयकनाफुडें बाराय म्हयने तिचे वाटेन वळ्ळे आनी एकमेकाकडेन वळून फुतफुतपाक लागले.

जानान आयकुपाचो कितलो यत्न केलो पूण तांचो शब्दूय तिच्या कानार पडना जालो आनी तांची भासूय कळना जाली. झाडां जोरान हालचीं आनी वाऱ्यान शिळोणी घालची अशे ते उलयताले. निमाणे थंयचें वातावरण शांत जालें.

मागीर तो जाण्टेलो परतून जानाकडेन उलोवपाक लागलो, ''पूण बाय, तुका समजा स्नोड्रॉप्स मेळ्ळीं ना जाल्यार तूं कितें करतलें?''

''हांव हांगाच मार्च म्हयनो लाग म्हणसर रानांत रावतलें. हांगाच थंडेन कुडकुडून मरप परवडलें पूण स्नोड्रॉप्स घेतले बगर घरा वचप नाका.'' अशें म्हणून जाना रडूंक लागलें.

त्या बारांपैकीं सगळ्यांत धाकटो जो आनंदीत दिसतालो, तो उठलो आनी त्या जाण्टेल्या म्हऱ्यांत आयलो. ''जानेवारी दादा, हांव तुजेकडेन प्रार्थना करतां. म्हाका तुजो जागो एका वराखातीर दिता?''

जाण्टेलो विचार करीत खाडावयल्यान हात फिरयत म्हणपाक लागलो, ''भावा मार्च, हांव आनंदान तुका म्हजो जागो एक वराखातीर दितलों आशिल्लों पूण तूं जाणा फेब्रुवारी म्हयनो आयल्या शिवाय मार्च येवंक शकना.''

''मागीर फेब्रुवारीकूय येवंदी तर'' बारा म्हयन्यांपैकी एक दाट दाट पिकिल्ल्या खाडाचो म्हयनो म्हणपाक लागलो.

''तशें जाल्यार म्हजी कांय हरकत ना.'' जानेवारीन म्हणलें.

''तशें आमी ह्या बायक सगळे जाण वळखतात. ती आमका बर्फाच्या तेपाक तो खणून वाट करतना मेळटा आनी रानांत वचून लाकडांय पुंजायतना मेळटा. तिची सगळ्या रुतूंकडेन इश्टागत आसा. आमी सगळ्यांनी मेळून तिका जाता तितली मजत करूंक जाय.'' बाकीचेय म्हयने म्हणूंक लागले.

''बरें आसा तर'' अशें म्हणून जानेवारीन आपल्या हातांतली झेलाची बडी जमनीर आपटीली आनी म्हणूंक लागलो,

''बर्फा ओ बर्फा, झेलाच्या राजा

वितळाय मात्शें तुज्या झेलाच्या काळजा

सोडय बेगीन तुजें बर्फाळ बंधन

मेकळी जावंदी धर्तरी बर्फापासून

फाफडून आंगावेली बर्फाळ किनार

गोठील्ल्या बर्फा आराम कर

घटमूट कर फर आनी पाईन

जानेवारी आयलो फेब्रुवारीक शरण

जाण्टेल्यान अशें म्हणनाफुडें अचकीत रान शांत जालें. बर्फ पांगुरिल्लीं झाडां करकरपाचीं थांबलीं आनी व्हड व्हड कपच्यांनी बर्फ सकयल पडूंक लागलें.

आपल्या हातांतली बडी फेब्रुवारीकडेन सोपयत जानेवारीन ताका म्हणलें, ''भावा, आतां थोड्या वेळाक तुजें राज्य.''

फेब्रुवारीनूय आपल्या हातांतली बडी जमनीर आपटूत जोरान म्हणलें,

वाऱ्या तुफाना, पावसा, वादळा

पुराय शक्तीन जमनीर कोसळा

झेलाच्या वादळा आनी गारांच्या पावसा

सगळो राग रातचो बरसा

बर्फाच्या तळ्यार तुमचो नांगर चलयात

जमनीवेल्या वादळी वाऱ्याक धांवडावन लायात

फेब्रुवारीन अशें म्हणनाफुडें थंड, चेतना नाशिल्ल्या वाऱ्यान झाडां-फांदयावयलो झेल पुराय बडोवन काडलो. धवो फुल्ल झेल वाटकुळो वाटकुळो गरगर जमनीर फिरूंक लागलो.

फेब्रुवारीन आपल्या हातांतली बर्फाची बडी धाकटो भाव मार्चच्या हातांत सोपयली आनी ताका म्हणलें, ''भावा मार्चा, आतां फुडलें तूं पळोवन घे.''

खुशालभरीत मार्चान ती बडी हातांत घेवन जमनीर आपटीली आनी जाना अजापान पळेतूच रावलें. ताणें पळेलें ती बडी आतां बर्फाची बडी अजिबात नाशिल्ली. ती आशिल्ली एक पुराय सुंदर कळयांनी भरिल्ली झाडाची फांदी.

मार्च उमेदीन आनी खोशयेन गावंक लागलो,

वितळणाऱ्या वझऱ्यांनों आनंदान गायात

उदकांतल्या भोंवऱ्यांनो चकचकात

मुयांनो जाग्यो जायात, सोडात तुमचे कोनशे

क्रूर शिंयाळो गेलो

पक्षांनो येयात, गायात तुमचीं गितां

काडून उडयात तुमची उदासीनता

वांस्वेलांनो, खारींनो, येयात नाचात

आनी कवळीं स्नोड्रॉप्स फुलूंक लागात

जाना तर तोंडात बोटां घालून पळ रावलें. बर्फाचीं व्हड व्हड तेमकां खंय? दरेक झाडार हुमकळपी बर्फाचे गेले खंय? पायांपोंदा पळेत जा बर्फाचें नांवूच ना. सुंदर माती पांचवेंचार धतरिर सामकें चैतन्य आ कोमऱ्यो, आंकऱ्यो, फुलां, सगळोच आयिल्लो. वसंता बरोबर सगळे प जनावरां खुशालभरीत जाल्लीं.

''बेगीन कर.'' मार्चान तिका सां ''आमच्या भावांनीं सगळें मेळून वरभ दिलां म्हाका.''

जाना बेगीबेगीन फुलां पुंजाव धांवलें. धर्तरी तर स्नोड्रॉप्सांनी भरिल झोंपांनीं, फातरांमुळां, दोंगुल्यां तणाचेर, तिची नदर वता वता स्नोड्रॉप्स. तिणें एक पांटलोभर फु पुंजायलीं आनी ती रानांतल्या त्या मेक जाग्याकडेन धांवली. जंय बाराय भ शेकोटी पेटोवन बशिल्ले. पूण ती पावता म्हणसर थंय शेकोटीय नाशिल आनी ते बारा भावूय!

मळबांत तसो थोडो उजव आशिल्लो. येदोळच्या इतलो न्हय पुनवेचो चंद्रीम होळुहोळू वयर सरताल

जानाक खूब वायट दिसलें आपणाक बाराय भावांचे उपकार आठोवंक मेळ्ळे म्हणून. तें तशेंच फुलांचो पांटलो घेवन धांवलें. ताचे पांय ओल्या चिकचिकी फातरांवयल्यान लागींलागीं निसरतच म्हण तशे तें आपले लाकडी खोपींत पावलें. खोपींत पावलां मात, रोखडोच थंडगार व व्हावंक लागलो आनी चंद्रिमय काळ कुमांआड नाच्च जालो.

''इतले बेगीन तूं घरा कित्याक आयलें?'' सवत भयण आनी सवत आवय दोगांय जाणां एकाच वांगडा आड्डलीं. ''आनी स्नोड्रॉप्स खंय आसात?''

जाना कांयच उलयलें ना. ताणें फुलांचो पाटलो उखल्लो आनी मेजार स्नोड्रॉप्स शिंवरायलीं.

सवत आवय आनी सवत भयण दोगांयचो आपल्या दोळ्यांचेर विश्वासूच बसना जालो.

''खंयसून हाडलीं हीं फुलां तुवें?'' दोगांयनी एकाचवेळार विचारलें.

जानान तांकां घडिल्ली सगळी गजाल सांगली. दोगांय जाणांनीं मोन्यांनी तकली हालयत ती आयकली. मेजभर स्नोड्रॉप्स पातळिल्लीं. सोबीत, माणकुलीं, नाजूक स्नोड्रॉप्स आनी तांच्या परमळा वांगडा जणूकाय वसंतरूतूच भितर कुडींत आयिल्लो.

''आनी कितें कितें दिलें तुका बारा म्हयन्यांनी?'' सवत आवयन विचारलें.

''हांवें आनी कांयच मागलें ना.'' जानान नमळायेन सांगलें.

''तूं म्हणचे सामके मूर्ख'' सवत भयणीन हिणसायलें. ''एक तर हे बाराय म्हयने कोणा मनशाक दिश्टी पडनात. आनी दिसचे दिसून तुवें कितें मागलें तर फकत स्नोड्रॉप्स! तुज्या जाग्यार हांव आशिल्लें जाल्यार ऑक्टोबराकडसून रसाळ रसाळ सफरचंदा आनी पिअर्स, जुलैकडल्यान स्ट्रॉबेरी, सप्टेंबराकडल्यान धवीं अळमी, मे कडल्यान ताज्यो ताज्यो पिपऱ्यो मागतलें आशिल्लें.''

''कितलें हुशार म्हजें बाय.'' जानाची सवत आवय म्हणपाक लागली. ''थंडेच्या तेंपार स्ट्रॉबेरी आनी पियर्सांचो वालोर तांच्या वजनाच्या भांगरा इतलो आसता आनी हें मूर्ख चली फकत स्नोड्रॉप्स घेवन आयलां. म्हजे बाय चल. थंडेखातीर कितेंय बरोसो फरकोट घे आनी बेगीन जाना सांगता तशें रानांतले मेकळे सुवातेर वच. बारा म्हयने तुका फकत फुलां दिवन फटोवंचे नात.''

''नाच फटोवंचे म्हाका'' सवतभयणीन म्हणलें आनी आंगार एक फरकोट चडयलो आनी माथ्याक स्कार्फ बांदलो.

बेगीबेगीन आपले लाकडी खोपींतल्यान तें भायर सरलें आनी जानाच्या पावलांच्या खुणेच्या मार्गार चलपाक लागलें. भायर रानांत गुप्प काळोख आशिल्लो. रात सामकी शिंयान कुडकुडिल्ली, कुपां काळींकुट्ट दिसतालीं आनी वाऱ्याक लागून जाल्ल्या बर्फाच्यो दोंगुल्ल्यो चारूय वटांनी उंचउंच जायत वताल्यो.

जानाची सवतभयण भायलें दृश्य पळोवन भियेलें आनी पिरंगूंक लागलें, ''हाय सायबा, असल्या कुडकुड्याच्या आनी काळखे रातीं हांव ओगीच भायर सरलें. ह्या वेळार हे थंडेन गोठेवंचे परस हांव काय बरें उबदार पांगरूण घेवन म्हजे बाज्जेर न्हिदपाचें! हांव खात्रीन घरा वचपाची वाट विसरतलेंशें दिसता.''

असो विचार मनांत येता म्हणसर ताका पयस झाडांमदीं फुकफुकोसो उजवाड दिश्टी पडलो. बर्फांतल्यान वाट काडीत काडीत तें त्या उजवाडाचे दिकेन चलत रावलें आनी शेवटाक उजवाडा म्हऱ्यांत पावलें. पळेत जाल्यार थंय मदीं व्हड शेकोटी पेटयिल्ली. बाराजाण ल्हव आवाजांत एकमेकांकडेन उलयताले.

जानाली सवत भयण तांकां अजिबात आदर दाखय नासतना वा शुभेच्छा परगटायनासतना सरळ उज्या म्हऱ्यांत गेलें आनी आपले गोठेल्ले हात पांय शेकूंक लागलें.

बाराय म्हयने ओग्गी जाले.

थोड्या वेळान जानेवारी म्हयन्यान आपली बडी जमनीर आपटीली आनी विचारलें, ''तूं कोण?''

''आतांच हांगा म्हजी भयण येवन गेली. ताच्या पावलांच्या खुणांवेल्यान हांव हांगामेरेन पावलें. तुमी तिका पांटलोभर स्नोड्रॉप्स दिल्यात न्हय?'' ताणें विचारलें.

''आमी तुजे भयणीक वळखतात.'' जानेवारीन सांगलें. ''पूण तुका आमी केन्नाच पळोवंक ना. तुजें हांगा कितें काम आसा?''

''हांव तुमचेकडल्यान कितें कितें भेटो व्हरपाक हांगा आयलां.'' चलयेन मोटे धिटायेन सांगलें, म्हाका जुलैकडसून स्ट्रॉबेरीज जाय, ल्हान बीन न्हय आं. जाता तितल्यो व्हडल्यो जाय. खेरीत ऑगस्टाकडल्यान हेझलनट, सप्टेंबराकडल्यान धवींफुल्ल अळमी, ऑक्टोबरा कडल्यान.....''

''राव राव.. एकाच फावटीं इतल्यो वस्तू मागू नाका.'' जानेवारीन तिका मदींच थांबयली. गीम केन्ना वसंत रूतू पयलीं

येना आनी वसंतरूतू थंडेपयलीं येना. जुलै येता म्हणसर खूब तेप आसा आनी सद्या रूतूंचेर म्हजें राज्य चलता आनी तें हांव सारके ३१ दीस पुराय जाय म्हणसर करतलों.''

''देवा म्हज्या! कसलो रे खडूस जाण्टेलो तूं?'' जानाची सवत भयण म्हणूंक लागली. ''तें सोड. हांव काय तुजेकडेन कितेंच मागूंक येवंक ना. तुजेकडेन झेल आनी शीं सोडून आसाच कितें दिवपाक? म्हाका सगळे गिमांतले म्हयने जाय.''

जानेवारी सामको रागान उसळ्ळो, ''मागीर घे तर तुका थंडेच्या तेंपार गीम.'' आपल्या लांब हातांच्या ल्हारांनी ताणें बर्फाचें व्हड आनी भयानक वादळ उप्रासायलें. जाका लागून रानांत तो मातसो मेकळो जागो आशिल्लो तो लेगीत बर्फाच्या वादळाच्या तडाख्यांत सांपडलो. शेकोटेचो जो उजवाड येतालो तो तर सामकोच पालवल्लो. आतां फकत ज्वाळो पालवताना भिरांकूळ, रागीश्ट आवाज येतालो.

जानाली सवत भयण सामकी थरथरली. ''हें वादळ थांबय. तुमी सगळे जाण खंय आसात?'' तें विचारपाक लागलें. ह्या बर्फाच्या वादळाच्या चपक्यांत तेंय सांपडिल्लें. दोळ्यांमुखार ताका कांयच दिसना जालें आनी ताचो स्वासूच घुसमटूंक लागलो. भियेवन तें धावंक लागलें. पूण एका बर्फाचे दोंगुल्लेक आपटलें आनी बर्फान ताका पुराय गिळ्ळें.

हेवटेन ताची आवय झोपडेच्या दारांतूच ताची वाट पळेत आशिल्ली आपली धूव दिसता काय म्हणून. निमणें तिच्यान आनी रावं नज जालें. तिणें आपले थंडेखातीरचे कपडे चडयले आनी बेगबेगीन रानाचे वाटेन चलपाक लागली. रानांत भितर वता वता तशी तोंडान ह्या तुफानाक गाळी घालीत रावली. शे तीवय ह्या वादळाचीच बळी जाली.

जाना मात तेच झोपडेंत आनं आनी बरे तरेन ल्हानाचें व्हड जालें. त लग्न जालें आनी बरे तरेन संवसार जा लोक अशें म्हणटाले की ताचे झो भोंवतणी संवसारांतली सगळ्यांत सु बाग आशिल्ली, जातूंत बाराय म्ह एकाच वेळा गुलाब जाताले, बे पिकताल्यो आनी सफरचंदां आनी पिच बी.

'जानाच्या घरा बाराय म्हयने एक वांगडा येतात' लोक तोखेताले.

■■

– शुभांगी नगर्सेक
'हर्ष
मांगूर ही
वास्को-द-गाम

रावंस पावलो दुबय



(फीनान सुळूकाक आखखो म्हालदर्या भोंवडावन दाखोवपाचें थारायलें आनी ताका आपले फाटीर घेतलो. कारण इतलेंच की सुळूक चुकून कोणाचे भकीक पडचो न्हय. आतां फुडें...)

सुळुकाक फीनाचे फाटीर मजाच दिसली. फीनान ताका आपले फाटीर पडून राव अशें सांगिल्लें तेन्ना सुळुकाक तें व्हडलेंशें मानवलें ना. आपूण हांगा आयलां तो समस्त जलचरांचे राखणेचो संकल्प करूनच. ते खातीर हेरांचेर आपलो भार पडूंक दिवप ना अशेंय ताणें थारायल्लें. जर हो वावर आपल्याकडेन सारको पेललोना जाल्यार तो माथ्यार मारपांत अर्थ ना, आपणें तो सोडून परत आपले आवयकडेन जुवारी न्हंयत वचून किडी-जीव खावचे अशे शे ताचे विचार आशिल्ले. आपूण जें कितें करूंक भायर सरलां तें फकत आपल्या नाड्यार, हेरांच्या जिवार न्हय. मदीं खंयीय गरज पडली तर अवश्य मजत घेवची. पूण हेरांचेर वजें घालून खंयचीच चळवळ करप सुळुकाक मान्य नाशिल्लें.

पूण फीन ताचो मित्र जाल्लो. फीनान सुळुकाच्यो मर्यादा वळखल्ल्यो. म्हालदर्यांत भितर सरचे आदीं ताका म्हालदर्याची कल्पना नाशिल्ली म्हणपाचें ताणें वळखल्लें. आपूण अरबी म्हालदर्यांत भितर मेरेन वचूंक शकतां, उदका पोंदा सामको खरायेकूय वचूंक शकतां तसो हो न्हंयची सवंकळ आशिल्लो सुळूक करूंक शकना हाची कल्पना ताका आशिल्ली. पिशेपणां करून गेलोच मुखार जाल्यार कोणाचे भकीक केन्ना पडत हेंय सांगू येना आशिल्लें.

फीन हो नावानूच फीन नाशिल्लो. करण्यानीय फीन आशिल्लो. डॉल्फीन घराण्यांतले सगळे गूण ताच्या आंगांत आशिल्ले. तो हुशार आशिल्लोच ते भायर खूऽब मायेस्त आशिल्लो.

हो सुळूक म्हण आमच्याच नुस्तें जातींतलो जो कोण आयला तो हुतहुतो. ताचें हें धाडस भुरगेपणांतल्यान आयलां. पूण ताचो उद्देश्य मात खूब व्हडलो आसा. आमी आंगा-पांगान येदे लांबरूंद आसात, आमच्यो तकल्यो सगळेकडेन चलतात अशें आमी मानले तरी ती फकत आपलेंच पोट भरूंक आमी वापरतात म्हणपाचें तो जाणां आशिल्लो. आयज पयलेच खेप नुस्तें जातींतलो एक माणकुलो जीव आपलो जीव धोक्यांत घालून संपूर्ण नुस्तें जातीच्या संरक्षणाच्या हावेसान न्हंय सोडून म्हालदर्यांत आयिल्लो. ताचीं तीं पिशेपणां आशिल्लीं तरीय हेतू शाणेपणाचो आशिल्लो. तेच पासत फीनान सुळुकाक सलाम केल्लो.

म्हालदर्यांत फीनान आपले परस व्हडले व्हडले आपले बांधव पळयल्ले. तांची



शक्तूय ताका पुरायेन खबर आशिल्ली. शार्क, व्हेलशार्क, देवमासो बी नुस्तेंसमाजांतले सगळ्यांत व्हडले आनी शक्तीमान. तांका जाय जाल्यार सगळ्यांनी एकठांय येवन दुस्मानाचेर हल्लो करून तांका धांवडावन घालूं येतालें. व्हडल्यो व्हडल्यो पातमाऱ्यो, तारवां घेवन येवन आमचे जातीचो संहार करपा वांगडाच विखाळ रसायनां, तेल आनी कितें कितें सोडटात आनी आमच्या जिविताचीच वाट लायतात असल्यांक आयल्या बराबर धांवडावन घालूं येतालें. पूण कोणाकूच पडून गेल्लें नाशिल्लें. तरी व्हेलशार्क मदींमदीं उदकांत सांपडिल्ल्या दुस्मानाक मटक करतालो. पूण इतल्यार दुस्मानापासून नुस्तें जातीची, तांच्या दर्याची राखण जावप शक्य नाशिल्लें.

फीन सुळुकाक फाटीर मारून भोंवतालो. वांटेर जें कितें नुस्तें मेळटा ताची वळख करून दितालो. आयुश्यांत केन्नाच पळोवंक ना असले कितले तरी भावबंद सुळुकाक पळोवंक गावल्ले. तांचे ते नाना रंग, तरांतरांचे आकार, रूपां पळोवन सुळूक केन्ना अजापतालो, केन्ना भियेतालो तर केन्ना आपलेच भितर हांसतालो.

सुळुकान ताल्ले, बांगडे, वेल्ल्यो, खापी, मुड्डोशी, कापसाळीं, पालू, दोडयारो, मांदेली, पेडवो, लेपो बी खूबदां पळयल्लें. हांच्या भायर आनी कोण आसत म्हणपाची ताका कल्पना नाशिल्ली. पूण आता म्हालदर्यांत ताणें प्रवेश केला मात ताका कितल्याऽ जातीचीं नुस्तीं पळोवंक मेळिल्लीं. बाम पळयल्लो, किलीस, बाळो, तोंकी, घोडोमांसो, चिरी, हेकरू, लडगू, घोळ, कोंबडो, काळुंदर कितें म्हूण ना. सुळूक सामको अजापीत जाल्लो. फीनाचे फाटीर गोल गोल फिरत तो सगळयांक पळयतालो. दोळे मिचकायतालो. ताका दोळ्यांच्यो पापण्यो नाशिल्ल्यान ताचे दोळे मिचकावप म्हळ्यार एक मजेचोच विशय आशिल्लो. हां! तो गरज तेन्ना आपल्याचो शेपाडो, आपल्याचीं पाखां हालोवन हेरांक सलाम करतालो.

फीनान अकस्मात ताका सामको खोल खोल व्हेलो. सुळूक पयलीं मात्सो भियेलो. फीनाचे फाटी वेल्यान घसरलोय बी. पूण बेगीबेगीन ताणें आपलें पोट घट्ट फीनाचे फाटीक तेंकयलें. उदकांत इतले पोंदा तो पयलेच खेप वतालो. नाय म्हळ्यार तो जुवारी न्हंयत आपले गांव न्हंयेंत एकदां सामको पोंदा गेल्लो. पूण थंय घुसु दुस्मानानी मीन म्हणटा ती माती उडो न्हंयचो तळ पुरोवन उडयल्लो. दिसान दी तो पुरवत आशिल्लो. तांकां कोणाकू थंय वचून शेळो बी खावंक मेळनाशिल्ल कांय जाणांनी यत्न केल्लो तेन्ना तांच पोटांत ती लोखणामाती गेल्ली आ मागीर बरोच काळ पोट घटघट जाव उरिल्लें. एक दीस तें नुस्तें घट पोट घेवनू मरून पडिल्लें. तेन्नाच्यान कोणसो च ते न्हंयचे तळाक वचच नाशिल्ले.

आयज सुळूक म्हालदर्याच्या सामव तळाकडेन म्हणटा तसो पाविल्लो. थं तळाक कितलीं तरी पोवळीं आशिल्ली रंगरंगयाळीं पोवळीं. मागीर रंगरंगयाळ शेवाळूय. उदकाचे व्हांवतेर तो शेवाळ बरोऽऽ धोलतालो. तरांतरांचीं रंगीत नुस्त थंय हागा थंय खेळटालीं. तांचो तो रं पळोवनूच सुळूक भुल्लुसलो. सुळुका

फीनाक म्हळें, "फीन, हो हांगचो संवसार तर पळोवंक सुंदर. पूण आमी हांगच्यान या."

"कित्या रे? भियेलो?"

"ना फीन. म्हाका हो संवसार खूब आवडलो. आमचीं भावंडां इतलीं सुंदर आसात तें पळोवन हांव सामको भुल्लुसलों!"

"मागीर हांगच्यान या कित्याक म्हणटा तर?"

"हांव हो असो, काळो, बुरसो. तांचेमदीं सोबचोना."

आयकून फीन हांसलो. म्हणूंक लागलो, "पिशा, हांगा काळो, गोरो, सोबीत, कुरूप असो भेद भाव ना. हांगा सगळीं नुस्तीं एक. हांगा कोण कोणाचो दुस्वास करिना, हांगा कोण कोणाक भिवयना. ल्हानाचे व्हड लोक अपुर्बाय करतात."

फीन इतलें म्हणटा थंय आसा. एक व्हडलो शार्क तेवटेन आयलो. आपलो जबडो उगडून ताणें त्या रंगरंगयाळ्या नुस्त्यांक दाखयलो. कांय नुस्तीं ताच्या जबड्यांत वचून पुटूपुटू करून नाचलीं आनी परतून भायर येवन एका पोवळ्याच्या खाचीनी लिपलीं. शार्कान फटक करून आपलें तोंड बंद केलें आनी मागीर हा हा करून हांसलो.

तें पळोवन सुळूक थर्त भियेल्लो. पूण तो खेळ आशिल्लो ल्हान व्हडांचो. आपलेपणाचो.

"फीन, हांव त्या पोवळ्यांमदीं एक पासय मारून येवं?"

सुळूकान विचारलें. तसो फीन हांसलो.

"वच रे सुळुका. तुका कोणे आडायला? फाटीर बस म्हणल्यार बसूनच रावता? वच, सगळ्याक भोंव. त्या सुंदर मासोळे वांगडा खेळ. भिवपाची गरज ना. हांव हांगाच रावून तुमची मजा पळयतां."

फीनान अशें म्हणना बराबर सुळुकान सुळूऽक करून सूर मारलो आनी तो त्या रंगयाळ्या संवसारांत पावलो...

(चलता...)

– दिलीप बोरकार
आगशी – गोंय.
मो.:९८२२१३६८८५



मूल्य : रु.135 /-
(ट.ख.नि.)

भाषिक संघर्षाचे
समाजशास्त्र

बहुभाषाप्रेमी चिंतक, उत्तम मराठी व कोंकणी लेखक — भारतीय ज्ञानपीठ पुरस्काराने सन्मानित, पद्मभूषण श्री. रवीन्द्र केळेकर यांनी समाजभाषाविज्ञानाच्या आधारे गोव्यात मराठीच्या विरोधात लिहिलेल्या लेखांपैकी काही संपादित आणि भाषांतरित लेख, तसेच हिंदी-हिन्दुस्तानी संघर्ष, देशी भाषा व इंग्रजी संघर्ष यांच्या अंतःप्रवाहाचे विवेचन.

लेखक : पद्मभूषण श्री. रवीन्द्र केळेकर
अनुवाद व संपादन : डॉ. अरुणा दुभाषी

राजहंस
प्रकाशक : राजहंस वितरण
1, मीनाक्षी बिल्डिंग, डॉ. व्होल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग, पणजी, गोवा - 403 001
फोन : (0832) 2220320 / 2232177 E-mail : rajhaunsvitaran@dataone.in

घसरगुंडी

बाबूक आवडटा घसरगुंडी
सोपणां वयर चड
घस्स करून ताडीमिडी
बाबू खेळटा तालगडी

चडटनाय मजाच मजा
देंवतना चड मजा
केळ्यासाली वेल्यान
निसरून गुडगुडी

बाबू म्हऱ्यांत रावता मम्मी
बाबुचेर नदर आसल्यार बरी
बाबू मम्मीक पयस काडटा
मम्मी तूं भियेता अशी

बाबू एकदीस पडलो
मात्सो भियेलो तो
नाका घसरगुंडी नाका ताडी
आतां विसरलो म्हणटा जाय जाय

– डॉ. भिकाजी घाणेकार



पणजी – गोंय.

मिस्टर ढग

काळो सावळो मिस्टर ढग
आयलो म्हज्या दारा
म्हणूंक लागलो पुरो जालें
भोंवडी मार शिरां
माडाचेरूच बसून आतां
झेम थोडी काडटां
अशें म्हणून मिस्टर ढग
आपली हॅट काडटा
दोळे धांपून मिस्टर ढग

घोरेवंक लागलो मस्त
जाताले खूब कश्ट
ताचे ताकाच सोसना जालो
घुरघूर घुरघूर आवाज
मेघ घराण्याचो कसलो हो
आसलो रॉयल रिवाज?
झेम घेवन मागीर
मिस्टर ढग उठलो
ताचें गितार आयकूंक
हांव भायर धांवलों

– डॉ. संगिता बर्वे
पर्वती, पुणे ९.
फोन : ०२०२४२२१००७
(कोंकणी अणकार नरेन्द्र बोडके)

कॉलेज - ऍडमीशन

- विन्सी क्वाद्रूस
'स्नोज कृपा', आर्लेम राय,
सालसेत-गोंय
मो. 9822587498

ह्या वर्साक थावन गूण दिवपाची पद्धत बदल्ल्या. परिक्षेक पडतात त्या गूणाशिवाय शाळेंतल्यान 'इंटरनल असॅसमॅन्ट' हाचे गूण जोडून निमाणी गूण-पत्रिका तयार जाता. थंयच खंयतरी गडबड जाल्या. ताणीं सगळ्या शाळांकडेन संपर्क करून नव्यो गूण-पत्रिका तयार केल्यात आनी जाणीं आदल्यो गूण-पत्रिका दिल्यात तांका नव्यो दिल्यात.

धावेचे परिक्षेचो निकाल जाहीर जालो आनी निलू खुशाल जावन घरांत परतलें. ताका ८० टक्के गूण मेळिल्ले. कोणेंच धरूंक नासलें तें इतल्या बऱ्या गुणांनी पास जातलें म्हण. स्वता ताका लेगीत आपल्या निकालाचेर विस्वास बसलो ना. पयल्या वर्गांत येतलें हाची मात ताका खात्री आसली. सगळ्या घरच्यांनी ताची तुस्त केली. शाळेंतल्या कितल्याच भुरग्यांक ताणें फाटीं घातिल्लें. देखून ताच्या मुंबयच्या मामान ताचो फोटो पेपराचेर घालो. ताणें देवाक आर्गा दिलीं आनी मुखावयले तयारेक लागलें.

दुसऱ्या दिसा आपल्या पप्पा बराबर तें मडगांवचे एके प्रतिश्ठीत कॉलेजींत पावलें. गूण पत्रिका दाखोवन ताणीं प्रोस्पेक्टस घेतलो. इतले गूण मेळ्ळ्यात म्हण ताच्या पप्पान विज्ञान फाट्यांत प्रवेश मेळोवंक अर्ज दाखल केलो.

''तुजे गूण पळोवन अर्ज तात्पुरतो घेतां आनी उपरांत कळयतां.'' अर्ज घेवंक बशिल्ल्या अधिकाऱ्यान सांगलें आनी ताची गुण-पत्रिका पळोवंक लागलो.

''गेल्या वर्सा कितले टक्के कट-ऑफ गुणवत्ता आसली तुमचे कॉलेजींत?'' निलूच्या पप्पान अधिकाऱ्याक विचारलें.

''७८ टक्के.'' ताणें जाप दिली.

''तर म्हजे धुवेच्या प्रवेशाची खात्री आसा न्हय?''

''तें म्हज्यान सांगूंक जायना. आजचीं भुरगीं बरींच शिकूंक लागिल्ल्यान गुणवत्ता वाडत आसा. आमी एक दोन दिसांनी लिस्ट मारतले, तुमी येवन पळयात.'' अधिकाऱ्यान सांगलें आनी तो दुसऱ्या भुरग्याचें अर्ज-पत्र पळोवंक लागलो. निलू आनी ताचो पप्पा कॉलेज कॅम्पसाचेर नदर फिरयत वाटेक लागलीं.

''पप्पा, फाटल्या वर्सा ७८ टक्के लास्ट आसले जाल्यार म्हजें ॲडमीशन जातलेंच न्हय?'' निलून विचारलें

''म्हाका तरी तशेंच दिसता.''

''फाल्यां मामा मुंबय वता. हांवूय दोन दीस थंय वचून येतां न्हय पप्पा?'' गाडयेच्या सिटार बसतना निलून लागानच पप्पाक सांगलें.

''आनी हांगा लिस्ट मारलें जाल्यार....''

''तूंच मात्शें येवन पळय न्ही. मागीर केन्ना मामागेर वचूंक मेळटलें देव जाणा.''

''बरें बरें. वच तूं. हांव पळयतां हांगा.'' पप्पान ताका परवानगी दिली.

बिनदास्त मनान निलू मामा बराबर मुंबय गेलें. मुंबय ताका मामाल्या भुरग्यांनी बरें भोंवडायलें. पयल्या दिसा ऍस्सल वर्ल्डांत जाल्यार दुसऱ्या दिसाक वॉटर किंगडमांत. तिसऱ्या दिसा सिनेमा पळयलें. थ्री. डी. सिनेमा घरांत ताची धांदळच जाली. स्पायडरमॅनाचो सिनेमा चलतालो स्पायडरमॅनान एक उडी घाली ती सारकी निलूचे मांडयेर दिशिल्ल्यान ताका सिनेमाघरूच सोडीन दिसलें.

खुशाल जावन तें गोंयांत परतलें. मामालो व्हडलो चलो ताका पावोवंक आयिल्लो. रेल्वे स्टेशानाचेरच ताका झिनिया मेळ्ळें.

''हाय झिनिया, जालें मगो ॲडमीशन?'' निलून विचारलें.

''गुणवत्तेक लागून म्हजो अर्ज भायर पडलो. आतां हांवें सरकारी कॉलेजींत प्रवेश घेतला.'' झिनियान सांगलें.

''लिस्ट केन्ना मारलें गो? पयर पप्पाक हांवें फोन केल्लो, तेन्ना तो सांगतालो लिस्ट मारूंक ना म्हण.''

''कालच मारलां तें. पूण तुजेंय नांव लिस्टाचेर ना. हांवें बारीकसाणेन पळयल्लें.'' झिनियान म्हायती दिली.

''कितें? म्हजें नांव ना? कशें जावं येता? ८० टक्क्यांपरस वयर गूण घेतिल्लीं भुरगीं आयल्यात तर? इतलो डिमांड आसा ते कॉलेजीक? ऍनी वे, हांव पप्पाक घेवन कॉलेजींत वतां आनी पळयतां कितें जालां तें.'' निलून सांगलें आनी आपल्या मामेभावाबराबर घरा कडेन पावलें.

पप्पा नोकरेक गेल्लो आशिल्लो. निलून ताका फोन केलो आनी आपोवन हाडलो. तो येतांच आपलीं सगळीं कागदपत्रां घेवन तें भायर सरलें.

कॉलेजीकडेन भुरग्यांची गर्दी आशिल्ली. निलू आपल्या पप्पाच्या हाताक धरत नोटीस

बोर्डाकडेन गेलें. अकरावेचें विज्ञान फांट्याचें लिस्ट वयर थावन सकल मेरेन पळयलें. ताचें नांव खऱ्यानीच नाशिल्लें. तीं तशींच अर्ज घेवपी अधिकाऱ्याकडेन गेलीं.

''आमच्या निलूफराचो अर्ज तुमी भायर मारलो?'' पप्पान विचारलें.

''कितें जालां तें जाणा मिस्टर...''

''आशुतोश.''

''मी. अशुतोश, बोर्डान जो निकाल जाहीर केला तातूंत कांय त्रुटी आसात. गूण चुकल्यात. देखून ताणीं सगळ्या भुरग्यांक नव्यो गूण-पत्रिका दिल्यात. हेर भुरग्यांनी नव्यो हाडून दिल्यो, पूण तुमची अजून आमकां पावूंक ना म्हण ताचो प्रवेश राखून दवरला.''

''बोर्डान गूण चुकयल्यात जाल्यार, ताणीं आमकां कळोवंक जाय आसलें न्हय?''

''हेर भुरग्यांक कशें कळ्ळें तर?''

''मागीर ताचें ॲडमीशन जावंचें ना?''

''जर तर ताची गुणवत्ता आसा तितलीच उरता जाल्यार ताचो प्रवेश आमी स्वीकारतले. ना जाल्यार ताका दुसरे कॉ प्रवेश घेवंचो पडटलो. आय एम सॉरी, फकत ८०% वयर आसात तांकांच दिला.'' अधिकाऱ्यान सांगलें.

मुखार उलोवपाचें आनी कांयच नाशिल्लें. निलूक घेवन पप्पा भायर आनी ताचे शाळेंत वचूंक गेलो. आपले इतले बरे गूण मेळून पासून... एक भशे निराश जालो. दुसरे कॉलेजींतय अर्ज क नाशिल्लो.

शाळेचो मॅनेजर आपल्या जाग्यार आशिल्लो. ''सर, भुरग्यांचे गूण चुकल म्हण आयकलां.'' निलूच्या पप्पान नि व्यक्त केली.

''हय. तें कळोवपाक आमी तुम घराकडेन दोन-तीन फावटी फोन केल तुमचो फोन वाजतालो पूण क उखलनाशिल्लो. रकादय धाडिल्लो. घरकान्न मेळिल्ली खंय आनी निलूफर नाशिल्लें. हेर भुरग्यांनी आपली गूण-पत्रि हाडून दिवन नव्यो गूण पत्रिका व्हेल्यो. तुम मात उरल्या.'' मॅनेजरान सांगलें.

''अशें कशें जावं येता?''

''ताचेर मागीर विचार कर. आतां गू पत्रिका हाडल्या जाल्यार बेगीन दी. आन थोड्या वेळान आमचो भुरगो बोर्डाचे कचे वचपाचो आसा. ताचेकडेन धाडून दि फाल्यां म्हळ्यार नवी मेळटली.''

''एक मिनट, दितां सर.'' आप फायलींतली गूण-पत्रिका काडून ता मॅनेजराकडेन दिली.

''पूण हें घडलें कशें? तुमकां हें पय कळूंक ना?''

''ना. पूण आमचें आनीक एक हुश विद्यार्थी नम्रता आपल्या गुणाविशीं दुबा उक्तावंक लागलें तेन्ना आमी बोर्डाकडे चौकशी केली. पळयत जाल्यार आनीक भुरग्यांचे गूण चुकिल्ले आसात. ह्या वर्सा थावन गूण दिवपाची पद्धत बदल्ल्या. परिक्षे

पडटात त्या गूणाशिवाय शाळेंतल्यान 'इंटरनल असॅसमॅन्ट' हाचे गूण जोडून निमाणी गूण-पत्रिका तयार जाता. थंयच खंयतरी गडबड जाल्या. ताणीं सगळ्या शाळांकडेन संपर्क करून नव्यो गूण-पत्रिका तयार केल्यात आनी जाणीं आदल्यो गूण-पत्रिका दिल्यात तांका नव्यो दिल्यात.''

''आमच्या निलूफराच्या गूणांत बदल जावंक ना न्हय?''

''तें आतांच म्हज्यान सांगूंक जायना. गूण-पत्रिका धाडटकच कळटलें.''

मॅनेजराचो निरोप घेवन निलू आनी ताचो पप्पा शाळेंतल्यान भायर सरलीं. पप्पाचें मन आपल्या कामाचेर लेगीत लागना जालें. तो सुटी घेवन घराच बसलो. एका शिक्षण बोर्डाचीं हीं घाळपणां? इतले लोक थंय काम करपाक आनी वर्साक एक फावट तांचेर ताण आसता. तो सांबाळूंक जायना जाल्यार कित्याक बसल्यात ते? सुस्त बसून रावंक सरकार पगार फारीक करता काय तांका? जर निलूचे गूण कमी जाले जाल्यार कितें जातलें?'' अशे साबार प्रस्न ताच्या मनांत घुवूंक लागले.

सकाळीं बेगीन उठून शाळेंत वचपाखातीर निलू तयार जालें. साडे आठ जावंचे पयलीं तें पप्पा बराबर भायर सरलें. काम बेगीन जालें जाल्यार धा म्हळ्यार कचेरेंत पावतलो अशें पप्पान थारायल्लें.

शाळेच्या वेवस्थापनाची बसका चलताली म्हण कांय वेळ तांका वाट पळोवंची पडली. थोड्या वेळान मॅनेजर आयलो. निलूक पळोवन ताणें आपले वोंट घट्ट चिड्डिले आनी शिपायाक ताची गूण-पत्रिका हाडूंक सांगली.

''बस मि. अशुतोश. निलूच्या गुणांत गडबड जाल्या.'' मॅनेजर सांगता म्हणसर निलूची नवी गुण-पत्रिका शिपायान हाडून दिली. ती ताणें निलूच्या हातांत दिली. ताणें बेगीन बेगीन आपले गूण तपासले. तें पळयतूच उरलें.

''पप्पा, अशें कशें जालें हें?'' निलून गूण-पत्रिका पप्पाकडेन दिली. ताणीं ती पळयली आनी आपले भितरच एक हिशोब केलो. तो लेखानीस आशिल्ल्यान रोकडीच ठक्केवारी काडली.

''हे तर ७२ टक्केच गूण जातात.'' पप्पान म्हणलें.

''सारकें आसा तें. आतां बोर्डान आमकां सगळ्यांचे परिक्षा गूण आनी अंतर्गत गूण धाडल्यात. पयलीं निलूक दुसऱ्या कोणाचे तरी अंतर्गत गूण मेळिल्ले हें सिद्द जाता.'' मॅनेजरान ताका बोर्डाकडल्यान आयिल्लें गूण-पत्रक दाखयलें.

''आतां कितें जातलें पप्पा?'' निलून पप्पाक तेंकत विचारलें.

''हाचेर कांयच करूंक जायना सर?'' पप्पान मॅनेजराक विचारलें. ताचें तोंड सारकें बाविल्लें.

''आय एम सॉरी आशुतोश.'' मॅनेजर दुसऱ्या कामाक लागलो.

पप्पा निलूक घेवन एका बऱ्या हॉटेलांत च्या पियेवंक घेवन गेलो.

''पळय निलू तूं एक खेळगडें. वॉलीबॉल खेळांत तुवें तुका आनी तुजे शाळेक नांव हाडलां.'' पप्पान सांगलें.

''म्हाका आनी शाळेक नांव हाडलें जाल्यार म्हाका जर बरे कॉलेजींत ॲडमीशन मेळना जाल्यार तें कित्याक उपकारता?'' निलू बेजार जालें.

''त्या खेळांत तूं कितले फावटी हारलें. तेन्ना तुजें आनी तुजे शाळेचें नांव इबाडलें.''

''जाल्यार कितें जालें?''

''तुवें खेळपाचें सोडून दिलें?''

''ना.''

''तशेंच आतां मदल्या काळांत तुका आनीक एक हार मेळ्ळ्या अशें समजून नव्यान विचार कर. बरे कॉलेजींतच गेल्यार पर्जळटात अशें ना. तुका शिकूंक मेळ्ळ्यार पुरो. सरकारी कॉलेजींतलो प्राचार्य म्हजे वळखिचो. ताचे कडेन रातीं हांव उलयलां. ते कॉलेजींत तुजो प्रवेश करतां. ओके?''

तें कांयच उलयलें ना.

''तूं म्हणटलें ते कॉलेजींत कित्याक? फाटल्या वर्साक ते कॉलेजींत नवो पी. टी. टीचर भरती जाला. एका काळार तो खंय आंतरराष्ट्रीय वॉलीबाल खेळगडो. ताचे हाताखाल तुका प्रशिक्षण मेळटलें. पदवी सगळे घेतात. दोतोर, इंजनेर सगळे जातात, तुजे भशेन खेळगडे जावंक सगळ्यांकडेन जाता? मनशान आपल्या गुणांचो विकास करूंक जाय. म्हाका आदीं दिसतालें तूं एक दोतोर जावं इंजनेर जावंचें म्हण. पूण आतांचो ट्रँड पळयल्यार खेळगड्यांक जायतो वालोर आसा. जायती जोडय आसा. हे वरवीं तूं एका वेगळ्या माहोलांत वाडटलें आनी तुज्यांतल्या गुणांची प्रगती करतलें. सारकें न्हय?''

''पूण पप्पा...''

''तुका खेळूंक नाका जाल्यार म्हजो तुजेर ताण ना. पूण आमी समाजाक दाखोवन दिवंक जाय शिक्षणा वरवींच मनीस जायना तर खेळ आनी हेर मळांचेरय पर्जळपाची मनशाक संद मेळटा, ताचो फायदो काडूंक जाय.''

''यस पप्पा. आय हॅव डिसायडेड. कॉलेज खंयचीय आसूं, म्हाका म्हज्या कलागुणांक फुलोवंक मेळटा थंय हांव म्हाकाच ॲडजस्ट करून घेतलें. चल, म्हजी च्या जाली. या न्हय ॲडमीशन करूंक?'' निलूच्या तोंडार तेज निर्माण जालें. तें भितरल्या भितर खुशाल जाल्लें.

'चल' बिलाचे पयशे ट्रेयांत दवरून पप्पा निलूच्या खांदार हात घालून सरकारी कॉलेजींत प्रवेश मेळोवंक वचपाक लागलो.

■ ■ ■

कल्चर काय कन्व्हिनीयन्स?

– काश्मिरी स. पावसकार
शिवोली–गोंय.
फोन : २२७००१०

हालींच चलयेक IHM कॉलेजींत ॲडमिशन घेवपा निमतान मुंबय काऊंसिलींग आशिल्लें. त्या निमतान आमकां मुंबय वचपाचो योग आयलो. हो योग फकत प्रवास करपा पुरतोच नाशिल्लो म्हणपाचें म्हाका उसरां कळ्ळें. तशें पळयल्यार रेल्वेचो प्रवास अणभव संपन्न म्हणटात तें फट न्हय! ह्या प्रवासांत कांय कोडू गोड अणभव वाट्याक येतात. पूण हे अणभव घेवपाक मनशाकडेन संवेदनशील वृत्ती आसप भोव गरजेची. आपल्या भोंवतणी जें कितें घडटा तें बारीकसाणेन पळयल्यार जीण समृध्द जावंक पावता. इल्लें शाणेपण येता हें म्हजें मत.

आमी थिवीच्यान कोंकण रेल्वे धरून प्रवासाक सुरवात केली. आमचें ॲडवान्स बुकींग आशिल्ल्यान बसकांची कांयच अडचण नाशिल्ली. तितल्यान तीन सिनीयर सिटीजन्स आमच्या डब्यांत चडले. दोन बायलां आनी एक दादलो मनीस. डब्यांत चडत पसून तांगेली कितेतरी अडचण आसा म्हणपाचें तांचे हालचालींतल्यान कळटालें. त्या भायर शॉर्टपँट घातिल्ल्यान ताच्या धोपरांच्या वाटयांचें ऑपरेशन केल्ल्याच्यो खुणोय दिश्टी पडटाल्यो. पूण जो मेरेन तीं उलयनात तो मेरेन तांची अडचण कळपाक मार्ग नाशिल्लो. अर्दवरान जेवणाची ऑर्डर घेवंक रेल्वेचो मनीस आयलो. तशी जाण्टेल्याक वाचा फुटली. ''जबतक हमें सीट नहीं मिलेंगी, तब तक हम अनशन करेंगे!'' हें आनी नवें कितें? रामदेवबाबांचें अनशन खबर आशिल्लें. ताका कारणूय आशिल्लें. हाचें कित्याक काय? तशी जाण्टेल्यान म्हज्या घरकाराकडेन कागाळ केली. ''तिकेटी बूक करतना आमी आमची पिराय सारकी बरयल्या आनी आमकां दिल्यात वयले बर्थ. ह्या रेल्वेच्या मनशांक कळना काय कितें? तूंच सांग रातचें वयर चडप कशें आनी न्हिदप कशें?'' ना न्हय, खऱ्यानीच व्हडलो प्रस्न. सट्ट करून पुंडलीकबाबांचो 'काळजांत जागो आसल्यार जागो मेळटलो' पाठ उगडास जालो आनी हांवें म्हजो आनी चलयेचो सकयलो बर्थ तांकां ऑफर केलो. आमी दिल्लें सीट घेवपाक जाण्टेलो मात्सो अनमनलो. ''च्चे! च्चे! तुमचें सीट घेवप बरें दिसना. I can't do this injustice to you.'' म्हूण चुटपुटलो. कांय वेळान सात–आठ गुजराती तरनाटे डब्यांत चडले. टि.सीन तांचेलागीं उलोवन प्रस्न सुटावो केलो. जिवाक थाकाय मेळटकच जाण्टेलो मेकळेपणान उलोवंक लागलो. ''तुमी खंयचीं?'' हांवें म्हळें ''गोंयचीं.'' आपूण मूळ कारवारी पूण रावतां मुंबय म्हूण सांगलें. ताचें कुळदैवत गोंयां आशिल्ल्यान वर्सान एकदां येवप जाता अशी गजाल ताणें कानार घाली. फुडलो प्रस्न ''तुमी कितें करतात?'' जाप दितना हांवें आमचो दोगांयचो शिक्षकी पेशो म्हूण सांगलें. ''खंयचो विशय शिकयता तर?'' हांवें झेतान ''मायभास कोंकणी'' सांगतकच 'खंयची लिपी?' वयल्यान 'देवनागरी कायद्यान बसना' अशें आपलें अज्ञान पाझरूंक लागलो. तो मेरेन आमचें पुराय संभाशण इग्लीशींतूच चलतालें. हांवें कारवारी कोंकणी आनी गोंयचे कोंकणीचें लागींचें नातेंय सांगून उडयलें. जाण्टेलो बरोच शिकिल्लो म्हणपाचें ताच्या उलोवण्यावेल्यान, वागपावेल्यान कळटालें. ताची घरकान्नूय बेसबरी मराठी, कोंकणी, हिंदी आनी इंग्लीशींत उलयताली. मदींच ताणें वासपूस काडीत विचारलें. ''स तारखेक गोवा बंद कित्याक आशिल्लो?''

वेळ होगडायनासतना हांवें तांकां स खबर सांगली. तशेंच इंग्लीश माध्यम ज आमची संस्कृताये पासून नाळ तुट आमचें गिरेस्त दायज, लोकवेद शे बसतलीं ही खंतूय उक्तायली. तसो म लागलो ''संस्कृताय म्हळ्यार कल्चर न्ह हांवें नेटान हय म्हळें. ''मागीर एक सांग म्हजे बायलेन, मेवणेन हो चुडीदार कि घाला?'' हांवें म्हळें 'कन्व्हिनीयन्स' ' मारपाची सोडून आमी पंजाबी ड्रेस घा हाचें कारण आमकां बरें पडटा. हय न्हय?'' तशेंच कल्चर म्हळ्यार कन्व्हिनी आपल्याक बऱ्याक पडटा तें आमी हाकाच कन्व्हिनीयन्स म्हणटात.'' हांवें म ''ही जाली ड्रेसाची खबर. भाशेक तें क लागना.'' जाण्टेल्याचें उलोवन सो नाशिल्लें. ''म्हाका कोंकणी परस इंग्ली उलोवप बऱ्याक पडटा. मागीर हांव कों कित्याक उलयतलों.'' जाण्टेलो अणभ उलयता काय म्हाका तिडावपाक उल म्हणपाचें कळना जालें. हांव म्हजेपरीन स मुद्दे मांडीत रावलें. पटल्यार घेवचें नाजा सोडचें. पूण तो ओगी रावता थोड कोंकणीवेल्यान इंग्लीश करीत संस्कृत भा घसरलो. चार वेदांची देख दीत म्ह लागलो, सगले वेद एकदां आयकून पाठ क तो 'वेदी'. दोन खेपो आयकून समजत 'द्विवेदी'. तीन फावटी आयकून समजत 'त्रिवेदी' आनी चार फावटी पाठांतर क आयकून जाका कळटा तो 'चतुर्वेदी'. अ तूंच थाराय ह्या चारां मदलें तूं कोण पळय हांवें मनांत म्हळें तूं म्हाका धा फा समजयल्यार हांव कन्व्हिन्स जावपाचें मायभाशेचो मोग असो कोणेय, कित्याय आयकयल्यार उणो जाता थोडोच! चल काऊंसिलींग थंयच उरलें. मुंबय पावमेरेन म काऊंसिलींग जालें तें विचारूं नाकात!

– रुपा कोसंबे
शिंदोळी,सांकवाळ,
कुठ्ठाळी-गोंय.
फोन-२४५२१५०

आपली आवय आनीक कोणाक घेवन आयल्या आनी आपल्या अपुरबायेंत कोण तरी वाटेकार जाला हें पचोवपाचो यत्न करतालें बाबडें आनी घुरमटतालें. प्रत्येक कामाक रड आनी हट्ट. एक दीस रातचें असोच हट्ट घेवन बसलें, आपल्याक बोमानच दूद पिवपाक जाय म्हणून. रातिचो वेळ. बोम तरी खंय गांवतलो. तेन्ना होच बोम म्हज्या आदाराक धावून आयिल्लो.



पावस सुरू जावचे आदीं गांवांतलें पोरणें घर निवळ करून घेवयाच म्हण आमी थारायलें. कितलोसो तेप जालो लागींच बांदिल्ल्या नव्या घरांत शिफ्ट जाल्यार. तेन्ना गरजेचेंच सामान हाडिल्ल्या कारणान उरिल्लें सामान थंयच पडून आशिल्लें. नव्या घरांत रावपी फक्त देर आनी मांय. आमी प्रकृती अस्वास्थ्याखातीर पणजे फ्लॅट घेवन राविल्ल्यान पोरण्या घराकडेन फकत सामायीक गणपतीवेळारच वचपाचें. म्हणटगीर थंय आशिल्ल्या सामानाचो विलो लावया हो विचार करूनच आमी घरांत सरलीं. शेनवार-आयताराक येता तेन्ना देराल्या नव्या घरांतच आमी रावतालीं. पूण हें पयलींचें घर खुणायतालेंच. केन्नायतरी हेंच घर सारकें करून परत थंय राबितो जायत काय हाचो जरी दुबाव आसलो तरी पासून ह्या घराबद्दल एक अनामीक ओढ कशी! कारण म्हजी व्हंकल पावणी त्याच घरांत हाडिल्ली. मांव, मांय, देर, नणंद, भाचो, आयिल्लो-गेल्लो, सोयरो-धायरो हाणी त्यावेळार गजबजिल्लें घर आतां किण्ण पडिल्लें. नव्या मनशांकडेन जुळोवन घेतना म्हाका आनी म्हजेकडेन जुळोवन घेतना तांकां जी कसरत करची पडिल्ली त्या खिणांचें आनी सूख दुःखाच्या कितल्याशाच प्रसंगाचें गांठवल सोडोवपाचें ही म्हज्याखातीर अनायासे संद चलून आयिल्ली म्हळ्यार जाता.

तीन घराब्यांचें मदें राजांगण आशिल्लें घर तें. घराचें दार उगडून मदलें दार उगडतनाच राजांगणातल्यान थंड शीतळ वाव येवन मन प्रसन्न करून गेलो. पूण घराची दशा मात सामकीच बिकट जाल्ली. एकावेळार आमी आतऱ्यापयऱ्यान धुवन पुसून तांबडेगूंज दवरतालीं तें हॉलांतलें कावमिश्रीत शिमीट चितेवन चितेवन खतावल्लें. जशी काय आमच्या विरहान ताणें सगळी कात झडयिल्ली. झाडां-पेडां खंय मनशाच्या सहवासांत बरीं फुलतात-फळटात! तीं सजीव. पूण ह्या निर्जीव वास्तून पासून हाय खाल्ली. कापोडयाचें राज्य मात सगळ्याक पातळिल्लें.

कडू-गोड यादींच्या न्हंयत भंवऱ्यावरी गिरगिरत कुडीचें दार उगडलें. कोनशाक दवरिल्लें पाळणें मंद हाशिल्लेभशेन म्हाका भास जालो. ताचेवयलो घयरांव निवळ करतां-करतांच तें केन्ना म्हज्या कमराच्या

झेल्यांनी धोलूंक लागलें तें समजलेंच ना. 'रिकामें पाळणें हालयनात गो, भुरग्यांच्या पोटांत जाता' धेंगसो पडिल्लेभशेन दिसलो. बेगीबेगीन थंयचें कडसरलें. इतल्यान भुरग्यांनी सांबाळून दवरिल्ल्या त्या भातुकलीचेर नदर पडली. व्हिस्तीद-बिस्तीद म्हेळो करून, फापशिल्ल्या केंसांनीं बावल्यो म्हजेकडेन पळोवन हिमट्यो काडटाल्यो, अस्ताव्यस्त पडिल्लीं खेळांतलीं आयदनां, चूल, फ्रीज, लाटफळें-लाटणी सगळीं अनाथ कशीं दिसलीं तेद्यावेळार म्हाका. तातूंकच दोनीं वटेनच्यान चिंवो आशिल्लो कंवचेचो म्हामेर (बोम) पळयलो. आतां प्लॅस्टिकाचें यूग आयिल्ल्याक तसले बोम दिश्टी पसून पडनात आनी नकळत वोंठार हाशें फुल्लें त्या प्रसंगाची याद जावन. दुसरे चलयेक घेवन हांव निकतेंच हॉस्पिटलांतल्यान घराकडेन आयिल्लें. इतलो तेप व्हडल्याचोच थातोमातो जातालो. निकतेंच तें घरांत सरलां, ताका सगळीं धरतात, ताच्यो पापयो घेतात, ताचेकडेन चोचऱ्यांनी उलयतात तें पळोवन व्हडल्याक सामकी नसाय जाताली. पांच वर्सांचें आशिल्लें तेन्ना तें. आपली आवय आनीक कोणाक घेवन आयल्या आनी आपल्या अपुरबायेंत कोण तरी वांटेकार जाला हें पचोवपाचो यत्न करतालें बाबडें आनी घुस्मटतालें. प्रत्येक कामाक रड आनी हट्ट. एक दीस रातचें असोच हट्ट घेवन बसलें, आपल्याक बोमानच दूद पिवपाक जाय म्हणून. रातिचो वेळ. बोम तरी खंय गांवतलो. तेन्ना होच बोम म्हज्या आदाराक धावून आयिल्लो. तें एकच रातीं त्या बोमान दूद पिलें पूण परत आनी केन्नाच मागलोना. हळुहळू परिस्थितीकडेन तडजोड करत ताणें धाकले भयणीकडेन बेसबरें जुळोवन घेतलें.

घर निवळ करपाक म्हण गेल्लें खरें. पूण दरेक वस्त जणुकाय आपल्यो भावना उकत्यो करून दाखोवपाक तयार राविल्लेभशेन! 'दोळ्यां आड मसण पाड' म्हणटात तशें कितल्याश्या वस्तींक हांव विसरून गेल्लें, पूण तांचेर नदर पडतगीर मात तांच्या वांगडच्या सहवासांतल्यो यादी मनांत उफाळून येताल्यो. 'घरोघरी मातीच्याच चुली' म्हण ओपार जरी आसली तरी आतांच्या जमान्यांत दिसपाक कुस्तार अशी रांदचेकुडींतली रानन म्हाका हेडावन दाखयता काय दिसलें. तळिल्लें चरचरीत नुस्तें, इंगळ्यांचेर भाजिल्लो खाऱ्याचो परमळ, उकड्या तांदळाची सुरबूस पेज, वयर सकयल कोळशे घालून भाजिल्ली तवसळी-धोणस, पोल्लांतलीं भिकणां हाची याद जावन तर जिबेक उदक सुटलें. केन्नायतरी आमी परत येवन पयलींभशेन रांदतलीं म्हण बी हिणें आपलें अस्तित्व तिगोवन दवरुना मूं? असो प्रस्न पडलो. म्हऱ्यांतच वान-रगडो आनी उबें करून दवरिल्लें मुसळ तर विचारूंक लागलें, 'अडचणींक पावतालें तें विसरलें? कितल्या फावट पापड खाले? फोव, तांदूळ कांडले? आतां गरज सोपली न्हय?' तें बाबडें जाल्लें. हांव पूण कितें करतलें? आधुनीक युगांत ह्यो वस्तू outdated न्हय!

अश्यो कितल्योश्योच वस्तू. थोड्यांची केन्नातरी गरज पडटली म्हणून तर थोड्यो गरज नासूनय भायर वडोवपाक वास दि म्हणून सांबाळून दवरिल्लो. आतां मोह म कमी कमी जायत गेल्लो. तांचो नि लायतना तशें वायट दिसतालें पूण घरय नि करपाक जाय आशिल्लें. खरें म्हळ्यार या पोटलो उसयतां उसयतां म्हज्या हातांतल कांयच काम जालेंना. पूण दोळे मात परत भरून येताले. घर निवळ जावं ना जावं म्ह मनांतल्या यादिंचीं जळमटां झडत आशिल

सगळें जावन वचपाक भायर सरिल्लीं दिसलें परत केन्नाय ह्या घरांत वास्त करपाचो योग येतलो काय ना तें देव जा पूण हांगा चवदा-पंदरा वर्सां वास्तव्य करत फुडेफुडले जिणेची दिका गावत गेली अ एक शक्त जी फकत ह्याच घराकडेन आस ती म्हळ्यार सगळ्या जाणट्या-नेणट्य एक अदृश्य अशा धाग्यान बांदून दवरपा कसल्याच हुस्क्या विरयत. ह्या घराचे व आतां खिळखिळपाक लागल्यात प आमच्या एकमेकां बद्दल आशिल्लें ममत ओढ, आपुलकाय सदां सर्वकाळ ति उरल्यार पुरो ही वास्तु पुरूसाकडेन मागणी

■■

मी राधिका – मी प्रेमिका

– आशा शानभाग
सादोळशें-काणकोण- गोंय
मो. : ९४०४१४५३३७

शशी सांगतालें... वर्स जालें तरी गुरवाचार येना म्हणून चंद्रहासाले आवयन आनी भयणीन ताचे बायलेक वांजूड, हिजूड म्हणून हिणसावपाक सुरवात केली. तिचो बाबडेचो हून उदकाचो घोट जाल्लो. कोणाचकडेन मन मेकळें करपाक ती शकली ना. शेवटाक वंशाक दिवो जाय म्हणून तीं सगळीं सुनेक घेवन दोतोरालागीं गेलीं. दोतोरान सांगलें तें आयकून चंद्रहासाची आवय फीट येवन पडली. दोतोराच्या म्हणण्यानुसार चंद्रहासाची बायल निव्वळ कुमारिकाच आशिल्ली.

भुरग्यांच्या शाळांक सुटी लागली मात तांचो बोवाळ सुरू जालो. ''आई, आमकां मामागेर पावय.'' तिगांयचो कलकल आयकून कान फुटपाचेच. हय. म्हाका तीन भुरगीं. पयले दोन चले. पूण आमच्या हांका चलयेची खूबच अपुरबाय. देवान तिसरे फावट तरी चली दिल्ल्यान सालवार. भुरग्यांच्या बोवाळान हेवूय म्हणपाक लागले.

''चल गो पावोवन यो तांकां मामगेर. आनी तुवंय कुळाराचें सूख चार दीस भोगून यो. हांव हांगा काकागेर रावतां.'' आतां तर म्हाका सर्ग दोन बोटांच्याकय सकयल सो भासलो.

दोन दिसांभितर कुळारा वचपाची तयारी केली. तीन बशी बदलून हांव कुळारच्या गांवांत भितर सरलें. तो वारो, तीं झाडां, न्हंय, शाळा, देऊळ पळयतनां भुरगेपण दोळ्यांमुखार उगडत गेलें. बस घरामुखावेल्या स्टॉपार थांबली. भुरगीं ऊडी मारून मामाच्या घरांत पावलींय बी. हांव मात बॅगां घेवन देवतां थंयच आसां. ''निशा, कशें आसा बाये? मेळुया मागीर.'' ह्या उतरांची धनीण इतलेंच म्हणून हांसत बशीर चडली. बारीक, लांबशें तें चली वळखी-वळखीचें शें भासलें. इतल्यांत म्हजो भाऊ बेगीबेगीन भायर आयलो. हांसत्या मुखामळान येवकार दीत म्हजीं बॅगां घेवन चलपाक लागलो. ''भाऊ, आत्तां बशीचेर गेलां तें कोण रे?''

''शाणी, म्हजीं भाटां, म्हजी पुजा आनी नुस्त्याचें जेवण हाचेशिवाय हांव कांयच पळयना.'' भाऊकडच्यान जापेची अपेक्षा धरप चुकच हें उमगलें.

कुळारचें उदकच गोड. वयनीन मोगान दिल्ल्या उदकान कुळारपण सोबयलें. आई-दादा ना खरें पूण वयनीन दिल्ल्या मोगान कुळारची ओड तिगून उरल्या म्हणल्यार अतिताय न्हय. ''वयनी, तूं म्हाका हांगा कांयच करूंक दिवची ना हें हांव जाणां. हांव मात्शें अशें न्हंयचेर वचून येवं?'' मुमुरखें हांसत वयनीन हयकार दिलो.

''पेवतलें जाल्यार कोणीर वचूं नाका आं.''

''ना गे आतां पेंवपाची उमेदच उरली ना.'' म्हणून हांव घराफाटले पांयवाटेवेल्यान बागांत गेलें. न्हंयच्या खाऱ्या उदकांत धोपरांमेरेन पांय बुडयले. सगळे कुडीक सूख भोगलें. इतले म्हणसर न्हंयचेर दोन नंबराक आयिल्लो शीतबाब धुवंक वयलेवटेन उदकासरी येता तो पळयलो आनी हांव बेगीबेगीन तडीक गेलें. तशेंच जांबळीपोंदा वचून जांबळां खावया म्हणून शेतांतल्यान बांदार चडलें. इतल्यान पयसुल्ले मेरेर सकाळीं हटकिल्लें तेंच चली दिसलें. घडये दिडसी

तारीवेल्यान चलत घरा येतालें तें. हय शशीच तें. म्हजी बालमैत्रीण. एकमेकांची वळख पटतकीर दोगांयनी एकामेकांक घट्ट गोपांत घेतलें. लक्षांत आयलें की हाच्या गळ्यांत मंगळसूत्र आसा.

''शशी, गडगड केन्ना केलो गो? म्हाका बी सांगपच ना?'' ते बरोबर ताणें म्हजेभोंवतणी रेवडायिल्ले हात एकाएक काडून घेतले.

''तुका आतां दनपारमेरेन हांगा म्हजेलागीं उलोवपाक वेळ आसा? नासतलोच. तूं सांजचें पांच वरांचेर हांगा जांबळीपोंदा यो. उलोवया मागीर.'' आनी कुसडें कशें तरतरत चलपाकय लागलें. मेरेवेल्यान वयर भाटांत तें पावलें तरी फाटीं पळयलें ना ताणें. म्हाका म्हजें चुकलें कितें तेंच कळ्ळें ना.

दनपरां भावजयेच्या हातचें सुरबूस सुंगटां आनी शांगांचें हुमण, खतखतें आनी घराव्या खोबरेलांत तळिल्ले चरचरीत बरे धोडयारे हांचेर ताव मारतकीर दोळ्यांचेर कडक सुस्ती चडली. ''वयनी हांगा वासरेंतच एके मांदरेचेर आड पडटां गे हांव.'' म्हणटांसर वयनीन मांदरी हाडून पातळायलीय बी. खूब वर्सांनीं लव्याचे ते मांदरेक फाट लागली आनी सर्गसूख भोगोवपी न्हीद लागली. जळट्या इंगळ्यांच्या वासान एकदम जाग आयली. बेगीबेगीन वणटीवेल्या घड्याळाचेर नदर मारली. 'आवयस' साडेचार जाल्लीं थंय. तोंडार उदकाचो थपको मारून येतामेरेन वयनीन च्याचें कोप हाडून दिलें. खूब तेपान धुंवराच्या वासाचे च्यान मनाक धादोसकाय दिली आनी भुरगेपणाची याद मात गळ्याकडेन हुंदकुटो हाडून गेली.

गरम च्या पियेवन तोंडार मात्सो पोवाचो हात फिरोवन हांव जांबळीपोंदा वचपाक धांवलें. शेताचे मेरेर पांय दवरून वयल्या बांदार नदर मारल्यार थंय एक आकृती बशिल्ली झळकली. हांव धांवतच फुडें गेलें. ''सॉरी, शशी म्हाका येवपाक मात्सो कळाव जालो. सॉरी.''

''कांय ना गो. फ्रेन्डशिपीमदीं सॉरी आनी थँक्यू हे शब्द हाडिनाका. हांवय आतांच आयलां. यो बस हांगा.''



हांवय थंयच बसलें. न्हंयचेवेलो खारो वारो दोळ्यांचेर एकतरेची धुंदी चडयतालो.

''शशी खूब वेळ वचूं. पूण तुवें निमणें लग्नाचो निर्णय घेवन बरें केलें.'' ताच्या गळ्यांतलें नाजूक मंगळसूत्र पळोवन हांवें म्हळें. ''चंद्रहासान विश्वासघात केल्लो विसरून तूं तुज्या संवसारांत रमलें हें खूब बरें जालें.'' आमी शिकतालीं तेन्ना हाचें आनी चंद्रहासाचें जमिल्लें हांव जाणतालें.

म्हजें उलोवणें चलतनां शशी शेणिल्लेवरी बुडत्या सुर्याक पळेतालें. तो सूर्य आनी हांव समसमाच. आमी लोकांमुखार चकचकतात. रात दोगांयकय लिपोवन दवरता. सूर्य दुसरे तोंड तरी दाखयता. तर हांव मात रातभ उशामदीं चेपून रडटां.''

''अशें कितें घडलां तुज्या जिवित तेबरोबर मेल्ले नदरेन आनी भ ताळ्यान ताणें ताची काणी सां

चंद्रहास आनी शशी एकमे उपाट मोग करतालीं. जातीपा प्रस्न नाशिल्ल्यान दोगां घरच्यांनी तांचो मोग आपणायि हें नर्सींग करपाक शारांत राव आनी तो गांवगिऱ्या वाठार नोकरी करतालो. तें घरा येता वो तो शारांत वता तेन्ना एकामेकांक मेळटालीं. ही ग हांवय जाणतालें.

''शशी पूण अचकीत चंद्रहा तुका सोडून दुसरेकडेन कित्याक केलें गो?''

चंद्रहासाल्या भयणीचें शशीच्या शेजराच आशिल्लें. त शशीक भावज म्हणून स्वीकारि पूण अचकीत शशीचे गिरे फि म्हणपासारकें घडलें. चंद्रहासा भावोजीन देवळांत कोमिसांव म्ह काम करतनां अर्थीक गडबड केली. देव लाखांचे सागवान कापून आपलीं बो भरलीं. बाकीच्या वांगड्यांनी ताका रंगे धरलो. ताचो गुन्यांव साबीत जातव गांवपंचायतीन ताका जातीभायर दवर बहिष्कृत केलो. ह्याय निर्णयाक सगल्यांबरो शशील्या फामिलीकय तेंको दिवचो पडल आनी हाचें बळी थारलें शशी.

चंद्रहासाल्या भावोजीन लजेक लागून ग सोडलो आनी रागाचो सगलो भार ताणें श

आनी चंद्रहास हांचें जवळ जवळ थारिल्लें लग्न मोडून काडलो. ताणें चंद्रहासाक शशीकडेन लग्न जावशी तर भयणीच्या कपलावेलो कुकूम पुसून उडोवशी अशी स्पश्ट धमकी दिवन आपणे सोदिल्ले दुसरेच एके चलयेकडेन लग्न जावपाक सांगलें. चंद्रहासान ही सगली घडणूक रोखडीच शशीक कळीत करून दोगांयनी वांगडा जीव दिवन एक दुजे के लिये करपाची तयारी दाखयली. शशीन थिरपणान ताका विरोध केलो. ''चंद्रा, आमी एकामेकांचेर उपाट मोग करतात. पूण मोगाचो शेवट लग्नांतच जावंक जाय अशेंच ना. आमी वाट पळोवया. केन्नायतरी आमचो मोग सगल्यांक समजतलो. तूं घरच्यांच्या म्हणण्यानुसार लग्न कर.'' आनी दोगांय एकमेकांचे वेंगेंत घुस्पलीं. भावनेमुखार दोगां न्हंयच्या उदकांत व्हांविल्लेवरी व्हांवलीं आनी दोगांयच्योय कुडी एकमेकांभितर मिसळल्यो.

''शशी, पापया कितेंय वापरिल्लें गो? काय गुरवाचार बी आयलो गो मागीर?'' म्हजे प्रस्नार हांवच अजापलें.

''नां तेन्ना आयचे सारखी आय-पील बी नासली न्ही गो. हांवय भियेलें. पूण देवाचो उपकार, कांयच घडलेंना. निशा तो खीणच याद धरून हांव आजून मेरेन जितें आसां.''

''ओगी राव गो. आतां लग्न जालां तुजें तरी तोच खीण याद करता आजून? तुजे घोवाक कळल्यार....''

''निशा, म्हजो घोव कोण जाणा तूं?'' म्हजें उतर अर्देंच तोडून ताणें विचारलें. ''कोणाकडेन लग्न जालां तर गो तूं?''

''चंद्रहासालागीं.'' शशीची जाप आयकून हांव पुरूसभर वयर उडलें. म्हजें उक्तें उरिल्लें तोंड, अजापान भरिल्ले दोळे आनी चेरो पळोवन शशीन म्हजो हात धरलो.

''हय निशा चंद्रहास म्हाका सोडून दुसरे चलयेलागीं लग्न जालो खरो. पूण तो आपलें दादलेपण मात होगडावन बसलो.''

शशीची काणी आयकतना म्हजेमुखार वावटळ उडटाली. खरें इतलो उपाट मोग आनी अशे मोगी आसूं येतात? आपणें मोग केल्ले चलयेवांगडा लग्न जावंक शकलो ना जाल्यार आपलो पुरूषार्थ, आपली मर्दानगी व्होगडावपा इतलो धक्को दादल्यांक बसूंक शकता? असले कितलेशेच प्रस्न म्हजे सामकार गोफ करून नाचपाक लागले. शशी मात उलयत रावलें. ''आमचे मदले जातीभायर दवरपाचे रितीक लागून आनी सामाजीक बहिश्कारा सारकिल्या गजालींक लागून तिगजाणांचीं आयुश्यां दावार लागलीं. चंद्रहास, हांव आनी ताची बाबडी निश्पाप बायल.''

शशी सांगतालें... वर्स जालें तरी गुरवाचार येना म्हणून चंद्रहासाले आवयन आनी भयणीन ताचे बायलेक वांजूड, हिजूड म्हणून हिणसावपाक सुरवात केली. तिचो बाबडेचो हून उदकाचो घोट जाल्लो. कोणाचकडेन मन मेकळें करपाक ती शकली ना. शेवटाक वंशाक दिवो जाय म्हणून तीं सगळीं सुनेक घेवन दोतोरालागीं गेलीं. दोतोरान सांगलें तें आयकून चंद्रहासाची आवय फीट येवन पडली. दोतोराच्या म्हणण्यानुसार चंद्रहासाची बायल निव्वळ कुमारिकाच आशिल्ली.

चंद्रहासाच्या मेवण्यांक ही गजाल कळतकीर ते धांवत आयले. चंद्रहासाचेर षंढपणाचो आरोप करून घटस्फोट दिवपाची मागणी करून ते भयणीक घेवन गेले. आयज तें आपल्या संवसारांत सुखी आसा. दोन सोबीत चलयो आनी फामिली वांगडा मजेंत जगता. शशी उलयत आशिल्लें आनी हांव फकत आयकपाचें काम करतालें. चंद्रहास घटस्फोटा उपरांत बावळेपणां करपाक लागलो. सामाजीक कुचिद्रांनी ताचो बळी वतलो हें पळोवन शशी आपलो बळी दिवंक तयार जालें. चंद्रहासाक मेळून ताणें बळयां आपलेकडेन लग्न करपाक ताका तयार केलो. केन्नातरी चंद्रहासाचें दादलेपण परतें येतलें हाची शशी वाट पळयत आसा. भुरगेबाळांनी भरिल्ल्या घराचीं सपनां रंगयत बसता. चाळिशी हुपिल्लें शशी आपली कूस फळपाची, आवय जावपाचीं सपनां पळयत वाट पळयता आनी भोगता आपल्या समर्पीत मोगाचे भोग...

पयस रेडियोचेर मराठी पदां चल्ल्यांत. म्हजे कानार तें पद पडटा. ''मीऽऽ राधिका... मी प्रेमिका...'' दोळ्यांमुखार राधेच्या अभिसारिकेच्या वेशांतलें आतूर शशी झळकता आनी दोळे दुकांनी भरून वोततात.

■ ■ ■

We specialize in Goan, North Indian & Tandoor Dishes

(We take Bulk orders for parties.)

NH17
KITCHEN & BAR

NH17, 821 Alto-Porvorim,
Opp. State Bank of India,
Bardez, Goa 403 521.
Tel.: 6512928

परोपकारी विसेंत!

– ब्रॅण्डा मिनेझीस
कुस्मण – केपें, गोंय
फोन : २६६२४९१.

म्हाका मेकळेपणान भोवूंक आवडटा. म्हाका बरें दिसता तेंच म्हाका करचंक जाय. गरजेवंतांची आनी अशक्तांची सेवा करचन म्हाका समाधान मेळटा. तो आश्रम आतां म्हाका बंदखण कसो दिसता. पूण हांव थंय ल्हानाचो व्हड जालां. हें हांव कसोच विसरचंक शकना. म्हाका इगर्जेच्या दाराशीं सोडिल्लो खंय, हांव आठ दिसांचो आसतना. तो दीस मेरेन, हांव व्हड जायसर म्हजो सांबाळ करतल्या सिस्टरिंचो हांव सदांच उपकारी.

इगर्ज भरून ओततालो. पुराय गांव थंय एकठांय जाल्लो.

'ही कूड आमी मातयेक लायतांव
झडटे दिसा ती कर जिवी....'

ह्या भक्तिगिताच्या सुरार, पाद्रीन विसेंतीचे मेल्ले कुडीर पवित्र उदकाचो शिंवर केलो. मीस सोंपलें आनी सगलो लोक भायर येवन वळीन शिमीतरींत वचूंक भायर सरलो. शिमीतरीच्या दाराशीं लोक थांबले आनी विसेंतीची कूड निखिपे जाग्यार काडटकीर, जाता तितलो लोक भितर सरलो. फोंडा भोंवतणी, सगलीं जमा जालीं आनी निमणी प्रार्थना, विसेंतीच्या आत्म्याक पाद्रीन केली आनी मूठभर माती उडोवन तो गर्देतल्यान वाट काडीत, भायर सरून गेलो. हाजीर आशिल्ल्या लोकान, मूठ-मूठभर घातिल्ले मातयेन ताचो फोंड पुराय भरून आयलो. खोऱ्यान माती ओडूंक, पेद्याक इल्लीय माती उरूंक ना. ताणें, घातिल्ली माती सारयत, फोंड निवळ नीट केलो.

''आमचे शिमीतरींत इतलो लोक आमी केन्नाच पळोवंक ना!'' अशेंच सगल्यांच्या तोंडांतल्यान भायर सरतालें. त्या गांव व्हड मानेस्तांचे इंतेर मोठ्या दबाज्यान जाल्ले, पूण इतलो लोक जमूंक नासलो. हो विसेंत? कित्याक आख्खो गांव आ गरजेचीं पासून कामां कुशीक दवरून ही मे कूड मातयेक लावंक आयिल्लो?

जालीं सुमार चाळीस वर्सां, एका अ आश्रमांतल्यान चवदा वर्सां पिरायेचो वि त्या गांवांत पळून आयिल्लो. ताका शिकप बिल्कूल आवडूय ना. म्हणून खुशी नाशिल कसोय करून पांचवेच्या वर्गांत तो पाविल आपणाक परत इश्कोलाक वचूंक पड म्हणून, एके राती, इश्कोल सुरू जावचे पय सगलीं न्हिदिल्लीं आसतना थंयचो सु आयलो. आनी ह्या गांवाक ताणें आपलें मानलें.

सभावान तो मोगाळ आसलो. धपक्या कोणाचेंय मन जिखपाची ताचे कडेन त आशिल्ली. दिसाचें च्यावेच्या गाड्यार ग्ल धुवपाचें काम करून, रातचो म्युनीसीपाल्टीचे बिल्डींगेंत एका कोनश न्हिदतालो.

ल्हव ल्हव तो लोकांमदीं मिसळ जालो. गाड्याबेलें काम ताणें सोडलें आनी बाजारांत येवपी लोकांचीं जड बॅगां आनी पोटल्यो तांच्या घरा पावोवंक लागलो. सकाळचो पेपर आनी दूद दिवपाचें कामूय तो मोठे उमेदीन करतालो. ताचे उपरांत, नेमान तो, इश्कोल सुरू जावचे पयलीं आनी इश्कोल सोंपता तेन्ना, थंय वचून रस्त्यार रावतालो. इश्कोलाचो रस्तो, खूब मोटारींनी गुजगुजलेलो आसतालो. विसेंत धाकटुल्या भुरग्यांक रस्तो हुपूंक आदार दितालो. आनी हें काम तो आपखोशयेन, कितेंच घेना आसतना करतालो. हाका लागून, आवय-बापायक आपल्या भुरग्यांचो चड हुस्को जायना आशिल्लो. आनी अशे तरेन, तो सगल्यांचे बळखीचो जाल्लो. ताच्या मनमेकळ्या सभावाक लागून, तो सगल्यांचे आवडिचो जाल्लो. गरीब अशक्त गरजेवंतांच्या आदाराक तो आपखुशेन, कसलीच अपेक्षा धरिनासतना पावतालो. तांचे आशिर्वाद जोडटालो. गांवच्या एका समाजीक संस्थेन, ह्या बरे कामगिरी खातीर ताचो भोवमान केल्लो.

''अनाथ आश्रम सोडून, असलें हें वाटसूर जिवीत, जियेवंक तूं कित्याक आयला?'' अशें कोणेंय विचारल्यार, तो सांगतालो,, ''म्हाका मेकळेपणान भोवूंक आवडटा. म्हाका बरें दिसता तेंच म्हाका करूंक जाय. गरजेवंतांची आनी अशक्तांची सेवा करून म्हाका समाधान मेळटा. तो आश्रम आतां म्हाका बंदखण कसो दिसता. पूण हांव थंय ल्हानाचो व्हड जालां. हें हांव कसोच विसरूंक शकना. म्हाका इगर्जेच्या दाराशीं सोडिल्लो खंय, हांव आठ दिसांचो आसतना. तो दीस मेरेन, हांव व्हड जायसर म्हजो सांबाळ करतल्या सिस्टरिंचो हांव सदांच उपकारी. पूण कितलो तेंप हांव तांचेर जगतलों? म्हणून पळून आयलों.''

दिसपट्टी तो मिसाक वतालो. केन्ना चुकून तो मिसाक दिसलोना, जाल्यार ताची खबर

घेवंक एकटो तरी म्युनीसीपाल्टीचे बिल्डींगेंत वचून ताची वासपूस करतालो. बरो ना जाल्यार दोतोरागेर वचूंक ताच्या हातातर पयशे दवरताले. सगल्यांच्या कुटुंबानी ताका जागो आसलो.

ताणें व्हडली नोकरी केन्नाच सोदली ना. 'एक जीव सदाशीव' हातुंतच तो सुखी आसलो. बारीक बारीक कामां करून दिसपट्टो जोडटा तेंच ताका पुरो जातालें. जेवणाच्या वा च्यावेच्या वेळार तो कोणाच्याय दारांत, कसल्याय कामांक लागून पावल्यार, ताका जेवण वाडल्या शिवाय कोणूच सोडिनासलो. असो सगल्यांचे अपुर्बायेचो, मोगाचो, आपलो विसेंत!

तातुंतल्या तातूंत, कोणाकूय रस्त्यार अपघात जालो वा कोणूय अकस्मात दुयेंत पडल्यार, विसेंत थंय हजर जातालो. त्या मनशाक हॉस्पीटलांत व्हरूंक आनी ताच्या म्हऱ्यांत रावंक तो तयार आसतालो. अशे तरेन त्या कुटुंबाक तो मजत करतालो. हॉस्पीटलांत दुयेंतींक जेवण पावय, कोणाक वखदां हाडून दी अशें ताचें चालूच आसलें. खंयच्याय वेळार, खंयचेय सुवातेर, आदार दिवंक तो एका पांयार तयार.

त्या दिसा घडलें अशें...

गांवच्या एका जाण्टेल्याक तो जेवण घेवन हॉस्पीटलांत गेल्लो. आपलें काम करून तो बस धरून परत आयलो. बसीवेल्यान देंवलो. रात जाल्ली. खूब काम केल्ल्यान, त्या दिसा तो थकिल्लो. आपल्या न्हिदपाचे सुवातेर वचूंक तो रस्तो हुपतालो. इतल्यान लायट गेली आनी दाट काळोख जालो. ताका केन्ना काय हांथरूणार पडनशें जाल्लें. आनी म्हणून तो काळोख जाल्लो तरूय थांबूंक ना. रस्त्यार मदीं पावला मात त्याच वेळार 'हेड लायट्स' नाशिल्लो ट्रक थंय पावलो आनी नेटान ताका धपको दिवन गेलो. विसेंत शेवटून रस्त्या कुशीक पडलो आनी ताचे थकिल्ले कुडीक सासणाचो विसव मेळ्ळो.

रात देखून, तशेंच काळखाक लागून तो कोणाकूच दिसलोना. आख्खी रात तो थंयच पडून उरलो. दुसरे सकाळीं, मिसाक वतल्या लोकान ताका पळयलो. विसेंतीक कोण वळखचो नासलो? एकूच बोवाळ जालो आनी रोखडोच ताका थंयचो उबारून, ताची कूड निखिपाची तयारी केली. काशावांत घालून ताची कूड इगर्जेच्या आदरार लोकांक निमणें दर्शन घेवंक दवरली.

पुराय गांवांत विसेंतीच्या मरणाची खबर पावली. आठ दिसांचो आसतना, माणकुल्या विसेंतीक, ताचे आवयन इगर्जेच्या दाराशीं सोडिल्लो. आयज ताची मेल्ली कूड इगर्जेच्या आदरावेल्यान आपले निमणे यात्रेक तयार आसली. एक वाटसूर, अनवळखी कसो तो ह्या संवसारांत आयलो आनी मरतना आपल्या बऱ्या करण्यां वरवीं सगल्यांच्या काळजांत आपलो उगडास दवरून गेलो.

■■■

दोन कविता

१

वाऱ्यान तोडूंक ना
अजून...वार
ताच्या म्हज्या प्राणप्रिय संबंधाची

सूर्य आनी हीं वारीं
व्हांवत येतात हांव उक्तीं करतांच
म्हज्या दोळ्यांचीं कवडां
आनी घुसता म्हजे नदरेंत
आनी म्हज्या प्राणांत
दीत दान उजवाडाचें
आनी ऊर्जेचें

पावसाचें धारा नृत्य
म्हज्या शिरंतरांनीं
आपलें संगीत खेळयत
आनी न्हाणयत वयता अथक
आनी दवरता जळटें अहोरात्र
अग्नीहोत्र म्हज्या जाणिवांचें

आनी ही म्हजी धर्तरमाय
रचीत येता रुपकार
होरोव गोट्याचो
फुलां फळांचो
आनी पांचव्याचार चैतन्याचो
म्हज्या रक्ताच्या धंत:पटार

आपल्या आंगार म्हजें पांवल
घट्ट रोमून उबें रावपाची संद
तर म्हाकां धर्तरीन दिल्याच पूण
हे भायर ह्या निळ्या मळबाकडे
आसलेलें म्हजें नातें
निरंतराक जागृत दवरपाचेंय काम
तिणें केलां

ह्या सगळ्यांकडली ही तुटूंक
नासलेली वार, होच म्हज्या
जिणेचो हुंवार

– रमेश भगवंत वेळुस्कार
पाळें, शिरदोन-गोंय.
मो. : ९४२०६८८४६१

२

वंटावेलो हट्टी राग
घट्ट मतींत उल्ला
रात-रात जागरणांचें
फूल जावन फुल्ला

म्हाकांय कळय नास्तना
अचळय तूं मतींत येता
खीण खीण सांगू कशे
सर्ग सूख जावन वेता

कितल्यो बाये तुज्यो अदा
जांचेर म्हजो जीव फिदा
अदा तुजी जावन राधा
करता म्हाका कृष्ण सदा

सूर्य लेगीत तुजे अदेन
अधीक चक्क जाला
वंठावेलो हट्टी राग
घट्ट मतींत उल्ला

॥ काळोखदेव ॥

हांव काळखाची पूजा करतां
काळखाकूड म्हजो देव्हारो
आनी काळोख म्हजो देव!...
म्हज्या काळोखदेवाच्या पुजेचें सगळें साहित्य
वात काळी... तेल काळें
निरांजन - आरत-उजवात काळी
गंध-पिंजर-फुलां काळीं
सगळें सगळेंच काळें
हांवें तें रंगयलां...

म्हज्या काळोखदेवाची पूजा
काळखांत बेस्स बरी चलता
तो आनी हांव एकमेकाक लख्ख दिसता
पूण जेन्ना हांव आरत पेटयतां
तेन्ना उज्वाडाचो म्हाका प्रसाद दिवन
तो खंयचेकडें नाच्च जाता
तो म्हाका प्रसन्न जाता...



– आर. राम
एम-अ
गोवा हाऊजींग
कुर्टी - फोंडा,

पावस

आयलो पावस
दडका दडकांनी
लिपोवन पळोवंक नाका
तेऱ्या पानांवयल्या
उदका थेंब्याक
भांगर समजूं नाका

– अशोक रं. शिलक
शिला - सावयवे



कृष्णा

निळनिळशा मळब कोराचो
माथ्यार तुरो पाखांचो
सुंदर तूं सुंदर सुंदर
राया म्हज्या मनाचो

हातांत मुरली सोबीत
मधूर धून संगीत
आरंभ मुळारंभ तूं
सगल्यां सुख दुखांचो

नटखट तूं मस्तखोर
सगल्यां मदीं तर्पाशोर
तुज्या रंगीत रूपांत मुरला
राया रंग जगाचो

ओड तुजी व्हरता ओडून
भक्तीचें नातें जोडून
कुडींतलो तूं ल्हामण दिवो
दिव्य तेजाचो

श्रध्देचें श्रध्दास्थान
आत्म्यांतलें आध्यात्मज्ञान
तुज्या नांवांत लिकलिकता
परजळ गिन्यानाचो

– सुविना पालकार
नावशी,
पोस्ट : गोवा युनिव्हर्सिटी
फोन : २४५९३२१

आयुश्य

आयुश्य म्हणजे कटकट....
जगपाक सद्दां मरचें पडटा
सुखाचें मोती मेळोवपाक
दुखाच्या दर्यांत बुडचें पडटा

आयुश्य म्हणजे वणवो...
वेदना घेवन जळचें पडटा
पोटाच्या उज्याखातीर
हांगा थंय हेडचें पडटा

आयुश्य म्हणजे काळोख
काळोखान बुडचें पडटा
घरच्यांक मानवता तसलें
थळ सोदचें पडटा

आयुश्य म्हणजे पावस
आप्तांची रखरख सोसपाक
मुक्तपणान कोसळचें पडटा
कश्टांच्या व्हाळांतल्यान व्हांवत
सुखाच्या दर्याक मेळचें पडटा

पूण... आयुश्य अशेंच कित्याक?
म्हाका दिसता...
आयुश्य म्हणजे तानेल्ल्यांचें हांशें
जंय मुक्त ताळ्यान हासपाक येता
दुसऱ्यांकूय सूख दिवं शकता!

– मेहंदी अनय नायक देसाय
१२वी कॉमर्स,
गोपालनगर,
पर्वरी – गोंय

पावस...

पयलो-वयलो पावस
खुबूच सुंदर झडूंक लागला
वयावयलें घसघशीत चली
अचकीत नदरेन भरता
इतलो सोबीत सुंदर दिसूंक लागला

शिरशिऱ्या कवळ्या पावसान
रध्रां कणकणी शिरत्रां कातरता
सगळ्या वाठाराचेर पावस
घसघशीत शिवरूंक लागला
सैमूच सगळो नवे व्हकलेवरी नटला...!

अदीं-मदीं जोगलां
अशीं जोगलावंक लागल्यां
गांवांतलीं सगळीं कुकडां
वाठारांतलीं सगळीं सवणीं
एकमेकाचे वेंगेंत विसावल्यां

पयलो-वयलो पावस
खूबच सुखदिणो
सैमाची सोबितकाय
दोळोभर तोखेवंची
असोच सोबीत सुंदर
पावस झडूंक लागला

– सुनिता शाह
मेरशे – गोंय.
फोन:९४०३०७९०५२

म्हजो बाबू पास जालो

– कुसूम अग्रवाल
शिवोले–गोंय
फोन : २२७२०२१



सगलेच भुरगे बुद्दीन कमी नासतात. थोड्यांक शिक्षणाचें म्हत्व कळना ते खातीर ते निष्काळजी रावतात. अश्या भुरग्यांकडल्यान अभ्यास करून घेवंचो पडटा. पयलींच्या भुरग्यांक शिक्षकाची भिरांत आसताली. त्या भंयानूच भुरगीं शिकतालीं. शिक्षकूय भुरग्यांक शाळा सुट्ल्या उपरांत दवरून अभ्यास करून घेतालो.

२०११ वर्साच्या मे म्हयन्यांत खूब घडामोडी घडल्यो. सगल्यांत व्हडली घडामोड म्हळ्यार २५ मे क सरकारान घेतिल्लो माध्यम प्रश्नाचेर निर्णय. ह्या निर्णयान गोंयच्या संस्कृतायेचो अभिमान आशिल्ल्या गोंयकारांची न्हीद पेड्ड्यार केली.

चडशे पालक आपल्या पाल्याक घेवन मे म्हयन्याचे सुटयेंत भोंवडेक वतात आनी भारत दर्शन करून तृप्त जातात. हांगा तर गोंयचे अस्मितायेचेर वार जाला. चडश्या लोकांनी सभेक वचून, म्हालगड्यांचे विचार आयकून गोंयची अस्मिताय राखून दवरपाक आपआपले परीन वाटो उखल्लो. आपली भोंवडी मुखार धुकल्ली.

ह्याच म्हयन्यांत शाळेंत नापास जाल्ल्या भुरग्यांचे जिणेंत सुद्धां खोशयेचो खीण आयलो. सरकारान आठवीमेरेनच्या नापास जाल्ल्या भुरग्यांक पास करपाची, सगल्या शाळांक आज्ञा दिली. वर्सभर सुस्त आशिल्ले पालक जागृत जाले. म्हजें घर शाळेचे कुशीकच आशिल्ल्यान आमगेर हाजीर जाले.

"टिचर पेपराचेर आयिल्ली बातमी
आतां म्हजो श्यामळो पास जातलो न्ही
हांवें म्हणलें, "अजून शाळेक परि
धाडूना. परिपत्रक येतकच तुज्या पुताक
करतलीं."

"टिचर खरी खबर ही?" तिणें अ
म्हजेकडेन पळयलें आनी म्हणलें.

"बाय हांव तुका कांयच सांगना. क
सरकार तें. कायदो केन्ना बदलत क
सांगपाक जायना."

म्हजीं तीं उतरां आयकून तिचें तोंड प

"पेपरांत आयलां म्हणटकच
आसतलें. तूं आनी थोड्या दिसांनी श
यो."

म्हज्या ह्या उतरांनी तिका मातसो
आयलो.

पांचवी ते सातवीमेरेन, भुरग्याक
जावपाचे नेम सामके शिथील आसतात. थ
सुद्दां अभ्यास करत जाल्यार भुरगो सहज
जावपाक शकता. जो भुरगो नापास जात
एक तर कांयच बरयना वा फक्त प्रस्नपत्रि
बरोवन दिता. सरकारच्या न

परिपत्रकाप्रमाण हो भुरगो पांचवेंतल्यान सवी, सवेंतल्यान सातवेंत आनी सातवेंतल्यान आठवेंत वचत रावतलो. आठवेंतल्यान णववेंत सुद्दां पावतलो. कारण पास जावप हो ताचो अधिकार आसा. भुरग्याच्या कायद्या प्रमाण तो अधिकार तांचेकडल्यान कोणूच काडपाक शकनात. अश्या वेळार तो कर्तव्याकडे दुर्लक्ष करता.

सगलेच भुरगे बुद्दीन कमी नासतात. थोड्यांक शिक्षणाचें म्हत्व कळना ते खातीर ते निष्काळजी रावतात. अश्या भुरग्यांकडल्यान अभ्यास करून घेवंचो पडटा. पयलींच्या भुरग्यांक शिक्षकाची भिरांत आसताली. त्या भंयानूच भुरगीं शिकतालीं. शिक्षकूय भुरग्यांक शाळा सुटल्या उपरांत दवरून अभ्यास करून घेतालो. आतां भुरग्यांच्या कायद्याप्रमाण तांकां जबरदस्ती करपाक जायना अशा वेळार शिक्षकूय निर्शेतात. घराकडे भुरगीं आवय बापायक आयकनात. निमाणें तांचें भविश्य काळखांत.

६ जूनाक शाळा सुरू जाली. सरकारी परिपत्रका प्रमाण आठवीमेरेन नापास जाल्लीं भुरगीं पास जावन वयल्या वर्गांत गेलीं. नापास जाल्ल्या भुरग्यांचेर तशेंच तांच्या आवयांचेर खोशयेचें ल्हार पातळल्लें. पांचवेचीं सगलीं भुरगीं सवेंत गेलीं. पूण एका भुरग्याच्या नांवाचेर आडी मारिल्ली. म्हाका दिसलें नापास जाला म्हूण भुरग्यान शाळा सोडली आसतली! चौकशे उपरांत कळ्ळें तो भुरगो पांचवेतूच बसला. तशी ताच्या आवय-बापायची इत्सा आसली.

म्हाका अजाप दिसलें. हांवें मुख्याद्यापकाक म्हजी शंका विचारली. तिणें सांगलें, 'आवय-बापूय' म्हणटात जर ताका सारकें बरोवपाक आनी वाचपाक कळना जाल्यार सवेच्या वर्गांत वचून कांयच उपेग ना. तो थंय बसून फक्त आयकतलो. बरोवपाचीं आनी वाचपाचीं उद्दिश्टां सफळ जांवचिना. एक वर्स पांचवेंतूच बसल्यार ताची बुनयाद बरी जातली. ताका कांयच कळना अशे स्थितींत ताणें एका वर्गांतल्यान दुसऱ्या वर्गांत वचप हें आमकां मान्य ना. आमी ताका शाळेंत धाडटात गिन्यान मेळोवपाक. ताणें बरें वाचचें आनी बरोवचें म्हूण.

हांवें त्या आवय बापायक सलाम केलो. सगल्यो आवयो आपल्या पुताक पास करात म्हणटाल्यो. फेल जातकच आमच्या मुखार येवन दुकां झरीनी रडटाल्यो. पूण म्हज्या ३२ वर्सांचे शिक्षकी जिणेंत पयलीच आवय हांवें पळयली जी आपल्या पुताक त्याच वर्गांत बसुंदी म्हणटाली.

प्रत्येक पालकान हे भाशेन विचार करीत जाल्यार आमच्या भुरग्यांचीय बी गिन्यान मेळोवपाची भूक वाडटली. ४० भुरगीं आशिल्ल्या वर्गांत तीं शेणटात. अश्या भुरग्यांकडे सुरवाती पासून लक्ष दिलें. तांकां अभ्यासांत मजत केली जाल्यार तांच्याय मनाक घटसाण मेळटली. शिकवणीक धाडून हें शक्य जाताच अशें ना. त्याखातीर पालकांनी तांका वेळ दिवचो पडटलो. तांची अडचण समजून घेवंची पडटली. म्हालगड्यांनी ओगीच म्हणुना 'भुरग्यांक जल्म दिवप सोपें. पूण तांकां वाडोवप कठीण.'

■■■

बिम्ब प्रकाशनाचीं नवीं पुस्तकां

तॉलस्तॉय	: रवीन्द्र केळेकार	मोल : १२० रुपया
बाकी विशेश	: दिलीप बोरकार	मोल : १०० रुपया
जाय काय जूय? (दुसरी आवृत्ती)	: दत्ता दामोदर नायक	मोल : १०० रुपया
आत्मभान (कादंबरी)	: सुजाता सिंगबाळ	मोल : २०० रुपया
स्वीकार (कथा संग्रह)	: सुजाता सिंगबाळ	मोल : १२० रुपया
काणी एका सुण्याची (बाल साहित्य)	: सुधा खरंगटे	मोल : १०० रुपया
बोरकारी	: दिलीप बोरकार	मोल : २०० रुपया
Shreyarthee	: Dilip Borkar	Rs. 200
मेथये पावलां (कविता)	: दिलीप बोरकार	मोल : १०० रुपया
कुळागरांतलो सर्गानंद (ललित)	: नं. ध. बोरकार	मोल : १२० रुपया
एक आंकवार डायरी (कादंबरी)	: दिलीप बोरकार	मोल : १०० रुपया
क्रिशम (प्रवासवर्णन)	: दिलीप बोरकार	मोल : २०० रुपया
मेटींग (कथा संग्रह)	: दिलीप बोरकार	मोल : १५० रुपया

पुस्तकां खातीर संपर्क करात : फोन : [illegible]
ऑर्डर नोंद केल्यार आमी पुस्तकां घरपोच पाठयतात
१५% सवलती सवत.

उभ्र कुवाडें

बिम्ब जुलाय ११

आडवे

१. बरीं कर्तुबां आधारपी, नितीवंत
४. चडांत चड
७. पुंजावप, इश्टागत जोडप
८. पध्दत, चाल
१०. चडटी
११. दांत (संस्कृत)
१३. खूब जड
१४. प्रस्न (हिन्दी)
१५. आरंभ
१६. लडो, पेट
१७. माथ्यावेलें वजें दवरूंक मार्गाचे कडेक केल्ली फातरांची उबारी.
१८. वांचोवप, जीव वाटावप
२१. फळांचो पातळ द्रव
२३. अपरिचीत, वळख देख नाशिल्लें
२४. उत्सव
२५. झाडाचें मूळ
२६. अवतार घेवप, उदेवप

– संतोष शिवराम हळ
बांदिवडे
फोंडा-गोवा ४०३

१		२	३	■	४		५		६
		७				■		■	
८	९	■		■	१०			■	
■		■	११	१२		■	■	१३	
१४			■		■	१५			
१६		■	१७				■		■
	■	१८			■	■	१९	■	२
२१	२२	■		■	२३				
■	२४			■		■		■	
२५		■	■	२६					■

उबे

१. पुजा करपी, भटजी
२. कंटाळो, उबगण
३. वंदन, नमन
४. अजीर्ण, जिरवण नासपाचो दोश
५. हेत, निमित्य
६. नवें, ताजें
९. तरसाद
१२. भिरांत घालप, शिटकावप
१३. सार, तात्पर्य
१४. बातमी, खबर
१५. कोलूग, कुत्री
१९. फुरसत, वेळ, भार
२०. सगळें, पुराय
२२. विस्कळ, गळगळीत
२३. उणाव

घ	ड	या	ळ	■	सां	ग	णी	■	नि
ड	■	त	■	नं	ब	र	■	■	स
णू	■	ना	र	द	■	ज	ल	मा	र्ग
क	मी	■	■	न	ळ	■	■	न	■
■	न	र	सिं	व	■	वि	र	कु	टें
न	■	■	ग	न	■	न्न	■	रा	■
व	लं	गा	र	■	खा	■	म	द	न
ल	■	डे	■	हे	व	शे	न	■	क
का	र्य	का	री	मं	ड	ळ	■	पा	ळ
णी	■	र	■	त	■	■	सो	रो	प

जू
न
उ
त
र
कु
व
ड
र्च
ज
प

प्रिय सखी,

तुजो मुंबयच्यान फोन आयलो आनी हांव शॉकाद. गोंयांत पावस लागला आनी तूं उठून मुंबय वता हो विचारूच कांय वेळ म्हाका तोंसवलोना.

तूं म्हजेवरींच पावसपिशें म्हणपाचें हांव जाणां. कित्याक, ह्या विशयाचेर आमी खूऽब उलयल्यांत. तुवें पळयल्लीं पावसाचीं वेगवेगळीं रूपां तुवें म्हाका वर्णन करून सांगल्यांत. पावसावरींच तुवें तीं म्हजे मुखार रकयल्यांत म्हळ्यार जाता. हांवेंय तुका म्हाका जसो पाबस भावला, म्हाका तो जसो आवडटा तें सांगलां. देखून तूं दर पावसांत म्हजी याद करता आनी पावसाचेर दडकानी उलयता. तेच पासत तूं पावसांत गोंय सोडून मुंबय गेलां हें आयकून हांव अजापलों.

गोंयकार चवथीक गोंया भायर आसले तरी घरा परततात. तशें पावसांत तुवें, हांवें संवसाराच्या खंयच्याय कोनशाक आसल्यार पावसांत मात गोंयचे भुंयेर परतुंकच जाय अशें म्हाका कित्याक कोण जाणा दिसता.

तूं म्हणटलें, पावस कितें गोंयांतूच पडटा? तो गोंया भायर हेरकडेन पडना?

पडना कित्याक? तुवेंच तर फोनाचेर सांगलां मुंबय पावस सुरू जाला. दर दिसा सांजचो तीन वरांचेर घसघश्यांनी पावस रकता आनी रोखडोच थांबता. आयकून म्हाका हांसुकूच आयलें. ताका कितें पावस म्हणपाचो? त्या कॉंक्रिटच्या जंगलांत पावस पडप म्हळ्यार बाथरूमांतलो फ्लॅश ओडपासारको. थोडोवेळ आवाज करीत घसघशीत उदक ओततलें आनी मागीर खंयचे कडेन कांयच ना! मुंबय जो पावस पडटा तो पावस न्हयच. पावस पडप म्हणटात थंय पावस रकतकच तो पावस जिरोवन घेवपा खातीर वैशाखवणव्यांत सामकी भाजून तयार जाल्ली माती आसूंक जाय. आपल्या पोटांत तरांतरांचीं बिजां घेवन, तीं अंकुरवपा खातीर पावसाची वाट पळयत तिश्टवपी, पावसाक वेगावंक आसुसलेली माती. ते मातयेर पावसाचे पयले वयले थेंब पडटकच सुटिल्ली ती ऊब. आनी ते उबे वांगडाच आसमंतांत पातळपी तो धुंद करून उडोवपी मातयेचो वास, मृदगंध. येता हो गंध मुंबय पडिल्ल्या पावसांत? म्हणूनच तुका हांवें पिशें म्हळां. पूण तुवें पुताच्या ॲडमिशना खातीर वचचें पडलें अशें जेन्ना सांगलें तेन्ना हांवें माफ केलें तुका.

सखी, आमच्या मुखार सैम सुखाचे कितलेच खीण ता ता थय थय करून एक सारके नृत्य करीत आसतात. पूण आमी सगळ्यांनी आमकां संवसार म्हणटात त्या साखळयांनी बांदून घेतल्यात. हो संवसार करतना पावला कणकणी आमचे मुखार कितल्यो अडचणी, कितल्यो समस्या येवन उब्यो रावतात. त्यो सुटाव्यो करता म्हणसर जीव गोळाक लागता. हो गोळाक लागिल्लो जीव सैमाकडेन मुक्तपणान पळोवंक शकच ना. खूऽब म्हत्वाचे खीण आमच्या हातांतल्यान सुटून वतात, पर्थून केन्ना न येवपा पासत. तेन्ना म्हजे सारख्याक प्रस्न पडटा हेंच काय तें जीवन?

संवसारांतल्यो समस्या सगळ्यांकूच आसतात. त्या समस्यानीच जर आमी स्वताक रेवडावन घेतले जाल्यार भायलें जग पळोवपाक शक्यूच ना. तेन्ना संवसारांत रावनूय तातूंत पुर्णायेन गुंतून पडनासतना अलीप्त दवरपाची कला आमी दर एकल्यान आपले भितर बळावंक जाय.

अशें आसलें तरी तूं म्हणटलेंच, तुजें कितें बाबा, तुका ना फाटलें ना फुडलें. एकटो जीव सदाशीव. हांव मुंबय गेल्याबगर ॲडमिशन कशें जातलें? पावससुखा खातीर हांव म्हज्या पुताक एकटों धाडूं? तुजी अडचण खरी... शंबर टक्के! म्हणून म्हळें न्हय, सॉरी आय ॲम सॉरी!

तरी हांव तुका कित्याक शिणलों जाणां, म्हाका मनापासून दिसता, हांव जे नदरेन पावस पळयतां, अणभवतां, म्हज्या मनांत भावनांचो मागीर जो खेळ चलता तो हेरांच्याय मनाक स्पर्शून वचचो. तेच पासत समविचारी जे कोण आसात तांचेचकडेन हे विशीं संवाद सादपाचो, ताणींच म्हजेवरी खोस भोगची आनी त्यो भावना म्हजेकडेन व्यक्त करच्यो अशें म्हाका दिसता. कित्याखातीर हें अशें? तुका जें कितें भोगता, जें कितें होलमता तेंच, तशेंच हेरांकूय होलमूंक जाय असो तुजो अट्टाहास कित्याक? अशें तूं हें पत्र वाचून म्हणटलें. पूण म्हजे सखी, हांव हें सगळें तुजेकडेन शेअर करतां. हेरांकडेन न्हय. म्हाका जो कोण समजून घेता ताचेच कडेन हांवें व्यक्त जावप न्हय? तूं म्हज्या विचारांच्या खंयतरी लागीं आसा देखून हांव तुजेकडेन संद मेळटा तेन्ना व्यक्त जातां. उक्तो जातां.

म्हजें हें तुजेकडेन उक्तें जावप शरिराचें उक्तेपण न्हय. मनाचें उक्तेपण. हांव तुजे कडेन ओडटां तो तुजे शरिराचे ओडीन न्हय. तुज्या मनाचे सुंदरायेचे ओडीन. तूं जाणां, आयज शरीर पायलेक पंचवीस मेळटात. हांव हांगा बायलांचो अपमान करिना, पूण तो फॅक्ट जावन आसा. पूण जीवनाचेर प्रेम करपी, जीवनाचो अर्थ समजून घेवपी, ह्या विश्वाचे दरेक घडामोडीकडेन अजापान पळयत ताचो अर्थ समजून घेवपाचो प्रयत्न करपी बायलां मदलें तूं! तूं फक्त रांदा, वाडा, उश्टीं काडा करिना. तें सगळें सांबाळून सैमाची उस्तवारीय करता.

अकस्मात येवपी मुंबयच्या पावसांत तूं खंयतरी रस्त्यार बिल्डिंगेच्या आडसाक उबें रावन पावस वचपाची वाट पळयत आसा अशें कितें तरी चित्र म्हज्या दोळ्यांमुखार येता आनी म्हजें म्हाकाच हासूंक येता. तुका ते अवस्थेंत पळोवप म्हळ्यार पावसाचो अपमान करप. मुंबयच कित्याक? पुराय संवसारार अकस्मात, अवेळार पावस आयल्यार बायलांची तारांबळूच उडटा. पावस थारतलो आनी केन्ना बाजार करून घरा परततलीं, मात्सो पावस थारल्यार आपूण अमूक करतलीं आनी तमूक करतलीं ह्या विचारांनी मुखामळार केल्ली गर्दी, त्या पावसांतूय पळोवंक तशी वायट दिसना. दरेक संवसारी बायलेच्या वांट्याक ती अवस्था येताच. पूण संवसार सांबाळुनय पावसांत पावसाळी जावपी सखी ती तूंच. तुवें पावसाची थांबपाची वाट पळयत आडसाक उबें रावप

न्हय. तुवें पावसाक आव्हान दिवन सांगप, झड रे पावसा तुका जाय तितलो. पळोवया तुजी कापस्ताद, तूं म्हाका भिजोवन थकता काय हांव तुका झेलून थकतां तें!

सखी, तुवें 'बरसात' सिनेमांतलो पावस पळयलाच. राज कपूराचो नर्गीसा वांगडचो तो सत्रेंतलो सीन, तो पावस आनी तें गीत 'प्यार हुआ इकरार हुआ' तें समजपूच वेगळें. फक्त राज कपूर, नर्गीस दत्त आनी तुजे म्हज्या सारख्यानूच समजुपाचें तें. आनी तें एक गीत - स्मीता पाटील आनी अमिताभ पावसांत म्हणून नाचतात तें - आज रपट जाए तो हमे ना बुलय्यो... स्मीता पाटलाच्यो त्यो पावसांत भिजिल्ल्यो अदा! पावस ग्रेटच, पूण स्मीताय ग्रेट. स्मीताचे अदाकारीन, स्मीताच्या भिजपान उंचायेवेल्यान झडपी त्या पावसाकूच एक उंचाय दिल्या. तुका समजता न्हय हांव कितें म्हणटा तें? तुका समजता देखुनूच हांव तुजे मुखार व्यक्त जाता न्हय!

पावस लागलो म्हणटकच, चडसो आषाढ लागलो म्हणटकच आमचे खूबशे कवी, कवयित्री बी व्यक्त जातात. तांचो एकूच अपुर्बायेचो विशय आसा तो कालिदास, आषाढस्य प्रथमदिवसे, आनी मेघदूत. त्या परस आमचे कवी, साहित्यीक मुखार वचचनांत. दर वर्सा आपलें आषाढस्य प्रथमदिवसे.

म्हाका कालिदासाचें 'मेघदूत' आवडटा. रामगिरी पर्वताचेर उबो रावन प्रियेच्या यादीन तळमळपी यक्ष, आषाढांतल्या पयल्या दिसाचो एक ढग ताका दिसप, त्या मेघाकूच आपलो दूत म्हणून आपले मोगिकेकडेन धाडप. कालिदासाचे कल्पना शक्तीन ताचें काव्य अजरंवर करून उडयलां आसतय. हांव मानतां. जेन्ना हांवें पयलीं 'मेघदूत' वाचलें तेन्ना हांवूय सामको उत्तेजीत जाल्लों. पूण जसोजसो कालिदास समजूंक लागलो तसतसो ताचेविशींची ओड कमी जावंक लागली. हाचो अर्थ कालिदास ल्हान न्हय. ताचेकडेन पळोवपाचीं म्हजीं जीं स्थित्यंतरां आसात ते नदरेन म्हणटा हांव. कालिदासाचो हो रामगिरी पर्वताचेर विरहान उबो आशिल्लो यक्ष कोण? कुबेराच्या सुवर्णसरोवराचो रक्षक काय खासा महाकवी कालिदास? हांवें आयकलां, वाचलां ते प्रमाण महाकवी कालिदास म्हणोवपी हो मनीस मुळांत अज्ञानी आशिल्लो. त्याच राज्याची राजकन्या कमला ही सुंदर आशिल्ली. त्या भायर खूऽब बुदवंत. तेन्ना तिचेच बुद्दी इतली सरस आशिल्ल्याकडेनूच तिचें लग्न लावप अशें थारिल्लें. सर भोंवतणचे खूब बुदवंत येतात. ती तांका हारयता. अशेच दोग विद्वान जांकां तिणें हारयल्ले ते अपमानीत जातात आनी कमलाचो सूड घेवपाचें थारायतात.

वाटेंत तांका एक मूर्ख झाडार बशिल्लो दिसता. तो जे फांदयेर बसला तीच फांदी कापतालो. हे दोगूय विद्वान त्या मूर्खाक व्हड विद्वान, बुदवंत म्हूण तयार करून तिजेकडेन धाडटात. ताणें कांयच उलोवचें न्हय तर फक्त ती उलयता तेन्ना हातवारें करचें अशें सांगता. सुंदर राजकन्येकडेन लग्न जावंक मेळटा म्हूण तो मुर्ख फुलता. ते विद्वान सांगतात तशें वागता. त्या मूर्खाच्या खुणांचो, हातवाऱ्याचो अर्थ ते विद्वान लायतात. राजकन्या तें आयकून तो मूर्ख विद्वान म्हणपाचें मान्य करता. ताचेकडेन लग्न जाता. राजकन्येचो सूड घेवन विद्वानूय वतात.

जेन्ना पयले राती राजकन्या त्या मूर्खाक उलोवंक लायता तेन्ना तो मूर्ख म्हणपाचें तिका कळटा. तिका धक्को बसता. त्या मनशाक संस्कृत लेगीत सारकी उलोवंक येना तें पळोवन ताका ती धांवडावन घालता. ह्या धांवडावन घाल्ल्या मूर्खाक काली प्रसन्न जाता. काली म्हळयार सरस्वती ताका वर दिता. ते काली देवीचो हो दास म्हळयार कालिदास. पूण ह्या कालिदासान स्वताविशीं खंयच कितें बरोवन दवरूंक ना. कोणाकूच तो कोण हें खबर ना. पूण ताणें बरयिल्लें 'मेघदूत', 'ऋतूसंहार', 'शाकुंतल' बी साहित्यविश्व व्यापून उरल्यांत. मूर्खाक लेगीत सरस्वती प्रसन्न जाली जाल्यार तो समस्त जगाचेर शेक गाजोवंक शकता होच संदेश का दिवंक सोदता अशें म्हाका दिसता.

म्हाका कालिदास आवडटा तो विश्व सृजनाचो संदर्भ मनांत जागयता देखून आमचे कवी पावसाकडेन प कालिदासाची याद करतात ती यक्ष विरहाक लागुनच. कालिदास काव्यांतल्यान एक स्पश्ट जाता तें अ म्हयनो म्हळ्यार चैतन्य निर्मितीचो, मिल काळ. ह्या म्हयन्यांत पावस रकत चराचरांतल्या दरेक सजीवात मिलनाची निर्माण करूंक. तेच पासत पावस लागले आमचे कवी, साहित्यिक कालिदा वथरेतात पूण म्हाका याद जाता ती ऋतुमती झाल्या ग- पाने पिटती टाळ्य म्हणपी आमच्या बाकिबाबाची. आ रमेश वेळुस्कारांतूय ती संवेदना खूब खर आसा.फाटल्या एका नवप्रभा अंकात 'उघडा पाऊस पसा' हो अप्रतिम वाचिल्लो. तेन्ना सहज मनांत विचार आ आमी कालिदासाक नाचयतात आनी त नांवान स्वताक व्हड करतात. पूण आ मदीं व्हड मनीस आसात तांचें व्हडपण आ केन्ना कळटलें काय? व्हडपण मान्य क दानत जाय पडटा. चड पावसाळे काढ शक्य जायना.

बरें गो, तुका तुजो मुंबयचो पावस मुबा तुका हांव पत्र बरयतां पळय तें एका वेगळ संगितांत. वयर मळबांत कुपांचें संगीत, भ रकतल्या पावसाचें संगीत, व्हांवत वाऱ्याचें संगीत आनी पावस मात्सो जाल्या बराबर म्हज्या घराच्या सरभोंवतण शेतांतल्यान एका तालसुरांत गावपी बेब्यां गावपाच्या आवाजांत. तांची साम जुगलबंदीच चल्ल्या. कोण 'एक ए म्हणटा, कोण 'एक दोन एक दोन' म्हण मीलनाचें संगीत तें. आमच्या सारख सृजनांच्या मनांत तेंच वाजता पावसा तालार. जावं तो कालिदास वो जावं तो दिल बोरकार. हय काय न्हय?

■■

जी प्रवृत्ती स्वातंत्र्य संग्रामांत आशिल्ली तीच तुमी तुमचे मदीं बाणयात.

– क्रांतिवीर मोहन रानडे

स्वातंत्र्यसैनीक, क्रांतिकारी जावं आयचे चळवळे लोक हांचे विशीं आमकां भारी प्रेम आनी आदर. मोहन रानडे हे अशेच एक क्रांतिवीर स्वातंत्र्यसेनानी. गोंय मुक्ती पासत ताणीं सशस्त्र लढो सुरू केलो. तो रोमांचकारी इतिहास तांच्याच तोंडांतल्यान आयकल्लेवरी आमी दर म्हयन्याक 'सतिचे वाण' ह्या पुस्तकाच्या अणकारांतल्यान वाचतात. गोंय मुक्तीच्या भांगरामहोत्सवाच्या निमतान १८ जूनाक तांचो फोंड्यां सत्कार जालो. त्या निमतान ते गोंयांत आयिल्ले तेन्ना ॲड. सतिश सोनक हाणीं ३६५ चॅनला खातीर तांची मुलाखत घेतिल्ली. ते मुलाखतीचें शब्दांकन करून आमी तें 'बिम्ब'च्या वाचकांमुखार दवरतात. मूळ मराठी मुलाखतीचो कोंकणी अणकार.

*** क्रांतिवीर मोहन रानडे गोंय मुक्तीसंग्रामाचे गौरवशाली प्रतिक जावन आसात. गोंय मुक्तीसंग्राम गोंयचे पुरतोच केन्ना शिमीत नाशिल्लो. भारतीय स्वातंत्र्य लढ्यांतली ती अंतीम लढाय आशिल्ली. पुर्तुगेज साम्राज्यवादी विरोधपर्वांतली पयली रणभेरी आशिल्ली. गोंय मुक्तताय भारतीय स्वतंत्रतायेची पुर्णताय आशिल्ली. आफ्रिकेंतल्या पुर्तुगेज साम्राज्याची तशेंच पर्तुगालच्या हुकुमशायेची ती मृत्यूघंटा आशिल्ली. ते मृत्यूघंटेची दोरी आशिल्ली स्वातंत्र्यवीर मोहन रानडे हांचे हातांत.**

देशाक स्वतंत्रताय मेळळया उप्रांत हो देश स्वातंत्र्य सैनिकांच्या हातांत उरनासतना भ्रश्टाचाऱ्यांच्या हातांत गेलो. हें अशें कित्याक जावंक पावलें?

** हो देश स्वातंत्र्य सैनिकांच्या हातांत उरचो अशी महत्वाकांक्षा नाशिल्ली. स्वातंत्र्य सैनिकांचें एक थारावीक अस्तित्व आसता. स्वातंत्र्या उपरांत लोकशाय अस्तित्वांत येता. स्वातंत्र्याचे लढायेवेळार आमकां अजिबात इत्सा नाशिल्ली, आकांक्षा नाशिल्ली आनी महत्वाकांक्षाय नाशिल्ली की देश स्वातंत्र्य सैनिकांच्या हातांत रावतलो. तांची ताचेर सत्ता उरची अशें कोणाकूच दिसनाशिल्लें.

*** स्वातंत्र्यसैनिक राज्य करचेनात हें इतलेमेरेन बरें आसा. पूण क्रांतिदिनी स्वातंत्र्य सैनिकांक बंदखणीत उडयतात हाका कितें अर्थ आसा?**

** ही खऱ्यानीच दुखाची गजाल आसा. दुर्दैव्य आसा. एक गजाल खरी की आयज लोक जागृत रावतात. जायते खेप आमी समजतात की लोकांक एकदां वेंचून दिले की आपलें काम सोंपलें. तांचें ते पळोवन घेतलें. पूण तें तशें नासता. वेंचून आयिल्ले लोक विधानसभेत, संसदेंत जें कितें उलोवपाचें आसा तें उलयतले. पूण ताणी कितें उलोवचें हे पासत भायल्यान दबावगट निर्माण करचो पडटा. हो दबावगट जर निर्माण जालो ना तर दर पाच वर्सांनी वेंचणुको येतल्यो, लोकांक वेंचून हाडटले. पूण ताका कांय अर्थ नासता. तर दबावगट मुद्दाम तयार करचे पडटात आनी संसदेंत जशें राज्य चलतलें ताची प्रक्रिया संसदेच्या भायरूय चालू उरूंक जाय. समजा एखाद्रो अन्याय जाता जाल्यार तुमी तुमच्या

आमदाराक सांगलें की तू हाचेर सभागृहात उलय. हें इतल्यारूच सोपतलें? ना. त्या अन्याया आड तुमी उठाव करूंक जाय. लोकशाय मार्गान दाद मागूंक जाय. म्हणटकच वेंचून आयिल्ल्यांचेर दबाव येता आनी तो येवंकच जाय. आनी तो येता. खूबश्या घडणुकांनी आमी पळयल्लो आसा. संसदेंत अथवा विधानसभेंत जे कायदे जाल्ले आसात ते जायतेखेप दबावाखालूच जाल्ले आसात. आनी जायते खेप नाईलाज म्हण करचे लागतात. आता म्हायती हक्काचेंच पळयात. हो कायदो करपाखातीर चार आमदार अथवा खासदार एकठांय आयले आनी कायदो केलो वो मंत्रिमंडळान निर्णय घेतलो, 'आरे आमी ह्या लोकांक हें दिवया' अशें अजिबात जावंक ना. लोक उठले. ताणी नेटान मागणी केली. आंदोलन केलें तेन्ना ही मागणी मान्य जाली. खंयचीय गजाल मागून मेळना. ती तुमकां मेळोवची पडटा. स्वकीयांकडल्यान लोकशाय मार्गान तुमी ती मेळोवंक जाय.

*** मीनाकुमारीची ते विशींची एक शायरी आसा. 'बीना मांगे मोती मिलते है, मांगे तो भीख भी नही' हांगा झोंबुनूच सगळें घेवंचें पडटा.**

** ह्यो सगळ्यो गजाली लोकशाय मार्गानूच करच्यो पडटात. तुमी परकीयांकडेन सशस्त्र मार्गान झुंजल्यात तशें आता कित्याक करिनांत? हाका अर्थ नासता. जो मेरेन लोकशाय आसा तो मेरेन लोकशाय मार्गान दबावगट निर्माण करचो लागता. आनी तें जावंक शकता. पंतप्रधान इंदिरा गांधी लेगीत पराभूत जावंक शकता ह्या देशांत हें आमी पळयलां. हाचो अर्थ लोकशाय दुबळी जाली अथवा लोक दुबळे जाले अशें जायना. राजीव गांधी पंतप्रधान आसतना ताणीं अशें म्हणिल्लें, 'आमी मंजूर केल्लो एक रुपया लाभार्थी मेरेन पावमेरेन ताचे पंदरा पयशे जातात'. सत्तेर आशिल्ल्या पंतप्रधानान जेन्ना अशें म्हळें तेन्ना तें खरेंच आसतलें. पूण हें थांबोवप आमच्या हातांत आसता. ताचे पासत त्याग करूंक जाय. स्वातंत्र्या खातीरूच त्याग करचो पडटा अशें कांय न्हय. स्वातंत्र्या उप्रांतूय त्याग करचो पडटा.

*** लोकशाय आशिल्ल्यान सशस्त्र लढ्याची आयज गरज ना असो एक मुद्दो तुमी त्या संदर्भांत मांडला. आज तुमी ८१ वर्सांचे आसात. तरूणपणार तुमी 'रणाविना स्वातंत्र्य कुणा मिळाले' अशें म्हणपी सावरकरांचें दायज तुमी चलयताले. तर प्रस्न असो आसा की तुमी लोकशाय आसा आनी दबावगटूय जावंक जाय अशें म्हणटात. आयज जेन्ना ५० हजारांचो दबावगट रामलिला मैदानार जाता, तर अश्रूधूर लाठीमार करून एक आंदोलन चिड्डून उडयतात. तेन्ना खंयतरी तरनाट्यांच्या मनांत विचार येता, खंयतरी एखाद्रो योगगुरू रामदेवबाबा सांगता ११ हजारांची फौज उबी जावंक जाय तेन्ना लोकशाय कागदाचेरूच आसा पूण प्रत्यक्षांत आसा काय ना असो जेन्ना प्रस्न येता तेन्ना लोक नक्षलवादा कडेन वतात. तेन्ना तुमी तांका कितें मार्गदर्शन करतले?**

** तुमी सशस्त्र मार्गान जरी गेले तरी पांच वर्सांभितर बदल घडोवप शक्य ना. परकी सत्ते आड सशस्त्र आंदोलन करप आनी तांका धांवडावन घालप ही गजाल वेगळी आनी जे लोक तुमच्याच मदीं रावतात तांका सशस्त्र क्रांती करून धांवडायतले तरी खंय? ते तुमचे सोयरे दायरे आसात, आप्त-इश्ट आसात, तुमी ज्या देशाचे नागरीक आसात त्या देशाचे तेय नागरीक आसात. तेन्ना सशस्त्र संग्राम हो शक्य ना आनी तो योग्यूय न्हय.

आता जर रामदेवबाबा एक हजार, दोन हजार, तीन हजार अशे अन्नसत्याग्रहाक बसले तर ताचो परिणाम जाताच. आतां जे ५० हजार लोक तुमी म्हणले ताचो परिणाम भोगचोच पडटलो सरकाराक. आतां रोखडोच नासलो तरी म्हयनो दोन म्हयन्यानी, वर्सान परिणाम भोगचोच पडटलो. तर असो हो त्याग फुकट वचना. लोकशाय मार्गान केल्लें आंदोलन व्यर्थ वचना. कांय दिसांनी ताचो रिजल्ट आमकां दिसून येता. हो एक सत्ताधारी आसा, ताका मारलो तरी ताचो सोयरो आसा.

*** कोणाक मारपाखातीर सेना न एक स्वसंरक्षण आनी तुमी म्हणटा आमचीं मनां मेल्लीं आसात तीं दवरूंक जाय.**

** हांवूय तेंच म्हणटां तीं जीवंत दवरूं कुसुमाग्रजानी आपले कवितेंत हे विशीं म्हळां.

– कधी न थांबलो विश्रांती

ते वेळची ती बेहोषी आजुनय सांबाळूंक जाय. ते स्थितीतूय त्यागाच नशा आसता. ती नशा आमी आ आंगांत भिनोवपाक जाय. एक दोन दी तर दीर्घकाळ काम करचें पडटा. पर धांवडावंक तुमकां इतलीं वर्सां ला स्वकीयांचो अन्याय पयस करूंक तुम परस चड दीस लागतले. कितें आसता, आडचो लढो तसो सोपो आसता. तुमका आसता कोण तुमचो शत्रू हें. तुमच्या देश जनता तुमचे फाटल्यान आसता. सक्रीय नासली तरी तुमचेविशीं आपुलकी आसता. जेन्ना आमी पोम्बुर्प्याच्या जं रावताले तेन्ना सगळेच काय पोम्बु 'आमी तुमचे वांगडा येतात' म्हणनाशिल्ले. प्रत्यक्षांत तांच्या त्य मर्यादा आसतात. पूण आमकां अन्न पावतालें. तीं हींच मनशां. तेन्ना परकी स आड तुमकां सहानुभूती आसता. स्व सरकारा बाबतींत ही गजाल कठीण आ

*** गीतेंतूय होच प्रस्न आयिल श्रीकृष्णाक अर्जूनाक सांगचें पडलें स्वकीयां आड शस्त्र उबार.**

** प्रस्न असो आशिल्लो की शत्रू सै म्हजे गुरू आसात, म्हजे काका आसात, आसात, सोयरे आसात तें पळोवन थतरवितर जालो. तेन्ना स्वकीयांनी के अन्याय पयस करपा खातीर खूब सहन लागता, काळ सरचो पडटा. ती सहन आपलेकडेन आसची पडटा. ती आपलेकडेन आसची पडटा. देश पारतं आसतना ती क्रांतिकारकांकडेन आशि

*** आता तुमी 'बेहोष होऊनी ध्येयपथावर' धावपाची गजाल केली. म्हाका दिसता ती 'गर्जा जयजयकार' कवितेंतली आसा. तातूंत भारतमातेक उद्देश्यून म्हणिल्लें आसा –**

कशापायी विझविती डोळे

** खऱ्यानीच आमकां परिस्थिती जर बदलपाची आसत तर आयज आमकां तेंच करचें पडटलें. – सरणावर जळतात प्रेते...

*** उष:काल होता होता काळरात्र झाली**
अरे पुन्हा आयुष्याच्या पेटवा मशाली
हे कवितेंतली मनोवृत्ती आसा आयुश्याच्यो मशाली पेटोवपाची. अण्णा हजारेंच्या फाटल्यान मिणमिणट्यो मेणवाती घेवन फकत आमी मिरवणूक काडटात. तातुंतल्यान कितें फरक पडपाचो आसा?

** म्हाका खूबदां दिसता की जे आपल्याक न्याय जाय अशें म्हणटात ते सादें मतदान करूंक तयार जायनांत. आयज शारांत अशी परिस्थिती आसा की निराशेंतल्यान आतां कांयच जावपाचें ना म्हणत मतदान करिनात. शारांत मतदान इतलें उणें जाता की आपल्या एका मतान लेगीत फरक पडूंक शकता हाचें भान दवरून हेरांक मतदानाक प्रवृत्त करपाचें, कोणाकूय तरी मत दियात. कोण वेंचून येता तो येवंदी.

*** आतां तुमचें आत्मचरित्र 'सतीचे वाण' पळयत जाल्यार अशें दिसून येता की अन्याया आड संतापान उठिल्ली सामान्य जनता कितली असामान्यपणान झुंजता आनी इतिहासाची दिकाय बदलूंक शकता. पूण म्हाका खंत दिसता ५० हजारांचेर जेन्ना लाठीचार्ज जाता, अश्रुधूर सोडटात तेन्ना असले लोक खंय व्हांवन गेले तेंच कळना.**

** ना, ते व्हांवून वचूंक नात. कांय दीस लागतले. म्हयनो लागत, दोन म्हयने लागत. जें बीं रुजवणां घालां, फुकट वचना. आमकां दिसता, आरे लोक कांयच करिनांत. पूण तशें नासता. मनांत जी ज्वाळा आसता, ती पेट घेता. फकत ती गजाल न्यायाची आसूंक जाय.



*** इतलें आसुनय लोक पेटून कित्याक उठनात?**

** आमकां दिसता की लोक ओगी आसात. पूण ते ओगी नासतात. सरकारान जें कितें केलां ताचेरूय ते विचार करतात आनी ती करणी न्यायाआड आसली तर पेटून उठ्ठाच उठ्ठा.

*** म्हाका एक वेगळो प्रस्न विचारपाचो आशिल्लो, जेन्ना तुमी सुटका जाल्या उप्रांत मायदेशांत परतले, स्थायीक जाले तेन्ना गोमंतक मराठी शिक्षक परिशदेची स्थापना केली. तुमी तिचे कार्यवाह आशिल्ले. ते वेळारय इंग्रजीकरण आशिल्लें. पूण तुमी इंग्रजी माध्यम वेंचून काडिनासतना मराठीच कित्याक वेंचलें?**

** शिक्षणाचें तत्व अशें आसा की मायंभाशेंतल्यान भुरग्यांक शिकयलें जाल्यार तें चड कळटा आनी काळजांत रुजता. जी भास तांकां परिचीत ना ते भाशेंतल्यान जर शिकयलें तर ते रोखडेच आत्मसात करूंक शकनात. हुशार, बुध्दीमान भुरगो एकवेळ करूंक शकता. ना न्हय. ह्यांव सर्वसामान्य भुरग्यांचें उलयतां. हें शिक्षणीक तत्व आसा. कोठारी कमिशनान लेगीत तें मान्य केलां आनी सांगलांय बी. देखून आमी मराठी शाळा काडपाचें थारायलें. इंग्रजी शाळांचे पसरे-दुकानां आसातूच. पूण मराठी शाळा लोकांक पसंत पडनात. जायत्यो गजाली अश्यो आसतात की तात्वीक नदरेन त्यो खऱ्यो आसतात. पूण लोकांक त्यो पसंत पडटल्योच अशें न्हय. कोंकणीच्यो जरी शाळा काडल्यो तरी त्यो चलच्यो नात. लोकांचो विस्वास आसा, जंय आपलो उद्दार जातलो तो इंग्रजी भाशेंतल्यानूच जातलो. खरेंय आसा तें. इंग्रजी भास प्रत्येकाक येवंक जाय. पूण इंग्रजी भास येवंक जाय म्हळ्यार सगळे विशय इंग्रजी माध्यमांतल्यान शिकूंक जाय अशें कांय न्हय. भुगोल, इतिहास हे विशय लेगीत इंग्रजी माध्यमांतल्यान शिकूंक जाय अशेंच कांय ना. आमी भारतांत इंग्रजीचो येदो व्हडलो बाऊ केल्लो आसा, तो सोसपाचो न्हय.

आमी सात वर्सां शिकताले. सामके मॅट्रीक मेरेन मराठी माध्यमांतल्यान. इंग्रजी एक

विशय आसतालो. मॅट्रीक जाले उप्रांतूय म्हाका इंग्रजी उलोवंक येना आशिल्ली. सात वर्सां इंग्रजीचो अभ्यास करूनय इंग्रजी येना हाचो अर्थ कितें? इंग्रजी इतली अवघड आसा व्हय? म्हाका पुर्तुगेज येना आशिल्ली. पूण पुर्तुगालाक व्हरतकच, थंयच्या कैद्यांकडेन उलयतकच दोन म्हयन्याभितर म्हाका पुर्तुगेज येवंक लागली. ज्यो भासो एखाद्रो शेंबडो पोर लेगीत उलयता त्यो हेरांक कित्याक येवं नज? पूण आमचो बाऊच असो आसता की आरे बाबा इंग्रजी सामकी अवघड आसता. चोवीस वरां इंग्रजी घोकली तरच येवं येता अशें कांय न्हय. खंयचीय भास सोपी आसता. आजकाल भारतीय भुरगीं जपानीच न्हय हेर भासोय शिकतात. एका भुरग्याक जपानी शिकपाची आशिल्ली. आमचे संस्थे वतीन आमी ताका मजत केली. स-सात म्हयन्यानी तो जपानी उलोवंक लागलो. तेन्ना भाशा अवघड नासता. केरळचे लोक हांगा येतात. कोंकणी उलोवंक लागतात महाराष्ट्रांतलो एखाद्रो कर्नाटकांत वता आनी कानडी उलोवंक लागता.

सगळे विशय इंग्रजीत शिकयले तर ते आपल्याक बरे पयकी समजतले असो आमी बाऊ करतात ताची गरज ना. इंग्रजीच विशय बरेतरेन शिकात. आमी भुरग्यांचेर वजें घालतात. मागीर कितें पाठांतर. भूगोल इंग्रजींत पाठ करात, इतिहास इंग्रजींत पाठ करात. मागीर तें पाठांतर कांय दिसांनी भुरगे विसरून वतात.

*** शेवटाक आमी खंयचे भाशेंत उलयतां ताचे परस कितें उलयतात तें म्हत्वाचें आसा.**

** सामकें खरें. इंग्रजी शिकपी सगळेच इंग्रजाळ्ळेलो जायनांत. विदेशी भाशेंतल्यान शिकिल्लो देशद्रोही जाता अशें म्हणप अतिरेकीपणाचें जावन आसा. कांय पालक भुरग्यांक इंग्रजी माध्यमाच्या शाळांनी धाडिनांत. ती अती देशभक्ती आसता. तांका दिसता हो भुरगो इबाडटलो, मुखार इंग्रजाळटलो. मराठी-कोंकणी शिकपी देशभक्तच जातलो अशें कांय न्हय. मराठी शिकपी लेगीत देशद्रोह करतात.

आतां टि.बी कुन्य बी आमची मंडळी घेवया. तेल्यु मास्कारेन्हस, टि.बी. कुन्य हांचें कुटूंब ऑरिस्टोक्रेट आशिल्लें. तें क्रिस्तांव जालें. पुर्तुगेज ही तांची मांयभास जाली. तांचें उलोवप, वागप, रावप सगळेंच पुर्तुगेज. पुर्तुगालाक वचून ते पुर्तुगेज शिकले. तरूय ही मंडळी देशभक्त जाली. आनी खऱ्यानीच ही मंडळी पुर्तुगेज धार्जिणी जाल्ली तर तें सैमीक आशिल्लें. पुर्तुगेज भाशेन तांकां देशद्रोही केले नांत. अरबिंदोबाबू घोष तांच्या आवयबापायन तांच्या कानार बंगालीचो एकूय शब्द पडूंक फावना अशी वेवस्ता केली. तांकां सांबाळपाच्यो ज्यो दायी आशिल्लो त्यो सगळ्यो इंग्रज आशिल्ल्यो. आनी अशें आसुनय अरबिंदो भारतीय तत्वगिन्यान सांगपी, भारतीयत्वाचे गोडवे गावपी जाले. ब्रिटीश दायानी तांका धर्मद्रोही, देशद्रोही करूंक ना. हें अशें आसता. विवेकानंदान कितलें इंग्रजी लिखाण केल्लें आसा. तें इंग्रजी लिखाण वाचून आमकां देशभक्तीची स्फूर्तच येतली.

*** इंग्रजी भाशेचो आमकां द्वेश नाच. सगळ्यो भासो शिकूंक जाय. पूण तें माध्यम आसपाची गरज ना.**

** सामकें सत. तुमी गरजेभायर भुरग्यांच्या मनाचेर ताण कित्याक दितात? बाबा तुवें इंग्रजींतल्यानूच उलोवंक जाय. ते काळार 'आमचा गोमन्तक' म्हूण एक भुगोलाचें पुस्तक आशिल्लें. त्या पुस्तकाच्या पयल्या पानार गोंयची कविता आशिल्ली. 'प्रिय आमुचा गोमंतक...' बी. वसंत कारे हाणी केल्ली. हें एकमेव अशें उदारण जंय भुगोलाच्या पुस्तकांत कविता येता.

भुगोल सारको विशय इंग्रजींतल्यान, पुर्तुगेजींतल्यान शिकपाची गरज ना. कितलें हांसत खेळत शिकूं येता. माध्यम जर लादलें तर भुरग्यांचेर सक्ती करची पडटा. प्रश्नोत्तरांय पाठ करचीं पडटात. इंग्रजी येवपा खातीर माध्यमाची गरज ना. तुमी इंग्रजी बरी शिकात. भाशा शिकप खूब सोपें. हांव पुर्तुगालाक रावलों तेन्ना म्हाका पुर्तुगेज आपसून येवंक त
मागीर हांव स्पॅनीश शिकलों. मॅ
ॲम्बसी भारत सरकारान नेमिल्ली.
हितसंबंद पळोवपा खातीर. तिचो
म्हाका मेळूंक येतालो. ताचेकडच्या
पुस्तकां मागून घेतलीं. सामको खे
सहजपणान हांव शिकलों. फ्रेंच शिक
ह्योच भासो शिक्षणाचें माध्यम केल्ल्यो
मात मागीर प्रस्न येता. तीच भास
अवघड दिसूंक लागता. मागीर घोकम

म्हजो फोंड्यां सत्कार
आल्मेद हायस्कुलांत. दादा वैद्यान
सालांत आल्मैद हायस्कुलाची स्थापना
आतां जिका कॉलेज म्हणटात ती. भुरग
मनाचेर निश्कारण वजें लादचें
मांयभाशेंतल्यान भुरग्यांक शिक्षण दिलें
वजें कमी जाता. दादा वैद्यानी
कॉलेजीचें नांव आल्मैद दिलें. को
आल्मैद?

महाराष्ट्रांत फर्ग्युसन कॉलेज
फर्ग्युसन गव्हर्नर आशिल्लो. ताचेकडल्या
मेळटली म्हूण नांव दिलें. दादा वैद्यानी
मेळटली हे आशेन हें नांव दिलें न
आंतोनियो जुझे आल्मैद पुर्तुगाल
ऑक्टोबराक क्रांती जाले उप्रांत जें नि
सेक्युलर राज्य निर्माण जालें ताचो
पंतप्रधान आशिल्लो. ते वेळार हिन्दू
ख्रिश्चन हो भेद पाळप जातालें. क्रिस्त
चड स्वातंत्र्य आशिल्लें गोंयांत. हिन
धर्मीक मिरवणुको चर्चींवटेन वचूंक
आशिल्ल्यो. हिन्दू आनी क्रिस्तांव हांचे
अजिबात भेद करचो न्हय हो मुद्दो
पुर्तुगालच्या पार्लीमेंटांत मांडलो. त
फुडारपणाखालाच ती क्रांती जाली. ती
तांची स्मृती म्हणून दादा वैद्यानी तांचें
आपले शाळेक दिलें. आल्मैद नांव दिल
थंय काय पुर्तुगेज धार्जिणे निर्माण जाले
उलट दादा वैद्यांनी ते शाळेचे जे शिक्षक
ते ब्रिटीश भारतांतले क्रांतीकारक आशि
जांचेर बॉरन्टस् आशिल्लीं. ते भुमिगत
गोंयांत आयिल्ले तांकांच ताणीं शिक्षक
नेमले.

क्रांतिवीर मोहन रानडे हांचो फोंड्यां सत्कार जालो. तेन्ना सत्कार करतात सुटके झुजारी फ्लावियानो डायस. वांगडा सौ. विमला रानडे, प्रा. अनिल सामंत आनी हेर मानेस्त.

गोंय स्वातंत्र्य लढो हो गोंयकारांनी लढयला. जे कोण भायले लोक आयले ताणीं चिथोवन घाले अशें म्हणटात ते गोंयकार म्हळ्यार मेंढरां नाशिल्लीं, कोणेय भायल्या मनशान येवचें आनी सांगचें आरे अमूक अमूक करात आनी ताणीं तें करपाचें. अशें अजिबात जावंक ना.

लाला लजपत रायांक मारलो. पणजेंत निशेध सभा जाली. तिचे अध्यक्ष आशिल्ले गोम्स पैरैर, थाराव मांडलो तो ॲड. विनायक कैसरे हाणी. १९१८ वर्सा हांगा हरताळ जालो. लिसेवच्या भुरग्यांनी संप केलो. कांय जाणांक रिस्टीकेट जावंचें पडलें. तेन्ना हो जो गोंयचो इतिहास आसा तो गोंयकारांनी घडयल्लो आसा. भायल्यांनी जी कितें मजत केली तें तांचें कामूच आशिल्लें.

*** जेन्ना तुमी १९८६त गोंयांत महिला बालक कल्याण गृहाची स्थापना केली आनी चिंबला झोपडपट्टेंत गरीब, गरजू आनी उपेक्षीत लोकांखातीर काम केलें आनी शासनान तुमकां पुरस्कृत केलें त्या फाटली प्रेरणा कितें?**

** म्हजो पिंड हो विधायक कार्य करपाचो. गोंयांत आयल्या उप्रांत हांवें श्रमदानान झोपडी टायप शाळा बांदली. हांवें म्हजी ब्राह्मण जात विसरची, तो जो एक गर्व मनात आसता तो वचचो, विसरचो, ते बेडयेंतल्यान मुक्त जावचें म्हूण हांवें म्हजे जातींतल्यान पुरायेन मुक्त जावचो प्रयत्न केलो. बांबोळे हांगा नावशी नांवाचो पुराय गावड्यांचो गांव आसा. आदले क्रिस्तांव गावडे आता हिंदू जाल्ले. ताच्यांत हांव रावलों आनी थंय तांचे मदीं कोंकणी शिकलों. ती कोंकणी थंयच्या गावड्यांची आशिल्ली. थंयच्यान जेन्ना हांव सावयवेच्यां गेलों तेन्ना म्हळें कोंकणीच उलोवंची. आनी मागीर 'कित कोत्ता' अशें बी हांव उलोवंक लागलों. तेन्ना थंयचे लोक म्हणूंक लागले, 'गुरूजी ही कोंकणी आमी उलयनांत. ही गावड्यांची कोंकणी.' म्हणचे मराठींत 'तू गाढव आहेस' अशें आमी म्हणटात तेच धर्तेचेर त्या काळार उलयताले, 'अशें कितें उलयता तूं गावड्या भशेन?' तें आयकून हांवेंय गावडो जावपाचो प्रयत्न केल्लो. त्या लोकांनी म्हाका आपली खोप खाली करून दिली. ते खोपींत हांव रावतालों. शिकयतां ताची फी बी कांयच घेना आशिल्लों. पयलीं तांका दिशिल्लें म्हाका 'काँग्रेसीं'कडल्यान म्हळ्यार भारत सरकाराकडल्यान पयशे मेळटात. पूण जेन्ना ताणीं म्हजी चूल थंड आशिल्ली पळयली तेन्ना ताणीं म्हाका धान्य दिवंक आरंब केलो. गांवांत म्हालो जर आयलो तर ताणें मास्तराचे केंस पयशे घेना आसतनाच कापूंक सुरू केले. हांव शेतांतूय काम करूंक लागलों. विधायक कार्याची म्हाका गोडी आनी आवड.

*** तुमी कशे घडले हें आमच्या सारक्यांक प्रेरणादायी जावन आसा. तुमी जियेल्लो दरेक खीण आमचे पासत विद्यापीठ आसा. तुमचो आयचे पिळगेक कितें संदेश आसा?**

** संदेश नाका. तुमी ध्यास बाळगात. जी प्रवृत्ती स्वातंत्र्य संग्रामांत आशिल्ली तीच तुमी तुमचे मदीं बाणयात. तोच ध्यास मनात दवरात. प्रत्येक खेप समाजाचोच विचार आपल्या मनांत आसचो. दरेक गजाल करतना ती समाज विघातक तर ना मू? हाचो विचार करचो.

■■■

प्रिस्क्रिप्शनाचें म्हत्व

ॲलोपथिक वखदां मुख्यतायेन दोन तरेचीं आसतात :

अ) बिगर-प्रिस्क्रिप्शन वखदां - जीं वखदां कायद्यान दोतोराच्या रशेदा बगर विकतीं घेवं येतात, किंवा तीं फार्मासिस्ट रुग्णाक सुचोवंक शकता. हीं वखदां तांतल्या तातूंत सुरक्षीत आसतात आनी रुग्ण हीं वखदां दोतोराक विचारल्याबगर आपूण थारावन घेवंक शकतात. तरीपूण ह्या वखदांपासून अतिरिक्त दुश्परिणाम (सायड इफेक्ट) जावंक शकतात, म्हणून हीं वखदां लेगीत सांबाळून वापरूंक जाय . ह्या वखदांक 'ओटीसी' (OTC-Over the Counter) वखदां लेगीत म्हणटात. देखीक: पॅरासिटामोल (क्रोसीन), ॲस्पिरीन, विटामीन, कॅल्सियम, कॅलामायन लोशन, ओ आर एस आदी.

ह्या वखदांची आमकां खूब फावटी जायरात दिसून येता.

ब) प्रिस्क्रिप्शन वखदां - जीं वखदां, फार्मासींत दोतोराच्या योग्य प्रिस्क्रिप्शन/रशेदारूच घेवपाक जाता. कायद्याप्रमाण फार्मासकाराक हीं वखदां पदवीधारक दोतोराच्या योग्य रशेदाचेरूच रुग्णाक विकपाक जाता. हीं वखदां जर योग्य रितीन दोतोराच्या सल्ल्या प्रमाण वापरलीना जाल्यार ताचे दुश्परिणाम जावं येतात, म्हणून ही सक्ती. हीं वखदां वळखुपाचीं कशीं? ह्या वखदांच्या लेबलाचेर तीन गोश्टी आसतात : दाव्या कोनशाक लाल तितान Rx आनी लाल तितान उभी रेघ (line) आनी एका बॉक्सांत "Warning : To be sold by retail on the prescription of a Registered Medical Practitioner only" अशें बरयल्लें आसता.

आयज मेळटात तातुंतलीं बरींचशीं वखदां हे तरेचीं आसतात, देखीक : दुखीचीं वखदां (ब्रुफेन, वोवेरान, कोम्बीफ्लाम आदी) स्टेरॉयड्स, रक्तदाबाचीं, मधुमेहाचीं, ॲण्टीबायोटीक्स, मनोरोगाचीं (psychiatric) वखदां, आदी.

दुर्दैवान भारतांत बरेचशे लोक फार्मासींत दोतोराचें रशेद घे नासतना येतात आनी प्रिस्क्रिप्शन वखदां मागपाच्यो अनेक चुकीच्यो तरा वापरतात :

- तोंडान वखदाचें नांव घेवन.
- गुळयांचो प्रायस अथवा रंग सांगून.
- गुळयांची पोरणीं पाकिटां, बॉक्सां, पोरण्यो बाटल्यो, गुड्ड्यो दाखोवन.
- वखदांचें नांव कागदाच्या चिटयांचेर, बसीचे तिकिटांचेर, किंवा पेनान हातीर बरोवन.
- वखदाचें नांव मोबायलाचे मॅसेजीर दाखोवन.
- दोतोराचीं पोरणीं रशेदां (केन्ना थोडीं वर्सां पयलींचीं) हाडप.
- वखदांचीं नांवां फोनार सांगप आनी तीं घरा धाडपाक लावप.

ह्यो सगळ्यो भिरांकूळ पध्दती प्रिस्क्रिप्शनाची गरज

फार्मासींतल्या फार्मासिस्टाक प्रत्येक फावटी दोतोराचें रशेद पळोवन खात्री करून घेवपाची गरज आसता :

- रशेद हें एक कायदेशीर कागदपत्र आनी कायद्यान 'प्रिस्क्रिप्शन वखदां' रशेद प्रत्यक्ष तपासून मागीरूच दिवचीं आसतात.
- रशेदावयलें दोतोराचें नोंदणीकरण आनी पदवी पळोवन तो दोतोर 'प्रिस्क्रिप्शन वखदां' बरोवपाक पात्र आसा की ना हें फार्मासिस्ट पारखूंक शकता.
- प्रिस्क्रिप्शनाचेर रुग्णाची पिराय, वजन, लिंग, रोगाचें निदान आदी बरयिल्लें आसता - जें पळोवन, फार्मासीस्ट रुग्णाक उपचार करतना करच्यो आनी न करच्यो असल्या जायत्या गोश्टींचेर सावध करूंक शकता.
- रशेद पळोवन फार्मासिस्ट वखद, ताची potency, dose हे बरोबर आसा की ना हें पळोवंक शकता.
- जर रशेदाचेर बरयल्ल्या वखदाबद्दल कितेंय दुबाव आसुंयेत (देखीक- दोतोराचें अक्षर सारकें वाचूंक ना येवप, मात्रा सारकी नासत, आदी) तर फार्मासिस्ट दोतोराकडेन उलोवन, रुग्णाच्या भलायकी खातीर फोडणीशी करूंक शकता.
- सहसा, दोतोर रशेदाचेर प्रत्येक वखद कशें घेवप हें बरयता, पूण केन्ना-केन्ना तें रुग्णाक सारकें समजना. फार्मासिस्ट आपलें वेवसायीक गिन्यान वापरून वखदां योग्य रितीन कशीं हें रुग्णाक मार्गदर्शन करूंक शकता. वख तरेन घेतलें जाल्यारूच ताचो सारको गूण ये
- रशेदाशिवाय वखदां घेता ते बरोबर आसात की ना, ही खात्री जावंक एकदां जर चुकीचें वखद घेतलें जाल्यार फावटीं तींच चुकिचीं वखदां तुमी घेत रा

तर अशे तरेन, तुमचें रशेद तु फार्मासकाराक तुमची बरी आनी योग्य तरे करूंक मजत करता.

रशेद न हाडिल्ल्याचीं रूग्ण दित तीं साबार सामान्य कारणां.

- हाडपाक विसरलों
- दोतोरान वखद फोनार सांगलें
- दोतोर म्हजो सोयरो ताणीं वखदा म्हाका तोंडान सांगलें.
- पयलेच फावटी म्हजेकडें कोणी मागलां.
- म्हाका म्हज्या वखदांचीं नांवां आसात. हांव तीं कितलींशींच वस
- ॲण्टीबायोटीकाक रशेद कित्याक ल
- तूं म्हाका आतां घरा वच आनी घेवन यो म्हणटा?
- रशेद घराकडे आसा. बायलेन वखदाचें नांव सांगलां.
- सगळे फार्मासकार दितात - तूं कि दिना?
- घे, म्हज्या दोतोराकडे उलय तो सांगतलो तुकां.
- भियेंव नाका, कितें जाल्यार तु जबाबदार धरचो ना.
- रशेद हाडपाक प्रत्येक फावटी दोतोराकडे वचप परवड ना.

■■

- राज

इंडियनफार्मास्युटिकल असोसि

ईमेल : ipacpd@gmail.c

२१सें मी. किडणी ट्यूमर काडपांत नूसी वोखाटचें दोळे दिपकावपी यश

कुंकळेच्या नूसी वोखार्ट हॉस्पिटलांत हालींच एका ६५ वर्सांच्या रूग्णाचेर एक अवघड शस्त्रक्रिया केली. पोटांत उजवे वटेन वेदना जातात इतलेंच लक्षण आशिल्ल्या ह्या रुग्णाक सपनांतूय दिसूंक नाशिल्लें की ताका ट्यूमर आसत म्हूण!

तपासपा खातीर ताणें दोतोरांक दाखयलें, सीटी स्कॅन केल्या उप्रांत ताका सांगलें कीं कितेंतरी संसर्ग जाला. ताचेर समादान जावंक नाशिल्ल्यान ताणीं नूसी वोखार्ट मदल्या डॉ. माधव संझगिरी ह्या जेश्ठ युरॉलॉजिस्टचो सल्लो घेतलो.

तांचे वैजकी अहवाल पळयतकच डॉ. संझगिरी हाणीं पर्थून सीटी स्कॅन आनी अल्ट्रासोनोग्राफी केली तेन्ना उजव्या मूत्रपिंडाचेर मोठो गुळो आशिल्ल्याचें तांका दिसलें. डॉ. संझगिरींनी राईट रेडियल नेफ्रेक्टोमी करपाचें थारायलें. तांका सुमार १.३ किलो वजनाचो आनी २१ बाय १३ सें.मी. आकाराचो गुळो आशिल्ल्याचें लक्षांत आयलें. त्या गुळ्याची हिस्टोपॅथॉलॉजी करतकच अत्यंत दुर्मिळ आशिल्लो ट्यूमर म्हळ्यार लिपोसार्कामा आशिल्ल्याचें दिसून आयलें.

खाशेलो थोरॅसिक एपीड्यूरल ॲनेस्थेशिया आनी ॲनेलजेसिया दिवन ही शस्त्रक्रिया केली. शस्त्रक्रिये उप्रांत फकत ५ दिसांत रूग्ण पुराय वेदनामुक्त जावन घरा वचूंक शकलो.

नूसी वोखार्ट हॉस्पीटलांतलो युरॉलॉजिकल विभाग हो गोंय राज्यांत अत्यंत आधुनिक आसा. जायत्यो नव्यो प्रक्रिया आनी तंत्रगिन्यान हांगा चालू केलां. एखाद्रे अस्तंती संस्थेलागीं तुळा करूं येता अशी अर्विल्ली एंडोयुरॉलॉजिकल उपकरणां आनी तंत्रगिन्यान नूसीत उपलब्ध आसा. वोखार्टचो युरॉलॉजी विभाग फाटलीं णव वर्सां सेवा दिता. आजमेरेन १०,००० बाह्यरूग्ण तर ७००० शस्त्रक्रिया आनी २००० लिथोट्रीप्सीज केल्यात.

एडीनबर्ग हांगचे रॉयल कॉलेज ऑफ सर्जन्स हातुंतल्यान एफआरसीएस करून विदेशांत जायतीं वर्सां काम केल्ले डॉ. माधव संझगिरी गोंयच्या सरभोंवतणच्या वाठारांतले एक सर्वोत्तम युरॉलॉजिस्ट म्हूण वळखतात. ते एमबीबीएस्, एमएस्, एमसीएच, डीएनबी आनी एफआरसीएस आसात. नूसी वोखार्टच्या युरॉलॉजी विभागाचे ते मुखेल आसून अत्यंय अवघड शस्त्रक्रिया करपांत कारवार आनी महाराष्ट्रांतय तांचें नांव जाल्लें आसा. इंग्लंड, रशिया, आफ्रिका आनी अमेरिका हांगच्या रूग्णांक सेवा दिवप नूसी वोखार्ट गोंयच्या वैजकी पर्यटनाक भरीव योगदान दिता.

WOCKHARDT HOSPITALS
NUSI WOCKHARDT HOSPITAL
Panzorconi, Cuncolim, Salcete, Goa - 403 703
Tel: (0832) 6684444, Fax: (0832) 6684242 contact@wockhardthospitals.com www.wockhardthospitals.com

POSTAL LICENCE NO.: G-2/RNP.Goa/01/2009-11 RNI Regd. No. GOA KON/2008/

GOA promotes production of films in Konkani, Marathi, Hindi and English of aesthetic excellence and social relevance depicting Goan art, culture and heritage under Goa Scheme of Financial Assistance for Films 2010

Goa Scheme of Financial Assistance for Films 2010 provides grant of financial assistance up to 50% of the total cost of the production of the film
and
additional financial assistance is provided as under :

i. Rs. 30 lakhs if a film wins the Golden Lotus award at the National Film Award or any international award at a Film Festival.

ii. Rs. 20 lakhs if a film wins the National Film Award in the best film category in regional language and Rs. 25 lakhs for any other film category.

iii. Rs. 5 lakhs if a film is screened in the official selection category at IFFI or any other International Film Festival.

iv. Rs. 5 lakhs for the Director of the film winning a national award or international award at Film Festival and Rs. 2 lakhs for the artistes/ technician in any individual category.

v. Rs. 5000 per show for theatre release and screening of feature film (celluloid) upto a maximum of 100 shows in the theatres located in the State of Goa.

Goa is the first State to award Rs.3 lakhs for the best film at Goa State Film Festival and Rs.1 lakh as second prize.

Goa hosts International Film Festival every year.

Goa has potential to be the No. 1 destination for film makers.

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa

Working towards a Secular & Prosperous Goa

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, 'Dharm-Laxmi', St. Lourence, Agasaim - Go
Printed at Impressions, Belgaum. Editor : Dilip Borkar, Ph.: 2438355, E-mail: bimbkonkani@yahoo.co.